म्हजी माती, म्हजीं मनशां

डॉ. जयंती नायक



8335
Short-Stories
Dev
JAY

ವಿಶ್ವ ಕೊಂಕಣಿ ಕೇಂದ್ರ, ಮಂಗಳೂರು
ಹಾಂಕಾಂ ಮಾಯೆಮೋಗಾನ ಭೆಟ.
ಜಯಂತಿ 27/10/20

म्हजी माती,
म्हजीं मनशां

(व्यक्तीचित्रां)

डॉ. जयंती नायक

KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R) *
World Konkani Centre
Lobo Prabhu Nagar,
Konkan Gaon,
Shaktinagar,
Mangaluru,
575 016

राजहंस प्रकाशन

83325
Short stories
Dev
JAY

म्हजी माती, म्हजीं मनशां
(व्यक्तीचित्रां)

डॉ. जयंती नायक

प्रकाशन क्र. 19

पयली आवृत्ती : 2015

© डॉ. जयंती नायक

छापपी :
लोकमान्य प्रोसेस
खोर्ली, तिसवाडी, गोंय.

मुखचित्र:
श्रीधर कामत बांबोळकार

रेखाचित्रां:
गिरीश नंदा बोरकार

प्रकाशक :
अवधूत आमोणकार,
राजाई प्रकाशन,
आमोणें, केपें, गोंय - 403 705
फोन: 0832-2662422
मो.: 9823575623

मोल : रु. 200/-

Mhoji Mati, Mhoji Mansha
(Life Sketeches)

Dr. Jayanti Naik

Publication No. 19

First Edition: 2015

© Dr. Jayanti Naik

Printer :
Lokmanya Process
Corlim, Tiswadi, Goa.

Cover:
Shridhar Kamat Bambolkar

Sketches:
Girish Nanda Borkar

Publisher :
Avadhut Amonkar,
Rajaee Prakashan,
Amona, Kepem, Goa - 403 705
Ph.: 0832-2662422
Mob.: 9823575623

Price : Rs. 200/-

ह्या पुस्तकांत आस्पाविल्लीं व्यक्तीचित्रां सुनापरान्त दिसाळ्याचे आयतार पुरवणेंतल्यान 20 मे 2012 ते 17 ऑगस्ट 2014 ह्या काळांत 'म्हजी माती, म्हजीं मनशां' ह्या दर पंद्रशीत उजवाडाक येवपी सदरांतल्यान पुर्वप्रसिध्द जाल्लीं आसात.

ओंपणी

हें पुस्तक,

जल्मी - खुंटयेच्या
चंद्रेश्वर - भूतनाथाच्या
काळभैराव - सिध्दभैरावाच्या
सांतेर - मुदेश्वराच्या
घुडयां - तोर्णांच्या
अब्दागीरी - इलामतींच्या
रथा - पालख्यांच्या
वडील - जाणट्यांच्या
गांवकारा - थाणग्याच्या
कदंब - सोंदेकाराच्या
भटा - बामणांच्या
गुरवा - भगताच्या
शेटी - वाणयांच्या
बंदे - फर्जदांच्या
गाणेल्यां - कलावंतांच्या
क्रिस्तांवा - कुळंब्यांच्या
मुदेल्या - वर्सकाराच्या
नीती - निवाड्यांच्या
गांव - गांवपणाच्या
बुदवंतां - जाणांच्या
सेवेकऱ्यां - कारक्यांच्या
मिराश्यां - म्हाजनांच्या
खेत्र्यां - समंदांच्या
भुतां - खेतांच्या
आलवांतीणी - वारगतींच्या
मान - पानाच्या
मोकाश्यां - ताम्रपटांच्या

चाली - भोगावळींच्या
रिती - रिवाजांच्या
सुयेरां - सुतकांच्या
धोला - ताशांच्या
शेनायां - सुर्तींच्या
कांसाळ्यां - जगाटांच्या
ताळां - तोणयांच्या
घुमट्यां - देवळांच्या
पाशाणां - मुर्तींच्या
मेळां - खेळांच्या
खेळगड्यां - म्हालगड्यांच्या
भारां - अंवसरांच्या
गड्यां - रंभांच्या
घाडयां - बंटिणींच्या
ज्योयश्यां - मंत्र्यांच्या
आंगवण्यां - सांगवणींच्या
मागण्यां - गाराण्यांच्या
प्रसादां - पांकळ्यांच्या
कौला - उतरांच्या
आशां - घुलांच्या
आंगाऱ्यां - धुपाऱ्यांच्या
भस्मा - बिबुतींच्या
जादू - फितीसांच्या
गारूडां - करण्यांच्या
सोऱ्यां - रोटांच्या
विडयां - चिरूटांच्या
वाती - पणट्यांच्या
दिवजां - दिवल्यांच्या
ताटां - तळयांच्या
मांडा - आंगणांच्या
तुळसी - खांबांच्या

खुरसां - कपेलांच्या
कोंबड्यां - बोकड्यांच्या
परबां - सणांच्या
जात्रां - फेस्तांच्या
शिगम्या - होळयांच्या
गड्यां - भोवंरींच्या
चौरंगी - जतींच्या
धुल्ला - धुळवटींच्या
इंत्रूजा - पास्काच्या
पानां - खोल्यांच्या
शित्यां - पत्रावळींच्या
दोरयां - वावळयांच्या
चवथ - मखरांच्या
दसऱ्या - दिवाळेच्या
नाताला - नकेंत्रांच्या
धेंणल्या - पाडव्यांच्या
संज्यांवा - पातोळयांच्या
धालां - फुगड्यांच्या
होंवयो - येर्सांच्या
कातारां - फालांच्या
काजळां - कुकमांच्या
हळदी - पिंजरींच्या
फुलां - चामळांच्या
कांकणां - चुड्यांच्या
कापडां - चोळयांच्या
घागऱ्यां - पोलक्यांच्या
धोतरां - काश्टयांच्या
आंगल्यां - तोपऱ्यांच्या
नथी - वाळयांच्या
शेंकल्यां - दाण्यांच्या
घुमा - भिकबाळयांच्या

पिड्डुकां - मणयांच्या
गांठल्यां - गळसरयांच्या
देंठल्यां - पदरांच्या
खोप्यां - आंबाड्यांच्या
वेड्यां - बिंदलांच्या
जनऱ्यां - वाळ्यांच्या
पगड्यां - मुंडाश्यांच्या
तावजां - दोऱ्यांच्या
बासंगां - अंतरपाटांच्या
हरदासा - संकासुरांच्या
काल्यां - जागरांच्या
तियात्रां - नाटकांच्या
अभंगां - किर्तनांच्या
पुराणां - भजनांच्या
न्हंयां - बांयांच्या
व्हाळां - पाणट्यांच्या
कुशावती - गंगेच्या
पाज्जी - सोपणांच्या
शेतां - भाटांच्या
रानां - मड्ड्यांच्या
खंदकां - कोटांच्या
मार्गां - पायणींच्या
पर्वता - दोंगरांच्या
भुंयारां - भुशिरांच्या
गोरवां - वासरांच्या
राखण्यां - दिण्यांच्या
वागा - वागटांच्या
कोल्यां - भालुंच्या
वाशेलां - मेरवांच्या
भेकऱ्यां - भेसडांच्या
कांटादोर - उदांच्या

साळी - साळोऱ्यांच्या
किरा - मोरांच्या
कावळ्यां - कोगळांच्या
शेवण्यां - किटुरांच्या
भिरमुट्यां - गांजिलांच्या
किडी - मुंयांच्या
गांयडोळ - हेंवाळ्यांच्या
नागां - सोरपांच्या
बेब्यां - कांसवांच्या
नुस्त्या - काड्डुकांच्या
गारी - शेड्ड्यांच्या
सापां - शिल्र्यांच्या
चारां - चुन्नांच्या
काण्णां - कणेरांच्या
बोरां - जगमांच्या
चिंवरां - पिटकोळांच्या
जांबळां - भेळसांच्या
मुट्ट्यां - फोकांच्या
बिब्यां - बिंयांच्या
पणसा - कुंवल्यांच्या
आंब्यां - तोरांच्या
काजू - भिंडांच्या
पेरां - तोरींगांच्या
फळसा - बिबयांच्या
वडा - पिंपळांच्या
रुमडा - सायलांच्या
खश्टां - काऱ्यांच्या
खचऱ्या - केनाळाच्या
नेरा - साळींच्या
नाचण्या - वरयेच्या
कुळीद - पाखळांच्या

भातां - तांदळांच्या
अन्न - गोट्यांच्या
पेजे - शितांच्या
कुंयां - कणयांच्या
चिरमुल्यां - फोवांच्या
धडमी - पोलांच्या
गोंड्यां - आंबलेच्या
पोसवां - कणसांच्या
सान्नां - शिरवळयांच्या
पोळयां - भाकऱ्यांच्या
दोण्यां - पातोळयांच्या
पायसा - मणगण्यांच्या
चोरू - उपारांच्या
तुपां - तेलांच्या
दुदां - धंयांच्या
पंचखाद्यां - पक्वान्नांच्या
घरां - खोपींच्या
माटवां - मंडपांच्या
शेणां - शिंताड्यांच्या
पारयां - पिकासांच्या
कोयत्यां - कुराड्यांच्या
विळयां - आदोळयांच्या
कोबल्यां - किल्लकांतन्यांच्या
खरवती - विन्न्यांच्या
मडकुळां - भाल्यांच्या
गरयां - कांटाळयांच्या
वज्यां - खोटल्यांच्या
सुपां - दालयांच्या
वल्ल्यां - आराण्यांच्या
घागरी - कळशांच्या
थाली - ताम्हणांच्या

पळयां - पडग्यांच्या
कांडणां - मुसळांच्या
दात्यां - वानांच्या
कांतयां - दांबण्यांच्या
भाणां - भाटयांच्या
गाडग्यां - मडक्यांच्या
घुरमां - कंड्ड्याच्या
करडां - तणांच्या
वरंडी - गुडव्यांच्या
लुवण्यां - मळण्यांच्या
जोतां - नांगरांच्या
बीं - बियांतणींच्या
खळां - कुडवांच्या
अण्णाट्यां - पायल्यांच्या
आडवणां - मेरांच्या
कुणग्यां - बांदलांच्या
लारूडां - बडयांच्या
मुंडकारां - भाटकारांच्या
ओंड्यां - घट्टणांच्या
सांकवां - पुलांच्या
तारी - व्हडयांच्या
पेडां - कट्यांच्या
शिमो - सराद्दीच्या
वट्टां - पोरसांच्या
आमटाणी - मिरसांगांच्या
पानां - सुपाऱ्यांच्या
माडां - माडयांच्या
फोफळां - बेड्यांच्या
नागवेली - पानवेलींच्या
पत्री - हरयाळेंच्या
तोण्यां - बालांच्या

फांतर - कंवच्यांच्या
बावल्यां - खामसुत्र्यांच्या
अंबाबाई - म्हारम्मेच्या
गणसाबैल - मठकारांच्या
गोपणी - फटाशांच्या
रोयशां - खोर्नांच्या
म्हातनां - समराधनांच्या
पारां - पुरसावांच्या
गोडां - कातल्यांच्या
कसाया - किरायत्यांच्या
कारांद्यां - कणगांच्या
चिरक्यां - माडयांच्या
शेंदऱ्यां - मांदऱ्यांच्या
गोजड्यां - पोळेरांच्या
बोतरां - चितरांच्या
उमाशां - पुनवेंच्या
मेल्ल्यां - गेल्ल्यांच्या
काकोळी - नेवेद्यांच्या
श्राध्द - बाराव्यांच्या
पिंडा - अमान्यांच्या
शिदांव - खंडांच्या
शिद्या - मुठयांच्या
गिऱ्यां - गिराणांच्या
गायरी - गोठ्यांच्या
पाग्यां - दावण्यांच्या
रोयणी - घोलींच्या
किट्ट्यां - चामाळ्यांच्या
उंयां - लिकांच्या
रोंवत्यां - कुकुडशांच्या
केंसां - कुर्लांच्या
खरडा - शेंड्यांच्या

पाटयां - पुस्तकांच्या
काणयां - कंथांच्या
पिश्यां - अरवळांच्या
मोडां - पावसांच्या
वादळां - वाऱ्यांच्या
पावळयां - घोग्यांच्या
भोंवऱ्यां - वावतरांच्या
नकलाम्यां - दाखल्यांच्या
नाल्लां - बोड्यांच्या
उदक - पाणयांच्या
आबोल्यां - शेंवत्यांच्या
जायां - जुयांच्या
वोंवळां - सुरगांच्या
रोजां - बुतावांच्या
मोगऱ्यां - हात्यांच्या
कुन्नां - कुसडांच्या
पाती - केंसरांच्या
लग्नां - कारणांच्या
व्हंकलां - न्हवऱ्यांच्या
बासंगां - शेल्यांच्या
सटयां - बारशांच्या
आज्यां - आज्ज्यांच्या
म्हाताऱ्यां - कोताऱ्यांच्या
गाडयां - घोड्यांच्या
वैजां - वैजिणींच्या
आवो - आबांच्या
मावळयां - मावळणींच्या
मामा - माम्यांच्या
मांयां - सुनांच्या
भावां - भयणुल्यांच्या
जाणट्यां - नेणट्यांच्या

बाळा - बाळशांच्या
तरण्यां - धाकुट्यांच्या
गाळ्यां - विस्तींच्या
बऱ्या - वायटांच्या
दायज्यां - दुस्मानांच्या
आणा - भाकांच्या
आपल्या - परक्यांच्या
सोयऱ्यां - धायऱ्यांच्या
येत्या - वत्यांच्या
कोणा काळाच्या - कोणा वेळाच्या
एके रातींच्या - एके वातींच्या
....
....
....
सर्वय गूण-दोशांच्या
सर्वय जीव-जितापतींच्या
सर्वय वनस्पत-वस्तींच्या
सर्वय जन-लोकांच्या
सर्वय - सर्वयांच्या...
म्हज्या 'आमोणें' गांवाक!

- जयंती

प्रकाशकाचे वतीन

कोंकणी साहित्य भांडारांतलीं खंयचीं खंयचीं दालनां रितीं आसात वा सारकीं भरिल्लीं नात, हाची हालींसराक उस्तवारी सुरू जाल्या. ह्या वर्साचे सुरवेक फेब्रुवारींत (2015) कोझीकोड-केरळ हांगा संपन्न जाल्ल्या 22 व्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनांत ह्या विशयाचेर खासा परिसंवाद आयोजीत केल्लो. कथा, कविता, नाटक सारक्या ललीत साहित्य प्रकाराच्या दालनांत भरपूर साहित्य भरिल्लें आसा पूण भासशास्त्र, तत्वज्ञान, कोश, संशोधन सारक्या ललीतेतर साहित्य प्रकाराच्या दालनांत आजुनय समाधानकारक प्रमाणांत साहित्य जमिल्लें ना, असो सूर ह्या परिसंवादांतल्यान आयकूंक आयलो. आमच्या मतान, ललीत साहित्याचें दालनय आजून वैविधतेन भरिल्लें ना. ताची कांय आंगां आजुनय योग्य तरेन विकसीत जाल्लीं नात, पैकीं एक आंग म्हणल्यार 'व्यक्तीचित्रां'. कोंकणींत आज फकत हातांच्या बोटांचेर मेजपा इतकींच व्यक्तीचित्रांचीं पुस्तकां उजवाडाक आयिल्लीं आसात.

डॉ. जयंती नायक हांचें 'म्हजी माती, म्हजीं मनशां' हें पुस्तक म्हणल्यार व्यक्तीचित्रांचें संकलन, तें उजवाडाक हाडटना, कोंकणी साहित्य भांडारांत एक म्हत्वाची भर घालतल्याची खोस भोगता. 'कथा' आनी 'व्यक्तीचित्रां' हे प्रकार वयर वयर पळोवपाक एकूच कशे दिसले तरी दोगांयमदीं रचनात्मक फरक आसा. कथेंत 'कथाबीज' म्हत्वाचें आसता तर व्यक्तीचित्रांत पात्राचे 'गूण'. कथेंत, कथाबीज जशें फुलता, तशी तशी कथा आकाराक येता, तर व्यक्तीचित्रांत पात्राच्या (मुखेल) विशीश्ट गुणांचेर जसो जसो उजवाड घालप जाता, तशें तशें तें पात्र आकाराक येत रावता. व्यक्तीचित्रां हीं केन्ना वास्तव आसतात, तर बरेचदां ती वास्तव आनी कल्पीत हांच्या सुमेळांतल्यान निर्माण जाल्लीं आसतात. पुरायेन कल्पीत व्यक्तीचित्र मात नासता, कारण एकाद्र्या मुखार बरयतना 'अमूक'च व्यक्ती नासली तरी समाजांत वावुरतना वेव्हारांत आयिल्ल्या व्यक्तींचे विशीश्ट

गूण लेखकाच्या मनांत मांडी मोडून बशिल्ले आसतात, जे ताका तें व्यक्तीचित्र बरोवपाक प्रवृत्त करतात. पळोवंक गेल्यार ताणें बरयिल्लें व्यक्तीचित्र हें त्या विशिश्ट व्यक्तीचें 'क्लोनींग' आसता.

ह्या पुस्तकांतलीं व्यक्तीचित्रां हीं वास्तव आनी कल्पीत, अशा दोन भेसांतलीं. भुरगेपणासाकून संपर्कांत आयिल्ल्यो गांवच्यो वा गांवाकडेन संबंदीत वेव्हारांतल्यो कांय व्यक्ती तांच्या विशिश्ट आनी विक्षिप्त सभावाक लागून डॉ. जयंती नायक हांच्या स्मरणांत उरिल्ल्यो, ज्यो तांणी लेखणेच्या माध्यमांतल्यान ह्या पुस्तक रूपान परत जिवंत केल्यात. कांय व्यक्तीरेखा तांच्या खऱ्या नांवांसयत हांगा अवतरल्यांत, तर कांय व्यक्तीरेखांनी कल्पीत नांवां आनी वातावरण धारण केलां. कोणाच्यो व्यक्तीगत भावना दुखावच्यो न्ही, हें कल्पीत नांवां आनी वातावरण दिवपा फाटलो उद्‌देश आसा, अशें त्यो स्पश्ट करतात.

खंयचीय साहित्यकृती उत्कृश्ट जातली जाल्यार ती रचप्याची संवेदनशीलता म्हत्वाची. ह्या पुस्तकांत डॉ. जयंती हांचे तीव्र संवेदनशिलतेचो प्रत्यय पाना-पानार दिसता. अतिशय सुक्ष्म रितीन आपल्या व्यक्तीरेखांचे सभाव तांणी चित्रायल्यात. तांच्या काळजाचो थाव घेतला, तांचीं सूख-दुख्खां जाणून घेतल्यांत आनी जिवंतपणान तीं मांडल्यांत. तांच्यो व्यक्तीय आगळ्यो-वेगळ्यो. दुख्खाच्या कडान भाजिल्ल्यो, स्वता अनाथ, बापड्यो, तरी दुसऱ्याक आदार दिवपी, मायेस्त! वेळार एकामेकांचीं केश्टां वोडपी पूण प्रसंगार धांवन वचपी, निश्चेवी, निडर, स्वावलंबी.

स्वताचो जल्मगांव, त्या गांवचो लोक, समाज आनी संस्कृती हे विशींच्या प्रेम आनी अभिमानांतल्यान डॉ. जयंती हांचें हें लेखन जल्माक आयलां. तीस-चाळीस वर्सां आदलें, तिच्या आमोणें गांवचें समाजजिवन, चाली-रिती, राहणीमान, लग्न-संबंद, वेवसाय-धंदे, साटे-लोटे, मानवी वेव्हार... ह्या सगळ्यांचें एके तरेन दस्तऐवजी करण ह्या पुस्तकांत जाल्लें आसा. लेखिकेच्या प्रतिभेवांगडा

प्रज्ञेचोय हांगा दिश्टावो घडटा, आनी साहित्याच्या निखळ आनंदा वांगडाच गोंयच्या समाजशास्त्रीय अभ्यासार्चीय मापां ह्या पुस्तकावरवीं हाताक लागतात.

सुनापरान्त दिसाळ्यांतल्यान 'म्हजी माती, म्हजीं मनशां' ह्या सदरांतल्यान उजवाडाक आयिल्ल्या साहित्याक, जसो वाचकां कडल्यान बरो प्रतिसाद मेळ्ळो, तेच भशेन आतां ताच्या ह्या पुस्तक रुपाकय वाचकांकडल्यान उदंड प्रतिसाद मेळटलो, समिक्षकय ह्या पुस्तकाची मुजरत दखल घेतले अशी अपेक्षा आसा.

पुस्तक प्रकाशीत करपाची संद दिल्लेखातीर डॉ. जयंती नायक हांचे आभार तशेंच पुस्तकाचे निर्मणेंत सहकार्य दिल्ल्या सगळ्यांक दिनवास!

– **प्रकाशक**

मातयेंतलीं मनशां

कथा आनी व्यक्तीचित्रां ह्या दोन प्रकारां मदीं फरक कितें असो एक प्रस्न उप्रासता. कथे भशेनूच व्यक्तीचित्रां आसता अशें कोणाकूय वयले वयर पळयल्यार दिसूं येता. एके नदरेन पळोवंक गेल्यार तांकां दोगांकूय एकामेकाचें रूप मारता आनी तीं दिसपाक सख्खीं भावंडां कशीं दिसतात. कांय समिक्षक व्यक्तीचित्रणाचे individual आनी type अशे वांटे घालतात. तांच्या मता प्रमाण शेक्सपियराची हॅम्लेट ही व्यक्तीरेखा individual ह्या प्रकारांत मोडटा तर बॅन जॉनसन हाणें उब्यो केल्ल्यो व्यक्तीरेखा type आसात. हाकाच लागून 'नाताशा', 'आना कारानिना' ह्यो टॉल्स्टॉय, 'मादाम बोवारी' ही फ्लोबेराची, शरच्चंद्राचो 'श्रीकांत' आनी टागोरालो 'गोरा' हीं स्वतंत्र व्यक्तीमत्वां लोकांच्या मनांत वर्सां संखिनी उरल्यांत. रामायण आनी महाभारत ह्या दोन म्हाकाव्यांतल्यो म्हत्वाच्यो व्यक्तीरेखा ह्यो individual ह्या प्रकारांत मोडटात. सगळ्याच मनशांच्या जिवितांत तांकां उंचायेर व्हरून बसोवपी घडणुको जायनात. त्यो type जावन उरतात. सामान्य म्हूण त्यो जियेतात. तरी आसतना ह्या मनशांच्या जिवितांत बऱ्यो वायट घडणुको जातात. त्यो तांचें जिवीत आरतें परतें करून उडयतात. मनशाचें जिवीत केन्ना एके सरळ रेशेंत वचना हें व्हडलें सत आसा. ही साहित्य समिक्षेचे कसवटेवेली चर्चा फुडें व्हरीनासतना 'म्हजी माती म्हजीं मनशां' ह्या व्यक्तीचित्रांच्या संग्रहाचो विचार करूंया.

भारतीय साहित्यांत व्यक्तीचित्रणां खुबश्या लेखकांनी केल्लीं आसात. हिंदींत महादेवी वर्मा आनी मराठींत पु. ल. देशपांडे हीं नांवां ह्या संदर्भात आठवतात. कोंकणींत लक्ष्मणराव सरदेसाय आनी आचार्य रामचंद्र शंकर नायक हांचें 'जाफरभाय' हें व्यक्तीचित्र आनी उदय भेंब्रे हांचें कथेच्या लागीं येवपी

'गोठूल'. लक्ष्मणरावान मोट्या फिशालकायेन व्यक्तीचित्रां रंगयल्यांत ताका तुळा ना. हीं व्यक्तीचित्रां वेगवेगळ्या वाठारांतलीं तशींच वेगवेगळ्यो वृत्ती आनी प्रवृत्ती दाखोवपी. 'फटो आनी रामगो' सोडल्यार सरदेसाय तांकां नांवां दिना. तातूंत देंमादिश्ट, पदेर, रेंदेर आसा. पूण त्यो एक व्यक्ती न्हय हें वाचतकच लक्षांत येता. दत्ताराम सुखटणकारान चितारिल्लीं व्यक्तीचित्रांय लक्ष्मणरावाल्या जातकुळयेंत मोडपी अशींच आसात. हे फांटभुंयेर डॉ. जयंती नायक हांचीं व्यक्तीचित्रां खूब वेगळीं अशेंच म्हणचें पडटलें.

जयंतीबायचीं हीं व्यक्तीचित्रां तांचे कल्पनेंतल्यान आकाराक येवंक ना तर तीं प्रत्यक्ष तांणी पळयल्लीं आनी अणभविल्लीं. ह्या अणभवांतल्यान तीं उबीं रावतात. एका काळार गांवांकणकणी अश्यो व्यक्ती चलता भोंवतना नदरेक पडटाल्यो. शारांतूय त्यो दिसताल्यो. हीं व्यक्तीचित्रां वाचतना म्हाकाय बोरये गांवांतल्यो अश्यो व्यक्ती दोळ्यांमुखार आयल्यो. (सुमन सरदेसाय हांणी तांकां शब्दरूप दिवपाचो यत्न केला ताची म्हाका याद जाता) लेखिका आपल्या चित्रणाखातीर तांकां कित्याक वेंचून काडटा हाचो सोद घेवपाक जाय. तांचे भितर कितेंय तरी वेगळेंपण आसले बगर लेखिकेचें तांचेकडेन लक्ष वचूंक ना. हीं व्यक्तीचित्रां वाचतना ताचो अणभव येता.

जयंतीबायन रंगयल्लीं हीं चित्रां वेगळ्या रंगांचीं आसात. पूण तांकां जोडपी एक धागो म्हळ्यार तीं सगळीं समाजाच्या सकयल्या थरावेलीं. सगळीं अशिक्षीत. 'सुकुरउंडेकार बाप्पा' आसूं वा 'कृष्णा ठाकर' वा 'यमनें आका' ना जाल्यार 'जेबेल' हांचे मदीं एक समानताय आसा.

सुकुरउंडे करून विकपी बाप्पा हो थोडो साडेभावार्थी. ताचें वर्णन लेखिका अशें करताः 'बाप्पाचें वय जाल्लेंच, पूण तो जल्मजात हेंगळो आशिल्लो, तातूंत भर म्हूण ताका उतर गाड वतालें. म्हाका याद आसा, आमचे शाळेंतले तीन चार आलमपेड्ड्यार भुरगे मदले सुटयेंत बाप्पा सुकुरउंडे तळूंक बसलो म्हणचे हळूच दाराचें कवड उगडून ताचे रांदचे कुडींत वताले आनी ताच्या खोटल्यांत तळून

दवरिल्ल्या सुकुरउंड्याक बचकां मारून धांवताले. मागीर बाप्पाचें तांचे फाटल्यान झारो घेवन धांवप आनी ताची जाल्ली अवतीकाय पळोवन भुरग्यांक मजा दिसप.' हें व्यक्तीचित्र वाचतना बाप्पाची काकळूट दिसता आनी ताचीं फकणां करून ताका विनाकारण त्रास दिवपी त्या आडांगी भुरग्यांचो राग येता.

वेगवेगळ्या कारणांक लागून मनशां जिवीतांत फटोवतात. खूब फावट परिस्थितीच तांकां गुलाम करता. कांय आमच्या समाजाच्या समज अपसमजांक लागून चिड्डतात. पूण 'लक्ष्मी' सारकिली एकाद्री बायल असली परिस्थिती आयली तरी मोडना. वांजुड्डी म्हूण समाजान उवेखणी केली आनी मागीर घोवान घरांत सवत हाडली तरी आपल्या वांट्याक आयिल्लें हें दूख गिळून नवे उमेदीन उबी रावता. हें सगळें सोंसपाची तांक तिका खंयच्यान येता हो प्रस्न वाचप्यांक पडूं येता.

'अनुसुया' सारकिली स्वाभिमान आशिल्ली बायल आमकां हांगां दिसता, काम घेतना अटी घालपी. 'म्हज्या कामांत कोणें लुडबुड केल्ली म्हाका चलपाचेर ना. म्हाका जेवण बरें जायें. सांजे पांच जातकीच हांव कामाचें थांबतलें.' असल्यो तिच्यो अटी आयकून कोणाकूय कसली ही मधांत बायल अशें दिसूं येता. पूण आमच्या समाजांत परिस्थितीचो फायदो घेवन दुसऱ्याक पिळून काडपी वृत्ती आसा. अनुसुया तांचे मुखार बागवना. उरफाटें आपले परिस्थितीचो फायदो घेवपाक ती कोणाकूच दिना हें लक्षांत घेवंक जाय. तिचें कौतूक दिसता.

अनू गेल्या उपरांत लेखिकेक दिसता की सगळें दुख्ख, छळ, अत्याचार, अपमान आनी स्वताचे नखरे हाचे पलतडीन ती वचून बसल्या. मनीस ह्या संवसारांतल्यान वतकच ताचे बराबर सगळे गूण दोश वतात आनी फाटल्यान उरतात त्यो ताच्यो फकत यादी.

'पाला' सारकिलें व्यक्तीमत्व अशेंच लक्ष वेधून घेवपी. आंगांतले बरे गूण एका अवगुणाक लागून धुवन वता हाचो अणभव हें व्यक्तिचित्र वाचतना येता. 'सायेर तितीवाची' काणी आनी एक भशेनची. होय परिस्थितीचो गुलाम.

आमच्या गैरसमजांतल्यान बाटवल्लो. मिनेझीस भाटकान्नीन ताचें नशीब घडयलें खरें तरी तो आपलीं पाळांमुळां विसरना हें म्हाका म्हत्वाचें दिसता. तो आपले चलयेचें लग्न 'कोंकण्यागेर' करून आपल्या मुळाकडेन वचपाचो यत्न करता. मानसशास्त्र आनी समाजशास्त्र हांचो एक सुंदर सुमेळ हांगा जाल्लो पळोवंक मेळटा.

लेखिकेक ह्या व्यक्तींविशीं कळवळो आसा. तांच्या सुखादुखांनी तिचें काळीज दर्वेता. अशें जरी आसलें तरी तांकां चितारतना मात ती तांचे पासून पयस रावता. आनी ह्या अंतराक लागून तीं वस्तुनिश्ट जावंक पावल्यांत. कलाकृतींत हें अंतर म्हत्वाचें आसता. हे बरपावळीचें तें व्हड यश अशें म्हणूंक जाय.

माधव बोरकार

ग्रीन पीस को. हाऊ. सोसायटी
नागाळी, ताळगांव गोंय
403002

प्रास्तावीकः

कंथा म्हज्या मातयेंतल्या मनशांची...

खुबदां लोककाणयांनी एकाद्रया राजाचो, राणयेचो, राजकुंवराचो, राजकुंवरीचो, सावकारपुत्राचो, सावकार कन्येचो आनी केन्ना केन्नाय एखाद्रया राकेस आनी जादुगाराचोय आत्मो एखाद्रें शेवणें, जनावर, सोरोप, झाड, मुदी, हार... सारक्या सजीव वा निर्जीव वस्तींत आशिल्ल्याचें वर्णन मेळटा. ह्या निर्जीव वा सजीव वस्तींक दुखापत जाल्यार तांकां दुखता वा त्यो वस्ती ना नपश्चात जाल्यार (मोडल्यार, मेल्यार) तांकांय मरण येता.

म्हजीय स्थिती सादारणपणान अशीच जाल्ली आसा. पूण म्हजो आत्मो एकाद्रया फळांत, सुकण्यांत, सावदांत वा अळंकारांत दडिल्लो ना तर तो आसा म्हज्या गांवांत, आमोण्यांत. ह्या गांवची कीड-मूंय... पान-फूल... माती-धूल्ल... आनी मनशान-मनीस म्हाका जगपाची प्रेरणा दिता. देखून हांव दर दिसा सकाळ-सांजवेळ पन्नास-पन्नास किलोमिटरांचो केप्यां-पणजी आनी पणजी-केप्यां असो यो-वच प्रवास करतां!

म्हज्या गांवाक सैमाचें वरदान आसा. दोंगर-न्हंय, वझरे-व्हाळ, झाडां-पेडां, सुकणीं-सावदां... ह्या प्राकृतिक सादर्यान आनी देण्यान हो गांव भरिल्लो आसा. म्हज्या भुरगेपणांत तर तो अदीकच समृध्द आशिल्लो. प्राकृतिक गिरेस्तकाये वांगडा सांस्कृतिक आनी सामाजिक गिरेस्तकायेनय गांव संपन्न आशिल्लो. त्या वेळार ताचें म्हत्व व्हडलेशें समजनाशिल्लें, पूण म्हजो गांव वेगळो. म्हज्या गांवांत चारां-चुन्नां, जगमां-भिरंडां... धालो-शिगमो... मनशांची यो-वच अशें खूब कितें कितें आसा, जें म्हज्या मामाच्या-मावश्यांच्या गांवांत ना, इतकें निश्चीत म्हाका समजतालें.

कंथा = कथा

इल्लें इल्लें वय वाडटा तशें इल्लें इल्लें म्हाका समजत वचूंक लागलें... गांवच्या सांस्कृतिक-प्राकृतिक संपन्नेची जाणीव जायत वचूंक लागली... कॉलेज सोपून लोकवेद अभ्यास क्षेत्रांत पावतकच तर 'प्रकृती-संस्कृती-मानवता' ह्या तीन दृश्टींतल्यान 'म्हजो गांव, समृध्द गांव' ही धारणा तीव्र जाली आनी ह्या गांवांत जल्म घेतिल्ल्याचो म्हाका अभिमान दिसूंक लागलो. गांव आनी गांवचे लोक हांचेविशीं उपाट प्रेम मनांत किल्ललें. तशें भुरगेपणासावन गांवच्या लोकांविशीं मनांत आदर-आपलेपण आशिल्लेंच, आनी तांचे फाटलें खास कारण म्हणजे, म्हजो आईचो गांवांकडलो सौहार्दपूर्ण वेव्हार आनी म्हजें जल्मजात संवेदनशील मन, जें म्हैसूर विद्यापिठांतल्यान लोकवेदाचो कोर्स करून येतकच, गांवच्यांनी केल्ल्या व्होडविकेन आनी दिल्ल्या सहकार्यान सामकें भारावन गेल्लें. फुडें लेखनाक लागून मेळिल्ल्या पुरस्कार-भोवमान प्रसंगार गांवच्यांनी वेळ-वेळार केल्लें कवतूक पळोवन तें अदीकच सद्‌गतीत जालें आनी सांसणाचें गांवाकडेन बांदून उरलें.

गांवच्या निखळ सैमाबशेन, म्हजे गांवचे लोकय निर्मळ, उक्त्या मनाचे. कश्टी, परिस्थितीच्या फेऱ्यांत घुस्पल्ले. राग-लोभ, मोग-तिडक... अशा मनीस सभावाच्या सगळ्या भाव-भावनांक पोटलून आशिल्ले, तरी कपटी आनी छक्केपंजी मात न्ही. जें दिसता तें स्पश्ट उलोवपी, दुस्मानाच्याय प्रसंगाक धांवन वचपी, ठेवणींतल्यो गाळी घालून पोटांतलो तिडकीचो वोग वोंकून वडोवपी आनी मागीर व्हांवत्या वझऱ्याबशेन खळखळून हांसपी... वेळे हाडून वेळे खालें तरी सण-परबो उमेदीन मनोवपी... धालां-शिगम्या मांडार मनांतलें किल्मीश विसरून खांदार हात घालून नाचपी, घरचेंच कार्य जाल्ल्या सारकें गांवच्या लग्न-कारणांनी वावुरपी... आनी सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हणजे ताठ मानेन जगपी. 'आमी आमोणकार, आमी कोणाकडल्यान शी म्हुणून घेवपी न्ही!' अशें हड्डें फुडें काडून सांगपी.

म्हजे जिणेच्या अर्द शतकाच्या प्रवासांत, कितकीं तरी जाणटीं-वडील मनशां म्हाका गांवांत मेळ्ळीं (थोडीं गांवाभायरय) जीं आज संवसारांत नात,

पूण तांच्या मायेस्त, मोवाळ सभावाक लागून आनी केन्ना तांच्या विक्षिप्तपणाक लागूनय म्हज्या स्मृतीपटलाचेर तीं जिवी आसात. जेन्ना केन्ना हांव एकांतांत बसता... खास करून घरांत कोण नासता, तेन्ना तिनिसांजेच्या वेळार आंगणांत तुळशीपेडयेर पेट्टली निरांजनाची मंद मंद वात तेळत हांव पडवेर धोलत्या कदेलांत बसता, तेन्ना तीं तीस-चाळीस वर्सांची... काळाची वाट एका खिणाक माड्डून, म्हज्या मुखार दुत्त करून येवन उबीं रावतात आनी म्हाका विचारतात, ‘‘बाये, बरयता म्हुगो तूं आमची काणी? सांगता म्हुगो तूं आमची कंथा फुडले पिळगेक? तूं आतां सांगना जाल्यार मागीर कोण सांगतलो ती! तुजेशिवाय कोण जाणा बरें सांगूंक आमचें जीवन... आमी भोगलेले भोगणार!

एका दिसा, ध्यान-समाधींतल्यान भायर येतकच तांची काणी बरोवपाचो हांवें निश्चेव केलो. सगळ्यांत पयलीं ‘लक्ष्मी’, ‘आका’, ‘अनुसूया’ आनी ‘भागरती’ ह्या चार बायलांच्यो काणयो बरयल्यो. त्यो प्रसिध्द करनासतना तश्योच आशिल्ल्यो. कांय तेंपान दै. लोकमताच्या ‘सखी’ हे पुरवणेक त्यो धाडपाचो योग आयलो. तेन्ना त्यो मराठींत अणकार करून धाडल्यो. केपें-सांगें वाठारांतल्यान ह्या सदराक उस्फूर्त प्रतिसाद मेळ्ळो. कांय जाणांनी मुद्दाम फोनय केले. ‘काळीज हालोवपी कथा’ अशे उद्गारूय काडले. ह्याच सदरांतल्यान आनीकय बायलांच्यो जीवनी हांव प्रसिध्द करपाचें आशिल्लें, पूण कांय तंत्रीक कारणाक लागून हांवें तें सदर फुडें चलयलें ना.

ह्याच वेळार सुनापरान्ताचे संपादक भौ. बाबली नायक हांणी सुनापरान्ताखातीर एक सदर सुरू कर अशें सुचयलें. हांवें लोकवेदाचेर बरोवचें अशी तांची सुचोवणी आशिल्ली, पूण म्हज्या मनाक पणजेन भुरगेपणांत सांगिल्ल्या काणयेंतल्या भुतां सारकीं हीं मनशां ‘आगा, मात्सो फाटीं बघ’ म्हण, आपल्याक फाटीं वळून पळोवचे खातीर बुरखे काडटालीं. तांकां पळयले बगर म्हाका गत्यंतर नाशिल्लें. तेखातर हांवें बाबलीबाबाक लोकवेदा बदला व्यक्तीचित्रां बरयतां अशें सांगलें आनी तांणी तें मानून घेतलें. 20 मे 2012 ते 17 ऑगस्ट 2014 ह्या सुमार सव्वा दोन वर्सांच्या काळांत वट्ट तेवीस व्यक्तीचित्रां हांवें

बरयलीं. आनीकय व्यक्ती आशिल्ल्यो पूण उपरांत तशेच तरेचें हेरांचेंय लिखाण, सुनापरान्ताचे तेच पुरवणेंतल्यान उजवाडाक येता तें पळोवन म्हज्या सदराची नवलाय उणी जाता देखून हांवें म्हजें सदर बंद केलें.

सुनापरान्तांतल्यान 'म्हजी माती, म्हजीं मनशां' हें सदर उजवाडाक येतकच्चय वाचकां कडल्यान उस्फुर्त प्रतिक्रिया येवंक लागल्यो. भौ. रमेश होडारकार तर मुद्दाम पुणेच्यान दर व्यक्तीचित्र वाचल्या उपरांत फोन करून आपल्यो प्रतिक्रिया दिताले. 'सामकीं जिवंत कशीं तुजीं मनशां दोळ्यांमुखार उबीं रावतात' अशी तांची सर्वसामान्यपणान प्रतिक्रिया आसताली. डॉ. प्रकाश वझरीकार हांणी तर 'हीं व्यक्तीचित्रां म्हणल्यार गोंयच्या सामाजिक-इतिहासाची म्हत्वपुर्ण साधन-सामुग्री' असो अभिप्राय दिलो. श्री. माधव बोरकार, अॅड्. सुहास दलाल, श्री. देविदास नायक (केपें), श्रीमती सुमेधा कामत... नांवां खूब आसात. सगळ्यांनी म्हाका बरोवपाक उर्बा दिली म्हणचेपरसय, म्हज्या मातयेंतल्या लोकांचें कवतूक केलें अशेंच म्हणप योग्य जातलें.

केपें वाठारांतलेय जायते वाचक हें सदर उत्स्कुतेन वाचताले. 'आज कोण?' वा 'हो कोण?' हाची तांकां उमळशीक आसताली. वळखुवपी वळखताले, न वळखुवपी फोन करून "आज बरयला तो कोण गो?" म्हण म्हाका खोदून खोदून विचारताले. मागीर हांव हांसत, "तूंच पारखीय रे कोण तो?" वा "तूंच सोद म्हुगो कोण तो?" अशें म्हणत म्हणत तांचो प्रश्न, तांचेरूच परतितालें.

एक याद मुजरत नोंद करूंक जाय. म्हजें सदर पंद्रशीन आयताराचें येतालें. एका दिसा सदर उजवाडाक आयिल्लें, म्हज्या यादीप्रमाण 'तुळशी' प्रसिध्द जाल्लें ताच्या दुसऱ्या दिसा, सुमार रातच्या आठांक पणजेच्यान येवन हांव घरा वचूंक स्कुटर स्टार्ट करतालें, इतक्यांत मोबायल वाजलो. नंबर अनवळखी आशिल्लो तरी तो हांवें घेतलो. एके बायलेचो आवाज कानार पडलो. हांवें हॅलो म्हणटाच तिणें म्हणलें, "जयंती हांव वासंती, पाडांतलें! याद जाता. आतां लग्न जावन रिवणां पावलां." हांव थोडें गोंदळ्ळें. आं हूं करूंक लागलें. सट्ट करून

वळख तकलेंत येना जाली. मागीर ताणेंच सांगलें, ‘‘हांव तुजे बरोबर पांचवेक आसतना शिकतालें पळय तें. तुमच्या गांवच्या XXX च्या सोयऱ्यांचें.’’ ताणें तशें सांगतांच हांवें तकलेक ताण दिलो. मागीर ताची वळख पटली. औपचारीक खबर घेवप जाली. पूण इतक्या वर्सांनी ताचो फोन करपाचो उद्‌देश कितें आसतलो, हें येवजून थोड्या गोंदळांत पडलें. मुखार ताणेंच सांगलें, ‘एक विचारपाचें आसा म्हण फोन केल्लो. म्हजो चलो दर आयताराक सुनापरान्त हाडटा. तो हांवूय वाचतां. तूं ताचेर जें बरयतां तें खरें गो? म्हाका वाचून कोणा कोणाची याद जाता!’

ताका चड फिलोसोफीकल पध्दतीची जाप दिवप म्हाका योग्य दिसलें ना, तरी हांवें म्हणलें, ‘‘अर्दें खरें, अर्दें फट गो!’’

वासंतीच्या प्रश्नांतल्यान म्हाका म्हज्या सदराचें यश होलमल्लें. अर्द वास्तव आनी अर्द कल्पीत अशा स्वरूपांतल्यान म्हजीं व्यक्तीचित्रां जल्माक आयिल्लीं. ज्या व्यक्तींक मुखार दवरून तीं रंगयिल्ली तातुंतल्यो जवळ जवळ सगळ्योच व्यक्ती आज जिवीत नात, पूण कांय व्यक्तींच्या जिवितांतल्या आगळ्या घडणुकांचेर वा विक्षिप्त सभावाचेर उजवाड घाल्ल्यान तांच्या नाते-संबंदीतांच्यो घडये भावना दुखवूं शकतात, हे जाणिवेन तांकां कल्पीत नांवां, शिवाय थोडें कल्पीत वातावरण तयार केल्लें हांवें. मात दर एका व्यक्तीचित्राविशीं मनांत उपाट आदर आनी परिस्थितीनुरूप तीं तशीं वागल्यांत हाचें पुर्ण भान तीं बरयतना हांवें दवरिल्लें.

व्यक्तीचित्रांचें हें पुस्तक म्हज्या स्मृतींतल्या म्हाका अस्वस्थ करपी सगळ्याच मनशांक चित्रीत करूंक पावलेंना, हें हांवें स्पश्ट केलांच. पूण स्मृतीपटलाचेर जिवीत उरिल्ल्यो त्यो व्यक्ती फुडें-फाटीं योग्य वेळार चित्रावपाचो म्हजो यत्न आसतलो.

हें पुस्तक तयार करतना भौ. बाबली नायक हांचो खूब आदार जालो. कंपोज केल्लो डेटा आलायतो मेळिल्ल्यान टायपसेटींगचें काम सोपें जालें. हें सदर बरयतना श्रीमती गीता महाजन, श्रीमती नयना आडारकार, श्री. जवाहर

बर्वे आनी श्री. दामोदर नायक ह्या सुनापरान्ताच्या वावुरपी हातांनी खूब बरें सहकार्य दिलें. तांचे सगळ्यांचे मनापासून आभार.

ह्या पुस्तकाक नामनेचे साहित्यीक भौ. माधव बोरकार हांणी वेळांत वेळ काडून प्रस्तावना बरयली. व्यक्तीचित्रां बरोवप हो म्हजेखातीर नवो प्रयोग. तांचे प्रस्तावनेवरवीं म्हज्या लिखाणाचें मेज–माप जावंक पावलें. तांचे मनापसून आभार.

मुखचित्र काडपी चित्रकार श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार, रेखाचित्रां रेखाटपी श्री. गिरीश बोरकार हांचेय खाशेलेपणान आभार.

शेवटाक,

“मातयेंतलीं मनशां म्हजीं
मातयेंतच म्हाका मेळ्ळीं
सांगतकच आपली काणी
मातयेंतच तीं गुप्त जालीं!”

त्या गुप्त जाल्ल्या सगळ्या मनशांक म्हजें साश्टांग नमन!

जयंती नायक

मांडावळ

✦	प्रकाशकाचे वतीन	13
✦	मातयेंतलीं मनशां	16
✦	कथा म्हज्या मातयेंतल्या मनशांची...	20
1.	कृष्णा ठाकर	27
2.	सुकुरडंडेकार बाप्पा	32
3.	लक्ष्मी	36
4.	आका	42
5.	अनुसूया	47
6.	जुजे कायतान	53
7.	यमनें आज्जी	60
8.	पाल	65
9.	यमनें मावशी	73
10.	मर्तेआका	80
11.	तुळशी	88
12.	सायेर तितीव	95
13.	जेबेल	103
14.	भागरती	108
15.	भिमाआका	116
16.	फुलकार बाप्पा	122
17.	बायो	135
18.	पांडू बाप्पा	142
19.	कोंडोयोकान्न मांय	148
20.	मंजूळ मावशी	158
21.	प्रेमावती	167
22.	कास्टे कुस्ट	174
23.	दत्तू वळार	181

1.

कृष्णा ठाकर



म्हज्या भुरगेपणांत दसरो जावन पीक जाली म्हणटकच कृष्णा ठाकर गांवांत येतालो. केन्ना दिवाळेचे आदीं तर केन्ना दिवाळी जावन ताची गांवांत 'वारी' आसताली. घरांत आजो पिकेचें भात सुकोवन साकांनी भरून दवरतना 'गणसाबैलाक' म्हणून थोडें भात कोठयेकुडींत वण्टीक,

राशीक घालून दवरतालो. ताचें येवप चडशें सकाळींच धा-इकरा वरांचेर आसतालें. पुराय गांव तो भोंवता म्हणल्यार सूर्य भालांडटालो. केपें शेजारच्या शिरवय गांवच्या माथ्यार, त्यावेळार हेर लोकवस्ते कडल्यान पयस आशिल्ल्या 'बोमडामळ' ह्या ठाकरांच्या वाड्यार तो रावतालो. हे ठाकर मूळ सांवतवाडी-बांदे हांगाचे अशें आमकां आजो सांगतालो.

आमचे गांवचे शिमेर पावतकच तो बैलाक न्हेसयतालो आनी आपूणय न्हेसतालो. आंगावेल्या खोमसाचेर जाकीट, माथ्याक मुंडासो, कमराक केन्ना मोटवें कालसांव तर केन्ना पुडवें, गळ्यांत धोलकें, उजव्या खांदाक शेनाय, दाव्या खांदाक व्हडली झोळी असो भेस करून, फाटीर झूल, कपलाक टांक, शिंगांक तोंपरीं, पांयांक घुंगूर बी घालून सजयिल्ल्या बैलाक घेवन तो गांवांत भितर सरतालो. पयल्या घराच्या थोडो पयस आसतनाच तो शेनाय वाजोवंक लागतालो. ताचे शेनायचे सूर कानांत पडले तशे "गणसाबैल आयलो...! नंदीबैल आयलो...!" अश्यो आड्डी मारीत एकामेकांक आपयत सगळीं भुरगीं ताचे फाटल्यान धांवतालीं. हांवूय आमच्या घराच्या लागीं आशिल्ल्या एक-दोन घरांनी नंदीबैला फाटल्यान वतालें. ताचे फुडें वचूंक म्हाका आईची मान्यताय नासताली.

भुरगीं गणसाबैलाच्या फाटीक हात लावंक, ताच्या मस्तका वेली पिंजर काडून आपल्या कपलाक लावंक घिट्ट्यो घालतालीं. कांय आडांगी भुरगे तर ताच्या कुमास्तराक हात लायताले, शेंपडी ओडटाले. तसो बैल खुबळटालो. म्हज्याकय व्हडलो आनी फाटलो भाव ते वळेरेंत आसतालो. पूण कृष्णा ठाकर मात तांचेर केन्नाच तापनाशिल्लो वा तिडकनाशिल्लो. "बैलाक तिडोवं नाका रे पोरांनो, मगीर तो तुमकां खेळ करून ना दाखोवचो!" अशें तांकां म्होंवाळपणान समजायतालो.

कोणाक सांगल्यार आतां खरें दिसचेंना, पूण हांव भुरगेपणांत खूब थंड सभावाचें आशिल्लें. हेर भुरगीं बैलाक बेजार करतना हांव पणजे

(म्हजी आज्जी म्हजो बापूय ल्हान आसतनाच मेल्ली) फाटल्यान वा आई फाटल्यान रावन तीं गणसाबैलाची पुजा करता तें नियाळटालें. मागीर कृष्णा ठाकरच म्हाका म्हणटालो, ''बाय घे, देवाची पिंजर लाय कपलाक! विद्ये-शाळेंत येश मेळटलें तुका! आनी घे, हे तुमचे सुपलेंतलें भात खावय नंदीक, आशिर्वाद दितलो तो!''

मागीर हांव कृष्णा ठाकरा कडल्यान नंदीबैलाच्या कपलाची पिंजर लावन घेतालें आनी पणजेन हाडिल्ल्या भाताचे सुपलेंतलें भात गणसाबैलाक खावयतालें. ताचे जिबेचो खरखरीत, वोलो, हुळहुळीत स्पर्श म्हज्या हाताक जातकच म्हाका त्यावेळार कोण उमेद जाताली जाणा?

कृष्णा ठाकराचें आनी म्हजें नातें त्या वेळार इतकेंच. कितकीं तरी वर्सां ताणें सांगप आनी हांवें गणसाबैलाक आमगेर येतकच भात खावोवप चालू आशिल्लें. फुडें हांव कॉलेजींत पावलें, ताचो गांवांत येवपाचो वेळ आनी म्हजो कॉलेजींत आसपाचो वेळ एक जावंक लागलो. म्हाका आतां गणसाबैल दिसना जालो.

एक दीस हांवें आईक विचारलें, ''आई, कृष्णा ठाकर येता गे आजुनूय गणसाबैलाक घेवन?''

आईन सांगलें, ''येता तर! अंदू तर तो ताच्या धा-बारा वर्साच्या चेड्याक घेवन आयला बरोबर, ताका शिकोवपाक जाग म्हुणून! तुका विचारतालो तो, कितें करता काय म्हुणून.''

वर्सां सडसडीत धांवलीं, कॉलेज जावन नोकरेचो सोद घेतां घेतां हांव म्हैसूर युनिव्हर्सिटींत पावलें, लोकवेदाचो कोर्स करूंक. एक वर्स थंय रावन हांव गोंयांत परतलें तो वेगळो दिश्टावो घेवन. गणसाबैलकार, मठकार, गोंसाय, जल्मी, पागी, वैजीण, गाणेली... हे सगळे गोंयचे संस्कृतीचे एक एक खांबे आसात ही जाणीव जावन. ह्या खांब्यांची नीज वळख गोंयच्या शीश्ट समाजाक करून दिवपाची जबाबदारी हांवें मनांतल्या मनांत स्विकारिल्ली.

योगायोगान त्या वर्सा हांव घरांत आसतनाच कृष्णा ठाकर गणसाबैलाक घेवन आयलो. पयसुल्ल्यान ताच्या धोलक्याचो आवाज कानार पडटाच हांव दारांत उबें रावलें. तो येतकच ताका हांवें, ताचेकडेन आशिल्ल्या लोकधनाचें डोक्युमेंटेशन करपाचो म्हजो उद्देश सांगलो. तो जाम खूश जालो. आजवेर ताचे परंपरेक इतलें म्हत्व कोणें केन्ना दिलें नाशिल्लें. दुसरे दीस आपलो वेवस्थीत भेस करून येता, अशें उतर दिवन तो गेलो. म्हाकाय फोटोग्राफराची बी वेवस्था करूंक जाय आशिल्ली. (तेन्ना म्हजे कडेन कॅमेरा नाशिल्लो आनी आयचे सारको मोबायलय नाशिल्लो).

दुसऱ्या दिसा ताचे कडल्यान गणसाबैलाचो पारंपारीक खेळ करून घेवन हांवें फोटो काडले, ताच्या गायनाचें रिकॉर्डिंग केलें. 'कुळी' सारको पितराचे मुक्ती खातीर गावपाचो दीर्घगायन प्रकार हांवें ताचे कडल्यान गावन घेतलो. हरशीं कुळी गायतना, घरच्या मुखेल पुरुशाच्या नांवान, आवाहन करपाचें आसता, पूण कृष्णा ठाकर ते दिसा सामको फुलून गेल्लो. ताणें गायनांत म्हजें नांव गुंतलें. *"आयज वर्साच्या दिसानं, आठवण पडली नातीला, आपल्या आज्याच्या जिवासाठी सोडल्या पदराच्या गांठी!"* अशें ताणें म्हजें नांव गुंतून कडवें गायलें.

त्या दिसा दनपरां ताका हांवें जेवणाक दवरून घेतलो, वतना शंबर रुपयाची नोट ताचे झोळयेंत घाली. कृष्णा ठाकराक तो आपलो खूब व्हडलो भोवमान दिसलो. त्या दिसाच्यान तो अदींमदीं आमगेर भितर सरूंक लागलो, तिनसांजेचो केप्यां बाजारांत गेल्यार मुद्दम बापायच्या दुकानार वचून म्हजी खबर घेवंक लागलो. म्हाकाय बी तो आतां म्हजो कोणतरी लागो-बंधो दिसूंक लागिल्लो. म्हजी आई, पापा, भावय ताका आपलेपणान वागयतालीं. म्हजी आई गेली तेन्ना तर ताणें ह्या नात्याचें खरेंपण आमकां दाखोवन दिलें. तिच्या मरणाची खबर कळटकच सकाळीं सात वरांचेरच तो आमगेर येवन बशिल्लो.आईची कूड उबारपाक खूब वेळ जाल्लो, हैद्राबाद खेळपाक

गेल्लो म्हजो धाकटो भाव येवचो आशिल्लो. तिनसांज जायत आयिल्ली, पूण बसल्या जाग्या वयलो कृष्णा ठाकर हाल्लो नाशिल्लो. म्हज्या व्हडल्या भावाच्या तें लक्षांत आयलें, तेवूय अवस्थेंत ताणें वचून ताका सांगलें, ''आरे तूं वच आतां, मरणाक वेळ जातलो. तुवें उदक पसून घेतलें ना सकाळच्यान.''

ताणें म्हणलें, ''मायेक लाकूड घातले बगर ना वच्चों हांव!''

असो हो कृष्णा ठाकर! रगताच्या नात्यान कोण न्हय, तरी म्हज्या नात्यांतलो! ह्या संवसारांतल्यान वतना काळजाक व्हडलो चुरको लावन गेलो.

आई गेली त्या वर्सा तो गणसाबैल घेवन आयलो, पूण ताणें चड कांय खेळ केलो ना, फकत दोन ओळी म्हणल्यो आनी गेलो. त्या उपरांत दुसऱ्या वर्सा तो येवंकच पावलोना. म्हजी आई सप्टेंबराचे तीस तारखेक गेली आनी डिसेंबराच्या सोंपत्या सप्तकांत तो आनी ताच्या वाड्या वयले चडशे सगळे लोक पिकपींत बसून शिरवय जात्रेक गेल्ले कडेन फांतोडेर एका ट्रकान दिल्ल्या धपक्यांत गेले. तो आनी ताच्या वाड्या वयले, म्हण सुमार इकरा लोक आत्ताक सोंपिल्ले. तातूंत बायल, भुरगीं, तरणे, जाण्टे सगळ्या वयाचे लोक आशिल्ले. कृष्णाचो तर पुतूय गेलो म्हण कोणेंतरी सांगलें. ल्हान वाडी... ह्या अपघातांत पुराय उध्वस्त जाल्ली. तेन्नाच्यावन चंद्रवाडींत ना 'गणसाबैल' ना तांची 'कुळी'.

त्या वर्साच्यान पिकेचें वत पळयलें काय हांव अस्वस्थ जातां. मनांत एक खोटी आस उदेता. हातांतले दोरयेक गणसाबैलाक बांदूक घेवन कृष्णा ठाकर आंगणांत येतलो आनी म्हटलो, ''*नंदी आला रे म्हादेवाचा ... देवाचा बसवा... म्हादेवाचा नंदी...*''

□

2.

सुकुरउंडेकार बाप्पा

गांवांत ताका 'सुकुरउंडेकार बाप्पा' म्हण वळखताले. पूण ताचें नांव गोविंद. तो सुकुरउंडे करून केपेंच्या बाजारांत व्हरून विकतालो आनी आपलें पोट भरतालो. आमचे शाळे कुशीकच ताचें घर आशिल्लें. घराचो तसो आंवाठ मोटो आशिल्लो पूण ताचो सांबाळ सारको जाल्लो नाशिल्ल्यान तें

8335

मोडूंक पाविल्लें. त्या घरांत बाप्पा एकटोच रावतालो. सकाळीं उठून तो सुकुरउंडे करतालो मागीर दनपरां तांचो खोटलो माथ्यार घेवन केप्यां वतालो आनी ते विकून तिळसांज म्हणल्यार घरा परत येतालो.

बाप्पाचें वय जाल्लेंच, पूण तो जल्मजात हेंगळो आशिल्लो, तातूंत भर म्हण ताका उतर गाड वतालें. म्हाका याद आसा, आमचे शाळेंतले तीन-चार आलमपेड्ड्यार भुरगे, मदले सुटयेंत बाप्पा सुकुरउंडे तळूंक बशिल्लो आसतना हळूच दाराचें कवड उगडून ताचे रांदचे कुडींत वताले आनी ताच्या खोटल्यांत तळून दवरिल्ल्या सुकुरउंड्यांक बचकां मारून धांवताले. मागीर बाप्पा तेलाचो झारोच घेवन आड्डत तांचे फाटल्यान धांवतालो, पूण ताच्या तोंडांतल्यान उतरां सुटनाशिल्लीं. ते भुरगे सुकुरउंडे खाताले ते खाताले वेल्यान तो 'त् त् प प्' करता तें पळोवन ताच्यो भगलो उडोवन हांसताले. ते भुरगे बाप्पाक सतायतात तें पळोवन म्हाका खूब राग येतालो. हांव मागीर तांची मास्तरा कडेन कागाळ करतालें. सुरवेक मास्तरान एक-दोनदां त्या भुरग्यांक 'शिक्षाय' (ख्यास्तय) केली, उपरांत मास्तर तांचे कडेन कानदोळो करूंक लागलो. त्या भुरग्यांच्या फाटीक लागलो, तरी बाप्पा केन्ना केन्ना शाळे कडेन येवन भुरग्यांक सुकूरउंडेय दितालो, हेरांक दोन दिल्यार म्हाका एक सुबेजच दितालो. ताचें कारणय तशेंच आशिल्लें.

आमगेर घरांत सण-परब आसता तेन्ना आमी बाप्पाक मुजरत जेवपाक आपयतालीं, सणा-परबेक परक्याक घरांत जेवोवपाची आमगेर रीत आशिल्ली. बाप्पाक आपोवपाक चडशें हांवूच वतालें.

आजो सांगतालो, सुकुरउंडेकार बाप्पा खंय ताच्याच वागंडचो. एक-देड वर्सान ल्हान, तो सभावान हेंगळो आशिल्ल्यान म्हजो आजो सोडून कोणूच खंय ताका आपले बरोबर खेळूंक घेनाशिल्ले, वयल्यान ताची शेंडी वोड, काश्टी वोड करून तिडायताले. ताका लागून तागेली आवयूय ताका मागीर घरांतच बसोवनच दवरताली, मात म्हज्या आज्या वांगडा ताका

खंयीय भोंवपाक बी धाडटाली. म्हजो आजोय खंय सभावान थोडो भोळोच आशिल्लो. ताका लागून लोक ताका 'भोळो शंकर' म्हणटाले.

सुकुरउंडेकार बाप्पालो खंय बापूय रोखडोच मेल्लो. भावय खंय ऐन वयार गेल्लो. भावाली बायल आनी चली आशिल्ली. बाप्पान तांकांच आपलीं मानलीं. आवय खंय बाप्पाक लग्न करूंक पळयताली पूण बाप्पान म्हणलें, "म्हाका आनी लग्न नाका, भावालो संवसार दोळ्यांनी पळयलो तो पुरो."

बाप्पालो बापूय खंय खाज्याचो धंदो करतालो. जात्रे-फेस्ताक खाज्याचे मांड लायतालो. भावानय बापायचो धंदो फुडें व्हेलो. बाप्पा भावा बरोबर खाज्या मांडार वतालो आनी कितेंय आदार करतालो. पूण भावा फाटल्यान ताच्यान धंदो चलोवंक जालोना. मानाय- गिरायक ताका नाडूंक लागले. तें पळोवन आवयन काडून खंय ताच्या हातांत कायल दिली आनी सांगलें, "तूं आयच्यान सुकुरउंडे करून पोट भर!"

तेन्ना सावन बाप्पा सुकूरउंडे करून केपेंच्या बाजारांत व्हरून विकूंक लागलो आनी तो गोविंदाचो 'सुकुरउंडेकार बाप्पा' जालो. ह्यावूय धंद्यांत लोक ताका नाडटाले ती गजाल वेगळी.

सुमार पन्नास वर्सांचो बाप्पालो सुकुरउंड्यांचो धंदो. मजगती ताची आवय गेली, भावज गेली, धुवडेचें गांवांतच लग्न जावन तिगेर चली जाली. बाप्पाचो कमराचो उबो कणो बागवलो, ताचे केंस पिकले. आतां ताच्यान सुकुरउंडेय करूंक जायना जालें. तो घराच्या सोप्यार पडून रावूंक लागलो. धुवडी घरांतल्या राटगळ्यांतल्यान फावता तशें ताका जेवण हाडून वाडून वताली, पूण बाप्पाक मदीं च्याची रूच येताली, मागीर तो बडी घेवन सवका सवका चलत आमगेर येतालो. येवन सोंप्यार बसतालो. तोंडांतल्यान एक उतर काडिनाशिल्लो, दिल्ली च्या पिवन मुकाट्यांनी परत वतालो.

पंचवीस वर्सां जावन गेलीं तरी बाप्पाच्या मरणाची गजाल म्हाका

आजून घट याद आसा. ताचे धुवडेली चली खूब दुयेंत आशिल्ली. दोतोरानूय आस सोडिल्ली. ती रात काडटा काय कितें हाचोच दुबाव आशिल्लो. बाप्पाक ती गजाल कळ्ळी, तो नज जाता करून तिच्या घरा कडेन वचून आंगणांत बसलो. दनपार गेली, सांज गेली, रात आयली, बाप्पा थंयच बसून रावलो. धुवडेन भितर यो म्हणलें, तरी आयलोना आनी घरा वच म्हणल्यारय कसोच गेलो ना.

रातचो काळोख सोंपलो, सकाळ उजवाडली. धुवडेल्या घरच्यांनी पळयलें, बसल्या जाग्यारच बाप्पान मान आड घातल्या...

मात घरांत हांथरुणाक लागिल्ले नातीचे प्रकृतींत सुदारणा जावंक लागिल्ली!

□

3.

लक्ष्मी

पयरूच कोणें तरी खबर हाडली. ती आतां ह्या संवसारांत ना म्हण. गेल्यार सुमार वर्सभर जातलें. कुडीचे खूब हाल जावन गेली म्हण. आयकून मन विषण्ण जालें. मनांत विचार आयलो, सादी-भोळी, निश्पाप-निश्कलंक बायल ती. तिचे कसले चुकी खातीर तिच्या वांट्याक हे हाल आयले?

ती म्हाका निमणी मेळ्ळी ते गजालीक आतां लागीं लागीं चौदा वर्सां जातलीं. आई गेल्ल्याची खबर कळून ती आमकां भुजवण दिवपाक आयिल्ली. खरें तर तेन्ना आई वचून सुमार दोन वर्सां जाल्लीं, पूण तिका ती खबर तेन्नाच कळिल्ली. बशींत खंय आमच्या गांवचो एकटो मनीस तिका मेळिल्लो, ताणेंच तिका आईची खबर सांगिल्ली.

खबर कळटांच ती दुसऱ्याच दिसा धांवन आयिल्ली. येवन तिणें म्हाका घट्ट वेंग मारली. म्हज्या भावांच्या माथ्या वयल्यान हात ओडले. आमच्या बापाय मुखार बसून आईच्यो यादी काडून होऽ होऽ करून रडली.

ती सकाळीं सुमार णव वरांचेर आमगेर पाविल्ली, तरी तिका हांवें जेवल्या बगर परत वचपाक दिलेंना. हातार उदक पडटांच ती कडकडीत वतांत उठून गेली. नाका म्हणटाली तरी म्हज्या व्हडल्या भावान तिका स्कुटरीचेर बसोवन बसस्टॉपार व्हरून पावयली.

"आईच्या फाटल्यान सगळीं बरीं करून रावात, बापायक सांबाळात." अशें म्हाका आनी म्हज्या तिगां भावांक परत परत सांगून ती गेली.

"आई नासली तरी आमी आसात, पयलींच्या सारकीच यो गे." अशें जरी हांवें तिका सांगलें तरी ती परत केन्ना आमगेर आयलीना. त्या दिसाची तिची भेट म्हजे खातीर निमणी थारिल्ली.

मदीं ती एका दिसा म्हज्या व्हडल्या भावाक फोंड्या बाजारांत मेळिल्ली खंय. भावान येवन सांगिल्लें, "अदीं मदीं दुयेंत पडटा खंय गो ती आतां. काम सोडलें खंय तिणें. फातोड्ड्यां व्हडले भयणीगेरूच रावता खंय ती. भयण नासली तरी तिचो पूत बरो सांबाळटा खंय तिका. खूब थकिल्ली दिसली, वया परस सामकीच म्हातारी दिसली. कितेंय तरी सिरीयस जालां आसूंक जाय तिका. कितें जालां काय म्हण विचारल्यार सांगलेंना. बुकू बुकू करून पळयत रावली. घोवय गेला आसतलो गो तिगेलो. कपलाक कुकूम नाशिल्लो. गळोय उगडोच आशिल्लो."

आयकून हांवें भावाक म्हणलें, ‘‘आमी एका दिसा वचया रे फातोड्ड्या तिगेले खबरीक.’’

भावाक तिगेले खबरीक वचया म्हण सांगलें खरें हांवें, पूण म्हज्या हजार व्यापां मदीं तो दीस काय उजवाडलो ना.

तिचें नांव लक्ष्मी, पूण आख्खें जग तिका ‘मामी’ म्हणटालें. आमीय तिका ‘मामी’ म्हणूनच पाचारतालीं. दिसपाक गोरी-गोमटी, हांसकुऱ्या तोंडाची. नाजूक आंगलोटीची, टापटीप. चापून-चोपून न्हेशिल्ले आंगाक णववारी देगेचें कापड. तेंवूय केंसरी, गुलाबी, हळडुव्या रंगाचें.

ताचेर मॅचिंग पोलको. हातभर कांकणां, कपलाक ठसठशीत कुकमाचो तिळो. केंसांचो आंबाडो, ताचेर कसली ना कसली फांती. जर फांती नासत तर पातीचें कणस. तेंवूय नासल्यार तर कांटयेच्या फुलांचो गोंडो.

ती पळोवपाक जशी आखीव-रेखीव, तशीच सभावानय सुसंस्कारी, मायेस्त. केन्ना कोणाक गाळ मारपी न्ही वा तोंडान अपशब्द उच्चारपी न्ही. चाली-रितींची तिका बरी जाण आशिल्ली. तिका सगळें चकचकीत, लखलखीत जाय आशिल्लें. तिणें घांशिल्ल्या आयदनांनी कोणेंय आपलें रूप नियाळचें. उमळिल्ले कपडे नवे खंयचे, पोरणे खंयचे कळनाशिल्लें. ती केन्नाच बेकार बसनाशिल्ली. दीसभर कितें ना कितें करत रावताली. सान्न मारप हें तिचें आवडटें काम. हांगा थंय झाड झाड झाडटाली. आयदनां कपडे सोदून काडून ते धू धू धुताली. तिका एकूच दोश आशिल्लो, तो म्हणचे बडबडपाचो. सतत कितें ना कितें बडबडत रावताली. त्या वेळार तिच्या ह्या बडबडपाचो कंटाळो येतालो. कितें ही पिशा भशेन बडबडटा असें दिसतालें. पूण आतां समजता, तिच्या त्या बडबडींतल्यान ती आपल्या दुख्खाक वाट करून दिताली म्हण! आनी ती बडबडटाली म्हणूनच तिच्या तोंडार हांसो खेळटालो म्हण!

ती आमगेर येवपाक लागली तेन्ना हांव अदमासान अकरावेक आसतलें.

ती आमगेर येतकच हांव तिच्या म्हऱ्यांत न्हिदतालें. तिका काणयो कळनाशिल्ल्यो. पूण ती 'खबऱ्यो' सांगताली. ती जांगेर कोणागेर वता तांगेल्या घरांतल्यो 'अ' पासून 'इ' पर्यंत ती सगळ्यो खबऱ्यो सांगताली. आमगेल्यो खबऱ्योय ती लोकांक सांगताली आसूंक जाय. एका दिसा तिणें आपलीच खबर म्हाका सांगली.

सोळाव्या वर्सा खंय तिचें लग्न जाल्लें. घोव गांवच्या देवळांत घराण्याचे परंपरे प्रमाण 'देवळी'पण करतालो. देवळाचे सेवे खातीर तांकां थोडी शेत-जमीन सुटिल्ली. तो ती पिकयतालो. पावसाळ्यांत घरा शेजरा भाजी-पालो रोयतालो. गोठ्यांत गोठेभर गोरवां-वासरां आशिल्लीं. गायांचें दूद विकतालो, बैल लोकांक जोताक बांदून दितालो... पोटा-पाणयांक मारामार नाशिल्ली.

लग्न जावन ती घोवाल्या घरा आयली तेन्ना सुरवेक ती खूब खुशाल आशिल्ली. घोवाच्या सांगाताक तिवूय शेतां-भातांत, गोरवां-वासरांत उमेदीन वावुरताली. पूण तिचे खोशयेक नकलामी जाली. लग्न जावन पांच वर्सां जालीं तरी तिची कूस उजवलीना. गांवांत- घरांत 'वांजडी' म्हण थोमणे तिच्या कानार पडूंक लागले. ती मनांतल्यान आकूळ-पिकूळ जाली. पूण तिणें आपल्या तोंडावयलो हांसो शेणूंक दिलोना. सुदैवान तिच्या घोवान तिका सांगात दिलो.

तिणें नात्यांतल्याच एका भुरग्याक पोसको घेतलो. ताच्या लालन-पालनांत आनी घरच्या काबाड-कश्टांत, वीस-बावीस वर्सांचो काळ कसो गेलो तिका कळ्ळेंच ना. हे मदीं तिची मांय गेली. मांयपण गाजयतली तरी तिच्या जाण्टेपणाचो धीर आशिल्लो. ती गेल्ल्यान तो धीर गेलो आनी त्याच वेळार घोवाक पोटखण्याचें दुयेंस जालें. ऑपरेशन करचें पडलें. पूत ल्हान, संवसाराची व्हडलीशी जाण ना. सगळें तिणें हिकमतीन केलें. आतां संवसाराचीं सुत्रां तिच्या हातांत पाविल्लीं.

पुताक पंचविसावें वर्स लागताच तिणें ताचें लग्न केले. पूत शिकूंक

फाटीं. मॅट्रीकय जावंक पावलो ना. तिणें ताचो चड खेद केलो ना. हाताचीं चार कांकणां आनी गळ्याची गळसरी विकून ताका एक ल्हानसो पसरो घालून दिलो.

सुनेन मात घरांत येतांच तिच्या पुताक, तिचे कडल्यान तोडलो. घरांत वेगळी चूल पेटयली. तिच्याच भांडवलाचेर धंदो उबो केल्लो, पूण एका नया पयशाची एक वस्त ती मांय-मावाक दिना जाली. तिचो घोव सामको तें पळोवन अस्वस्थ जालो. पूण तिणें घोवाक धीर दिलो. ''हांव आसा तुज्या सांगाताक'', म्हण सांगलें.

पूण होच तिचो घोव एका दिसा विखारी नाग थारलो. तिका कसलोच थांग-पत्तो लागूंक दिनासतना, तो एका दिसा दुसरें लग्न करून एक बायल घरांत घेवन आयलो. तिका तो व्हडलो धक्को आशिल्लो. तिणें जाप विचारली, तर म्हुणूंक लागलो,

''दुसऱ्यालें रगत तें दुसऱ्यालें. तें कांय आपलें जायना! तूं वांजडें. म्हाका भुरगें दिवंक शकलेंना. म्हाज्या रगताचें भुरगें आसल्यार तें म्हाका म्हातारपणांत पळयतलें, म्हुणून ही बायल हाडल्या!''

आयकून ती थरथरली, पूण भिली मात ना. घोवान 'घर सोडून वच' अशें तिका म्हणलें नाशिल्लें, पूण तिचो स्वाभिमान जागो जालो. तिणें दुसरे दिसाच घर सोडलें. कांय दीस भयणी कडेन रावली, पूण तिका कोणाचेरूच वजें जावन रावपाचें नाशिल्लें. तिणें काम सोदलें. आमगेल्या गांवचे शिमेवेल्या एका भाटकारालें भाट राखूंक ती रावली.

तिका सप्तकाक एका दिसा, म्हणजे आयताराची सुटी आशिल्ली. तेन्ना शेनवारा रातची ती आमगेर येताली आनी आयताराची सांजेची परती वताली. तिचो घोव पावसाळ्यांत आमगेल्या मामालीं गोरवां राखूंक आपल्या गांवांत व्हरतालो. ते खातीर तिची पयलीं आमगेल्या मामागेर यो-वच आशिल्ली.

तेन्ना म्हजे आईची आनी तिची बरी मैत्री जमिल्ली. आतां आई इतकी लागीं रावता म्हणटकच सप्तकाचे सुटये दिसा ती आईगेर, म्हणल्यार आमगेर येवंक लागली. आईय तिका आग्र्यान आपयताली.

ती येतकच हांव मनांतल्यान सामकें खुशाल जातालें. कारण ती आयली म्हणटकच म्हाका घरांतलीं कसलींच कामां करपाक पडनाशिल्लीं. तीच सगळीं करताली. शेतांतल्या कामाच्या दिसांनी तर ती मुद्दाम वेळ काडून आमगेर येताली, आईच्या आदाराक. कामेऱ्यांचें जेवण बी तीच रांदताली. आईन पयशे बी दिल्यार ती घेनाशिल्ली. मागीर आई तिका तांदूळ–नाल्ल बी दिताली. चवथ–दिवाळेचें निमित्य करून नवें कापड हाडून दिताली.

अशें पांच–स वर्सां चल्लें. एका दिसा तिणें केपेंचें काम सोडलें. मडगांवां कोणाचें तरी घर सांबाळपाचें बरें काम मेळ्ळां अशें तिणें सांगलें. पूण थंयूय वतकच ती अदीं–मदीं आमगेर येताली. मागीर तिका येवंक मेळना जालें.

आई तिची सद्दां याद काडटाली. चड करून शेता–भाताच्या कामाच्या दिसांनी आईक तिची सामकी याद येताली. मागीर आईय एका दिसा दुयेंत पडली आनी हो संवसार सोडून गेली. आई फाटल्यान आमगेलें जीवन बदल्लें. शेत–भात बापायन कोणाक खंडाक रोवपाक दिलें.

वर्सां गेलीं तशीं आईच्या गोतावळ्यांतलीं एक एक करून मनशां शेणत गेल्लीं. मात म्हज्या स्मृतीपटलाचेर तांची याद जिवी तट्टटीत उरिल्लीं. ‘लक्ष्मी मामी’ ही त्या मनशांतलीच एक.

□

4.

आका

ती अख्ख्या गांवची 'आका' आशिल्ली. तिचें खरें नांव 'सुमन'. पूण हें खरें नांव, गांव केन्नाचो विसरून गेल्लो आनी तिवूय आपूण गांवच्या सगळ्यांची व्हडली भयण आशिल्लेवरी वावुरताली.

गांवांत कोणूय दुयेंत पडलो तर ती रोखडीच थंय कसलो ना कसलो

कसाय-कडो घेवन वताली. कोणागेर चूल पेटली ना म्हण कानार पडत तर ती पदरा पोंदा तांदळांची पोटली लिपयत थंय हजर जाताली. एखाद्री बाळंटीण अडली म्हण कळत तर हातांतलें काम सांडून थंय तिच्या आदाराक धांवताली. भावा-भावां मदले वाद, मांय-सुनेचें झगडें... असले तंटे मिटोवपांत ती सगळ्यांत मुखार.

जेवणा वेळार कोणूय आकाले चौकेर पावलो आनी जेवनासतना परत आयलो अशें केन्ना घडलें ना. दारांत गेल्ले गांवकान्नीक तिणें केन्ना रिकाम्या हातान परती धाडलीना. लाडू-कापां, पापड-वडयो घरांत जें कितें आसा तें, आनी कांयच नासल्यार रांदनीर शिजतली इल्ली भाजी तरी ती वाटयेंत घालून तिच्या हातांत चेंपताली.

कोणूय भुरगें दिसलें जाल्यार कितेंय तरी खावंक, निदान गोडा कुडको तरी ती ताच्या हातार दवरताली. ताका लागून शाळा सुट्टकच वाड्या वयलीं भुरगीं तिच्या घराच्या अवती भोवंतणी घुटमळटालीं.

सोरपान चाबल्यार आंगांतलें वीख देवोवपाचे मंत्र आकाक कळटाले. गांवांत कोणाकय सोरोप चाबलो तर लोक ताका घेवन आकाल्या आंगणांत धांवताले. आका मागीर थोडो वेळ ध्यानस्त बसताली. तिच्या आंगांत भार आयिल्लेवरी जातालो. मागीर ती तोंडान कसले तरी मंत्र पुटपुटत, देवा कुडींत दवरिल्ल्या बोटव्यांतल्यान भस्म काडून सोरपान चाबिल्ल्या मनशाच्या फाडाक लायताली. कसलें तरी पाळ झरोवन ताका पिवंक दिताली. कांय वेळान त्या मनशाच्या आंगांतलें वीख देंवतालें. तो निवळ्ळो तशी आका उठून भितर वताली. ते उपरांतचो अख्खो दीस ती एके ग्लानींत वावुरताली. कोणाय कडेन उलय बी नासली.

आकाक नागदेव वश आसा असो गांवांत लोकां मदीं समज आशिल्लो. तिच्या घराच्या मागीलदारांत एक व्हडलो नागचांफो आशिल्लो. ताच्या खांकोळांत हळडुवोच, एक हात लांबायेचो नागदेव रावता, तो आकाक

दृश्टांत दिता, तिचेच विनवणे वेल्यान तो अदृश्य रुपान येवन सोरोप चाबिल्ल्या मनशाच्या आंगांतलें वीख ओडून घेवन परत वता, तो तिचे कडेन मनशाचे भाशेंत उलयता अशे गांवांतले जाण्टे-म्हातारे सांगताले. खरें कितेंय आसूं पूण आका सोरपाच्या विखाचेर उतारो दिताली ही मात गजाल खरी.

आका विधवा आशिल्ली तरी तिका फुलांचें खूब पिशें. जायो, जुयो, सायली, गोटलां, शेंवतीं, आबोलीं, चमेलीं, सोनचांफो... कितलीं तरी फुलझाडां तिणें पोरसांत रोयिल्लीं. तिच्या भाटांत वोंवळ आनी सुरंगीणय आशिल्ली. फुलांच्या भाराच्या दिसांनी ती फांतोडेर उठून फुलां पुंजायताली-खुट्टाली. मागीर तांच्यो सोबीत फांतयो- वळेसर करताली. थोड्यो देवाक घालून, थोड्यो आपले सुनेक आनी भावजेक दवरून उरिल्ल्यो वांट्टाली. आकाचे हातांतली फांती मेळ्ळी म्हणटकच वाड्या वेल्यो बायलो जाम खूश जाताल्यो. आका विधवा आसली तरी तिच्या हातांतली फांती म्हणल्यार 'सवायशिणीचें वायण' अशें त्यो समजताल्यो.

माघ-पौश म्हयन्यांत आकालो नागचांफो फुलांनी भरतालो. तिचें सगळें मागीलदार फुलांच्या वासान घमघमतालें. धव्याफुल्ल पांकळ्यां मदीं हळडुवीच मंडोळी आशिल्ल्या त्या तळटायेद्र्या फुलांचे घोंस पळोवन पाणट्यार येतल्यो-वतल्यो बायलो सामक्यो पिश्यो जाताल्यो. पूण एका फुलाक पसून हात लावपाची कोणाक हिमंत जायनाशिल्ली. मुळांतलो नागसर्प दुखवलो जाल्यार? मागीर त्यो आकाक उलो करताल्यो. आका तांच्या उल्याक हातांतलें काम उडोवन धांवत येताली. केंकल्याचे बडयेन तांकां जाय तितकी फुलां काडून दिताली.

आकाचें घर हें खरें म्हणल्यार आकाचें कुळार. घोवाच्या घरा ती लग्न जावन फकत दोनच वर्सां उरिल्लीं. परत थंय गेली ना. थंयचें तिचें व्हडलें घर, भाट-बेंस, शेत-कुळागर, तिच्या कुळान बरींच वर्सां सांबाळ्ळें. पूत व्हड जातकच थंय रावपाक येतली अशें तिणें गांवच्या लोकांक सांगिल्लें, पूण पुतान आजोळच आपलें घर मानलें. मामाक आपलो भाव मानलो.

आका

आकाल्या घोवाल्या घरा कोणूच नाशिल्लो. तिचें लग्न जावचे कांय म्हयने पयलीं तिच्या सासरचीं सगळीं मनशां एका साथीच्या जोरांत सोंपिल्लीं. ताच्या घोवाची पयली बायल आनी दोन वया वयले चले लेगीत तातूंत गेल्ले. वांचिल्लो तो फकत तिचो एकटो घोव.

आकालो बापूय गांवचो कुळकर्णी आशिल्लो. गांवांत ताचे परस दुसरो गिरेस्त कोण नाशिल्लो. गिरेस्त आसलो तरी सभावान तो खूब बरो आशिल्लो. गांवच्यांच्या अडी-अडचणीक तो उबो रावतालो. ताचो तो वसो ताचे हे धुवेन घेतिल्लो. ताका एकूच दुख्ख आशिल्लें. ताका चलो भुरगो नाशिल्लो. घराण्याचें नांव फुडें व्हरपी वारस नाशिल्लो.

आका ताची एकटीच चली. तिका मंगळ आशिल्लो. म्हणून बाराव्या वर्सांत पाविल्ली तरी तिची सोयरीक जमनाशिल्ली. सगळ्यांनी धास्ती घेतिल्ली, लग्न जावचे आदीं पोराक न्हाण आयलें जाल्यार कितें जातलें आपल्या घराण्याचें?

आकाच्या बापायन तिची जल्मपत्रिका एका ज्योतिश्याक दाखयली. चार गांवांत प्रकांड पंडीत म्हण ताचें नांव आशिल्लें. ताणें भविश्य केलें, 'आकाचें लग्न जावन तिची कूस उजवतली, तेन्नाच ताचे आवयचे पोटांत चलो भुरगो जल्माक येतलो.'

तें आयकून तिचो बापूय अदिकच नेटान तिका सोयरीक सोदूंक भोवूंक लागलो. आनी तेन्नाच सोयऱ्यां पैकीं एकान तिका ती सोयरीक हाडली. जोरीन घरांतले सगळे मरून तो एकटोच जगतालो. आका 'मंगळी' हें जाणा जावनय तो तिचे कडेन लग्नाक तयार जालो.

बारा वर्सांची पोरांटी आका आनी केंस पिकूंक लागिल्लो, जाण्टेपणा कडेन बागवल्लो पन्नाशीचो न्हवरो, दोगांयचीय बापायन लग्नगांठ बांदून दिली. पूण ती गांठ चड काळ तिगलीना. दम्याच्या दुयेंसांत तिचो घोव वर्सा भितर गेलो. त्या वेळार आकाक दीस गेल्ले.

तिच्या बापायक आतां खूब पश्चाताप जाल्लो. धुवेच्या विनाशाक आपूणच जबाबदार हें शल्य ताचें मन खावंक लागलें. जांवयाचें दीस करून तो धुवेक घेवन आपल्या घरा आयलो. ''आयच्यान तुजें आनी तुज्या भुरग्यांचें हेंच घर!'' ताणें आकाक सांगलें.

त्या ज्योतिश्याच्या भविश्या प्रमाण घडलें. आकाक भुरगो जातकच ताचे आवयगेरूय चलो जालो. पूण आकाच्या संवसाराची विदर्णा पळोवन भितरले भितर खचून गेल्ली तिची आवय त्या बाळंतपणांत गेली. मागीर आकाक तिच्या भावाचीय आवय जावचें पडलें.

आकाची ही जल्मकाणी हांवें पणजेकडल्यान आयकल्ली, पूण तिका हांवें प्रत्यक्ष पळयल्यात.

दोन भुरग्यांक वाडयतना आयुश्याची सांजवेळ केन्ना आयली, आकाक समजलेंच ना. पूण आपलें एकोडी जिवन जगतना तिणें केन्ना वांकडें पावल पडूंक दिलें ना, ना म्हण केन्ना आपल्या दुख्खाचें प्रदर्शनय केलें ना. एखाद्रे साध्वी सारकें आपलें जिवीत ती संयमान जगली. आपलीं सगळीं कर्तव्यां तिणें शांतपणान संपुर्णाक व्हेलीं.

आवयचे फाटल्यान स्वताच्या भुरग्या इतकोच भावाकय तिणें मायेन वाडयलो. ताचें लालन-पालन केलें. ताका बरे संस्कार दिले. शिक्षण दिलें. बापूय वतकच दोगांय भुरग्यांच्यो लग्न-मुंजी स्वताचे जबाबदारेन केल्यो.

आयज तिच्या घरांत सूख-समाधान आसा. धंदो-वेवसाय बरो चलता. घरांत नातरां-भाचरां उमेदीन खेळटात.

आका ही मुर्तीमंत माया आशिल्ली. तिचे सारकीं मनशां आडवादानच जल्माक येतात. ह्या जगाचो तिणें निरोप घेतल्यार आतां धायेक वर्सां जातलीं. तिच्या मागीरदारांतलो नागचांफो तिच्या मायेस्त-मोगाळ सभावाची गवाय दीत आजूनय दरवर्सा घमघमता.

□

5.

अनुसूया



तिका जर कोणेंच 'अनुसूया' म्हणून उलो मारलो तर तिच्या पांयांची तिडक मस्तकाक मारताली. सामकी खुबताली ती. एखाद्र्या वेळार कामाकय येवंक ना म्हण्टाली. आपल्याक 'अनू' म्हणात, अशें ती सगळ्यांक आगऱ्यान सांगताली.

अनुसूया

तिचें नांव आयकून कोणाकय दिसपाचें, ती म्हणजे कोणय शाळेंत वचपी पोरवयाची चली आसतली वा एखाद्री विशी-पंचविशींतली देखणी तरणाटी आसतली म्हण. म्हाकाय सुरवेक अशेंच दिसलें. आईन "अनू, येतलें आयज आमगेर कामाक" अशें जेन्ना घरांत म्हणिल्लें तेन्ना कोणूय पोरवयाची चली आमगेर कामाक येतली असो म्हजो समज जाल्लो. आनी देखूनच तिका पयले फावट पळयलें, तेन्ना हांव थक्क जाल्लें.

ती तेन्ना सादारणपणान साठी कडेन पाविल्ली आसूंक जाय. तिचो मुळचो रंग काळो कुळकुळीत. वता-वाऱ्यांत भोवन तो रंग अदिकच रांपिल्लो. लांब-हाडकुळी कूड. ते कुडीक खंय वाटकुळसाण ना की खंय आखीव-रेखीवपण ना. सपाट, मुठभर मांस नाशिल्ल्या आंगाक चामडी जणू चिकटल्ली. माथ्या वयले केंस अर्दे अदीक धवे. तांकां केन्ना तेल-फणी लागिल्ली देव जाणा. त्या केंसांची मानेर आंबाड्या येदी गांठ.

आंगार धोंपरा मेरेन उरफाट्या कांसाट्यान न्हेशिल्लें जुनेर. ताचेर कसल्या तरी रंगाचो विटको पोलको. मात पिंजके आनी विटकें आसलें तरी कापड-पोलको निवळ आशिल्लो. ताचो हात-गळो उगडो. आंगार फुटको मणीय नाशिल्लो.

अनूच्या तोंडार केन्ना हांसो नासतालो. कोणा कडेन खालतीपणान उलोवप ना. वागप एकदम फटकळ. कपलाक वर्साच्या बाराय म्हयने मिरयो. कोंड्याचीं कामटां सोलपाची कोयती हातांत घेवन ती रस्त्या वयल्यान तिरमिरीत चलताली.

अनून केन्ना कोणाच्या एका उल्याक "ओ" म्हणलें तर ताचें नशीब! एखाद्र्यान चार उले मारतकच ती पांचव्या उल्याक फाटीं वळून पळयताली. गांवांत सगळे जाण तिका 'मिजाशी' म्हणटाले. फकत निरुपाय म्हण तिका कामाक आपयताले. फकत म्हजी आवय तिची काकूट करताली. तिची बाजू घेवन शेजार-पाजाऱ्यां कडेन उलयताली.

ती आमच्या गांवा कडल्यान दोन गांव पयसुल्ल्या गांवची. अकस्मात त्या दिसांनी आमगेल्या गांवांत अवतरली. आमगेलो गांव शेतीप्रधान. त्या तेंपार भट-बामण धरून कुळंबी-किरिस्तांव सगळेच हेर दुसरो वेवसाय केलो तरी घरचो म्हण इल्लो तरी शेताकुडको रोवपी.

प्रत्येका कडेन व्हडली नासल्यार ल्हान तरी शेतजमीन आसताली. आतां शेत म्हणलें काय शेताक लागपी कोंड्याचीं आवतां-आयदनां वा गरज तें 'म्हारवत' शेतकारांक लागतलेंच. शिवाय घर-संवसाराक लागपी खोटले-सुपां, वल्ल्यो हे सारकें म्हारवतय गांवाक लागतालें.

आदीं हें सगळें म्हारवत गांवच्या कारक्यां* मदलो एक हरिजन गांवाक पुरवण करतालो. मूळ कोठंबी गांवचो हो मनीस कांय वर्सा आमच्या गांवांतच रावतालो ताका भुरगें-बाळ नाशिल्लें. तो मरतकच ताच्या दोन बायलांनी कशेतरेन गांवची गरज भागोवपाचो यत्न केलो. पूण व्हडली बायल घोवा फाटोफाट रोखडीच गेली आनी धाकटेच्यान एकलीच गांवचे पुरवणेचो भार पेलूंक जायना जालो. पिकेच्या आनी लग्न-कार्यांच्या मौसमात तर गांवाक वेळार वस्तू मेळना जाल्यो, गांवची खूबच धांदळ जावंक लागली.

... आनी कोणें आपोवणें धाडिल्ले सारकी अनू त्याच दिसांनी आमच्या गांवांत पावली. ती स्वता जावन कोणाच्या घरा 'काम दी' म्हण गेली ना. तर ती गांवच्या रस्त्या वयल्यान चलतना तिच्या हातांतलो कोयतो पळोवन ही म्हारवत करपी आसूंक जाय असो गांवच्या एकट्याक दुबाव आयलो आनी ताणें तिका उलो करून आपल्यागेर हातर-पाटो लावंक (सारको करूंक) येता काय म्हण विचारलें.

कोणेंय कामाक येता काय म्हण विचारलें आनी तिणें रोखडेंच 'हय' म्हणलें तर मागीर ती 'अनू' कसली? ताची जात-पात, पगार-जेवण, काम-

* कारबी = बलुतेदार

वेळ, सगळ्यो बारीक चवकश्यो केल्या उपरांतच तिणें ताका 'हय' म्हणलें.

"म्हाज्या कामांत कोणेंय लुडबूड केलेली म्हाका चलपाचेर ना. म्हाका जेवण बरें जायें. सांजे पांच जातकीच हांव कामाचें थांबतलें... ना तर म्हाका घरा पावोंक काळोख जातलो... म्हाका दिसवडो मुठान नाका... दुडवांनी जायो..." अश्यो कितल्यो तरी अटी तिणें ताका घातल्यो. गरजेवंताक अक्कल ना म्हणटात, बाबड्यान तिच्यो सगळ्यो अटी मोन्यानी मानून घेतल्यो. अनूची एक सगळ्यांत मोटी अट आसताली ती म्हणचे, ती स्वता जरी हरिजन आसली तरी ती कथीत दुसऱ्या सकले जातींच्या लोकांगेर जेवनाशिल्ली.

तर अशेतरेन नाट्यमय रितीन अनू आमच्या गांवांत पावली. तिचें काम मात सामकें वेवस्थीत. तिच्या हाडकुळ्या बोटां मदीं आगळेंच कसब आशिल्लें. तिची वीण सोंपेपणी सुटनाशिल्ली. कामटां सामकीं सुळसुळीत तासताली. तिणें केल्ले खोटले-सुपां, वजीं हातांतल्यान सकयल दवरची अशें दिसनाशिल्लें.

आमकांय इल्लो शेता-कुडको आशिल्लो. बापायक शेतांत उमेद नाशिल्ली. आईक मात शेता-भाताची खूब आवड. धवाड्या कुटुंबांत जल्मल्ली, तरी म्हज्या बापायच्या घरा येवन तिणें सगळ्याक माथें मारिल्लें. जणू ती 'पिढीजात' शेतकारालीच धूव.

शेताक लागपी सगळ्यो वस्ती- आवतां आपल्यागेर आसूंकच जाय असो तिचो हट्ट. ताका लागून शेताक लागपी एकान एक वस्ती तिणें करून घेतिल्ल्यो. ती त्यो जतनायेन वापरताली. मात शेजारी-पाजारी मागून व्हरून एक तर त्यो ना करताल्यो वा मोडून- तोडून तरी हाडून दिताल्यो. मागीर शेताच्या कामाक सुरवात जाली म्हणटकच त्यो सारक्यो करपाक वा नव्यो करून घेवपाक आईची धांवपळ सुरू जाताली. अत्तपर कोणाक आपली वस्त दिवची ना म्हण्टाली, तरी कोणेंय मागली म्हण्टकच मुकाट्यांनी आपल्यो वस्ती काडून दिताली.

अनू गांवांत प्रसन्न जातांच, आईनय तिका आमगेर आपोवणें धाडलें. अनू आमगेर आयली आनी आईल्या जेवणाक भुल्ली. आमगेर आयली त्या दिसा साकून ती कोणेंय कामाक आपयल्यार तांकां सांगूंक लागली, "व्होनीबायगेर म्हाका जेवणाक दवरतात, तर तुमगेर कामाक येतां, ना जाल्यार येना!"

मागीर शेजारी बाबडे येदेशें तोंड करून आई म्हऱ्यांत येताले. "तांदूळ-नाल्ल दितां, अनूक तुमगेर दनपरां वाड" अशें सांगतालें. आईच्यान शेजाऱ्यांक ना म्हुणूंक जायनाशिल्लें, ती अनूक आमगेर दनपरां जेवण वाडटाली. मात कोणा कडल्यान कांयच घेनाशिल्ली.

आईची मागीर म्हाका खूब तिडक मारताली. ती दुयेंत, तिच्यान धड काम जायनाशिल्लें, म्हाकाच चडशीं घरांतलीं कामां करचीं पडटालीं आनी ती अनूक जेवण रांदपाची जबाबदारी घेवन म्हजे कश्ट आनीक वाडयताली.

आमगेलें जेवण आवडटा म्हणलें तरी अनूचे हजार नखरे आसताले. दुदाची च्या घेना... पदेरालो पाव खायना... हुमण पातळ जालां... भाजयेक फोडणी घातली ना...

पानार बसून ती जणू कांय म्हजी मांय आशिल्लेवरी फट फट करून उलयताली. केन्ना केन्ना अर्दें जेवण सांडूनच उठ्ठाली. हाचेर म्हाका तिचेपरस आईचोच चड राग येतालो. गरज नासतना आईन पिडा आपल्या गळ्यांत हाडून घातल्या अशें दिसतालें. हे बायलेचे नखरे आई कित्याक पचोवन घेता, म्हाका कितके फावट प्रस्न पडटालो.

एके दिसा आई कडल्यान म्हाका तिच्या विचित्र वागपाचें कारण समजलें. (अनूनच तिका सांगिल्लें) जिवीतभर अनून खूब सोंशिल्लें. तेखातीर तिचो सभाव वीख पियेल्लेवरी कोडू जाल्लो. भुरगें जायना म्हण घोवान पेट पेट पेटली! मांयन छळ छळ छळ्ळी! लोकांनी आणे मार मार मारले! कितलीं तरी वर्सां ती आपल्याचेर जातलो अत्याचार मोन्यानी सोंशीत जगली. आतां घोव मरतकच, जिविताच्या सांजवेळा ती सगळ्या जगाचेर

असो वचपो काडटाली.

लागीं लागीं आठ वर्सां तिचें आमगेर यो-वच आशिल्लें. सुरवेचो तिचो तोरो मागीर इल्लो इल्लो उणो जाल्लो. म्हजे कडेन तर ती बरी मायेन उलोवंक लागिल्ली. म्हाकाय इल्लें इल्लें तिचें विशीं आपलेंपण दिसूंक लागिल्लें. हांव लोकवेद वावरा खाला पोरण्या आनी पारंपारीक वस्तुंचो संग्रह करता हें कळटकच तिणें म्हाका, सांगशी, सुपली, दाली, वल्ली, कुरपांडो, खोटलो... अश्यो कितल्यो तरी कोंड्याच्यो वस्ती आपूण जावन करून दिल्ल्यो आनी सांगिल्लें, "बाये, ही म्हाजी याद हां तुका."

आई गेल्या उपरांत आमचें शेत खंडाक रोवपाक दिल्ल्यान घरांतलीं हातरी-सुपां शेणिल्लीं. तरी कांय वर्सां अनू अदीं मदीं आमगेर अवतरताली. ती येतकच हांव तिका जेवण वाडूनच धाडटालें.

मजगती घरांत भावज आयली. तिवूय हांव घरांत नासलें तरी अनूक वाडून धाडटाली. धाडटाली म्हणचे परस अनू तिका हक्कान वाडपाक सांगताली. मात जेवन-खावन आपल्या सभावा प्रमाण तिच्या जेवणाक नांव दवरून वताली. भावजेक मागीर तिडक मारताली. हांव येतकच ती म्हाका तिच्यो कागाळी सांगताली.

मागीर हांव तिका समजायतालें, "आसूं गो, आईलीं मनशां तीं! आनीक कितलीं वर्सां आमगेर येतलीं?"

आयज अनू ह्या जगांत ना. सगळें दुख्ख, छळ, अत्याचार, अपमान आनी तिचे स्वताचे नखरे हाचे पलतडीन वचून बसल्या. मात तिणें करून दिल्ली वल्ली, सांगशी, सुपली... म्हज्या घरांतले हारशांचे फास्कें‌तल्यान तिची म्हाका सदोदीत याद करून दितात.

□

6.

जुजे कायतान

फाटल्या सतरा वर्सांत आमी जुजे कायतानाची याद काडलीना अशी एकूय चवथ गेलीना. पयलीं, गणपतीची पुजा आजो करतालो, ताचे उपरांत म्हजो बापूय, आतां व्हडलो भाव करता. तो तर न्हावन–धुवन सवळो जावन भटाची वाट पळयत मखरा मुखार पाटार बसलो आनी फोगेट्यो लावपा

खातीर उजवाती पेटोवंक दिवल्यां कडेन भुरगीं आयलीं म्हणटकच कुशीक सरत म्हणटा, "आरे...आरे, आपुडशात रे! जुजे कायतान जावशात!"

भाव अशें म्हण्टा आनी व्हड-व्हडल्यान हांसता. मागीर हांव वा ताची बायल वा आनी कोणूय, जो म्हऱ्यांत दिसता, ताका हांसत तो सांगता, "जाणा मरे, एकदां कितें जालें तें?... एकदां चवथीक जुजे कायतानान..."

आमकां सगळ्यांक जुजे कायतानाची ती गजाल याद आसा, न्हय सामकी पाठ आसा, तरी भाव मात ती दर वर्सा नव्यानच सांगिल्ले सारकें सगळ्यांक सांगता. तर गजाल अशीः

जुजे कायतान हो आमचो शेजारी. ताका खूब खबऱ्यांचें पिशें. खबरी कसल्यो? तर चड करून काजाराच्यो, चेड्यां-चेडव्यांच्या मोगाच्यो! तो स्वता काजार बी जावंक नाशिल्लो तरी ताका काजाराच्या- मोगाच्या खबरींनी चड उमेद आशिल्ली. कोणालें, कोणा बराबर काजार थारलां, कोणाली मुदी जाल्या... कोणाली चीट पडल्या, कोणालें चेडूं कोणाल्या चेड्या बरोबर भोंवता... कोण चेडो खंयच्या चेडवाक घेवन पिक्चराक गेलां... जुजे कायतानाक गांवचो आसलो सगळो रिपोर्ट पाठ. घडलां आनी आसा ताचे परस तो खबर येद्दीऽऽऽ व्हडली करून सांगतालो. म्हऱ्यांत कोण मेळ्ळो रे मेळ्ळो, ताका असल्या गजालींनी इंटरेस्ट आसा काय कितें हें पळयनासतना तो आपली खबऱ्यांची गाडी सुरू करतालो.

तर ते वर्सा चवथी दिसा दनपारचो तो आमगेर आयलो. आमच्या गांवांत तेन्ना आनी कांय प्रमाणांत आजय, क्रिस्तांव समाजांतल्या गांवभाव-भयणांनी हिन्दूगेर चवथीक-दिवाळेक जेवणाक येवपाची चाल आसा. तांकां मुजरत आपोवणें आसता जेवणाचें. तांचीं जाण्टीं खास करून आपल्या नातरांक-पणटुरांक बी घेवन मुजरत जेवणाक येतात, ना तर जेवण तरी घेवन वतात.

जुजे कायतान म्हज्या आज्याच्या वांगडचो. ताचें आमच्या घरांत आदरतिथ्य बरें जातालें देखून तो चवथीचे दोन दीस आमगेरच दनपरां जेवणाक येतालो. तेवूय वर्सा तो आयलो. दनपारचें एक वर जाल्लें. आजो पुजेची तयारी करून, न्हावन-धुवन सवळो जावन भटाची वाट पळयत मखरा मुखार बसून आशिल्लो. म्हजो एक भाव भटाक आपोवपाक गेल्लो. आई रांदचे कुडींत हेर रांदप करून पुरयो काडूंक बशिल्ली. तेन्ना आमच्या गांवांत जेवणाचो नेवेद्य तयार जातकच भटाक गणपतीचे प्रतिष्ठापनेक आपोवपाची चाल आशिल्ली. ते प्रमाण आई पुरयो काडूंक बसतकच भटाची सोद-सोद सुरू जाल्ली. आजो आपल्याक लागून वेळ नाका म्हण पयलींच तयार जावन पाटार वचून बशिल्लो.

तर जुजे कायताना आयलो. तो येतकच बापायन ताका नेवऱ्यो आनी च्या हाडून दिवंक म्हाका सांगलें. हांवें व्हरून दितकच ताणें तें खावन घेतलें. मागीर ताणें खबऱ्यां खातीर बापायक धरलो. बापायन ताचें मात्शें आयकून घेतलें आनी ‘‘भितर वचून येता हां’’ म्हण सांगून पडवे वेल्यान पळ काडलो. आतां जुजे कायतान कितें करतलो? ताच्यान मुकाट्यांनी भायर कशेंच बसूंक जायना जालें, ताणें हेवाटेन तेवाटेन पळोवन सरळ भितरल्या गणपती पुजपाच्या सालांत प्रवेश केलो आनी एका कदेलाचेर बैठक मारली. मागीर ताणें आज्याक आपल्या खबऱ्यांचो ‘टार्गेट’ केलो.

आजो आमगेलो बाबडो संत मनीस. ताका जुजे कायतानाच्या आमट-गोड खबऱ्यांनी कांय इंटरेस्ट नाशिल्लो, शिवाय ताका भट केन्ना येतलो ताचें टॅन्शन आशिल्लें, तरी तो जुजे कायतानाक वायट दिसनये म्हण ‘हूं हूं’ करतालो. जुजे कायतानाक आजो हूं हूं करता तें पळोवन दिसलें तो आपल्यो खबरी उमेदीन आयकता म्हण. तो इल्लो इल्लो करून रंगार आयलो. करतां करतां बशिल्ले थंयच्यान (बऱ्या अंतरार) इल्लें इल्लें कदेल ओडीत ओडीत तो आज्या म्हऱ्यांत पावलो. तो न्हाल्लो ना हें आज्याक खबर आशिल्लें,

शिवाय उलयतना ताच्या तोंडांतल्यान नुथी उसळटाली. ते भायर तो किरिस्तांव धर्माचो (तेन्नाच्या विचारांप्रमाण)...

...जुजे कायतान इल्लो इल्लो कदेल ओडीत मुखार वता... आजो पाटा वयल्यान इल्लो इल्लो फाटीं सरता... म्हजो बापूय पयस रावन तांच्या ह्या नाटकाची मजा घेतालो.

करतां करतां जुजे कायतानान उलोवपाच्या नेटांत, ''आरे म्हादेव... आयकोता रे...!'' म्हणून म्हज्या आज्याच्या भुजाक हात लायलो. जालो ना घात! म्हज्या आज्याचें सवळेंपण भश्टलें. आतां तो ते अवस्थेंत गणपतीची पुजा करतलो? परत न्हावचें पडलेंना ताका!

आजो तडक उठून भितर आयलो आनी व्हड-व्हडल्यान उसळूंक लागलो, ''अनर्थ! अनर्थ!... अक्कल आसा? परत न्हावपाक लायलो म्हाका?''

पयलीं म्हाका आनी आईक कितें घडलें तें कळ्ळेंच ना. आमकां अजाप जालें. कोणें कितें केलें आज्याक?... ताका आमी असो उसळटना पयलेच फावट पळयतालीं. ना तर तो शांत मनीस!

आज्यान जुजे कायतानाची खबर सांगतकच म्हाका मजाच दिसली. आज्याक तिडावपाक हांवें म्हणलें, ''हांगा कित्याक तापता रे आज्या? भायर वचून जुजे कायतानाचेर ताप मरे!''

आज्यान म्हणलें, ''शीव! शीव!... कितें तापतलों? घरांत आयिल्ल्याचो अपमान करूंक जाता?''

आनी खऱ्यांनीच आज्यान जुजे कायतानाक एक उतरूय म्हणलेंना. मान्न्यांत वचून परत न्हालो आनी कांयच घडलें नाशिल्ले भशेन परतो सवळो जावन भायर पाटार वचून बसलो.

जुजे कायतान खंय मुळचो देखणो, लांब-रुंद आंगलटीचो, कोणूय बायलेन पळयतनाच ताका भुलचें असो रुपेस्त दादलो खंय तो! पूण म्हाका ताका पळयिल्ल्याची जितकी मेरेन याद आसा तेन्ना सावन ताची कूड एके

वांकडे-तिकडे वालीचें लाकूड दिसची तशी दिसताली. ताचे लांब हात आनी पांय दोनय वांकडे जाल्ले. हात वांकडे धरीत धोंपरांत बागवत तो चलतालो. ताचें तोंड आनी वयलें धडय बडयांचो लांब सांगाडो कशें दिसतालें. तोंडांतल्यान उतरूय स्पश्ट येनाशिल्लें. आजो सांगतालो, तो मुळचो गोरो-पीट्ट, पूण हांवें पळयला तो ताचो रांपिल्लो रंग. फकत ताचे दोळे तितले घारशे आशिल्ले. एखाद्र्या म्हाझुजांत उध्वस्त जाल्ले म्हानगरींत पुर्विल्ले गिरेस्तकायेच्यो कांय अवशेश-खुणो शाबूत उरच्यो, ते तरेन ताचे ते दोळे, ताच्या मूळ देखण्या रुपाची गवाय आसात, अशें ताका पळोवन म्हज्या मनांत येतालें.

जुजे कायतानाचो खंय बापूय तारवटी. ताका ताचे फाटलो आनी एक भाव आशिल्लो. बापायन दोगूय पुतांक म्हण एक ल्हानशेंच पूण ठाक-ठीक घर बांदिल्लें आनी इल्लोसो भाटा कुडकोय घेवन दवरिल्लो. बापूय भुरगें ल्हान आसतनाच गेलो, फाटोफाट मांयूय गेली. जुजे कायतान व्हडलो आशिल्ल्यान ताणें धाकल्या भावाक सांबाळ्ळो. आपूण शिकलो ना पूण भावाक लिसेंवाचें शिकप दिलें.

जुजे कायतान पंचवीस वर्सांत पाविल्लो. भाव ताचे परस चार वर्सांनी ल्हान. ताका ताणें बोटीर धाडलो. सगळें बरें चलतालें. काजार जावपाचें थारावन ताणें माशेनावरवीं एका सोयऱ्याच्या चेडवाक मागणी घातली. उतर जालें. पयली चीट पडली आनी जुजे कायतानाचें नशीब रडलें. ताका दुर्बुद्धी येवजली. आपल्याच भाटांतले चिंचेर चिंचेबोटां पाडपाक तो वयर चडलो आनी पांय निसरून सकयल पडलो. इतले वयर साकून सकयल पडिल्ल्यान ताच्या हाता-पांयांचीं सगळीं हाडां मोडून, ताचो सामको मुड्डो जालो.

खबर कळून भाव बोटी वयल्यान देंवन आयलो. ताका जायते उपाय केले. कितले म्हयनेच तो हॉस्पिटलांत उरलो. शेवटाक भावाच्या यत्नांनी आनी ताचें मरण पावलेंनाशिल्लें म्हण तो बरो जावन घरा आयलो. पूण ताचें आदलें रूप शेणिल्लो. वांकडी-तिकडी कूड ताच्या वांट्याक आयिल्ली.

आतां जुजे कायतानाचें तें रूप पळोवन व्हंकलेन काजार जावपाक न्हंयकार दिलो. मावशेन जायती मध्यस्ती केली पूण त्या पांगळ्या कडेन आपूण काजार जायना असें तिणें स्पश्टच सांगलें. मुखार दुसरें कोणूच चेडूं ताचे कडेन काजार जावंक तयार जालेंना.

जुजे कायतानाचे काजाराचे आंवडे काळजांतच उरले. मागीर तो दुसऱ्यांच्या काजाराच्यो खबरो करून आपले ते आंवडे भागोवंक लागलो. गांवच्या चडशा लोकांक ताची ही काजाराची गजाल खबर आशिल्ल्यान, ताच्या ‘‘काजाराचे धवळे’’ करपाचे संवयेक कोण वायटार घेनाशिल्लो. वयल्यान ‘‘बाबडो आपली उमेद भागयता’’ अशें म्हणून हांसताले.

भुरगेपणांत भावान आपल्याक सांबाळ्ळो हाचो उगडास दवरून जुजे कायतानाच्या धाकट्या भावान ताका निमाणें मेरेन पळयलो, तरी जुजे कायतानाक दिसतालें आपणें भावाचेर पडून खावचें न्ही! आनी ताकाच लागून जीव मातसो बरो जातकच ताणें एक सायकल घेतली आनी म्हाप्रयत्नांनी आपल्या वांकड्या पांयांचेर भार सांबाळून ती तो चलोवंक शिकलो आनी मागीर, ते सायकलीच्या आशेन्ताचेर (सिटाचेर) पाटें लावन नुस्तें विकपाचें काम करूंक लागलो.

फुडें हें नुस्तें विकपाचें काम ताच्या पोटाचें साधन कमी आनी विरंगुळ्याचें साधन अदीक जालें. कारण नुस्तें विकपाक गेल्ले कडेन ताका गांवांतल्या चेड्या-चेडवांच्या मोगाच्यो आनी लग्न-काजाराच्यो खबरी कळूंक लागल्यो आनी त्यो ताका चघळपाची आलायती संदय मेळूंक लागली.

जुजे कायतानाची सायकल हो गांवच्या भुरग्यांचो आजय एक मजेचो विशय आसा. त्या तेपार खंय सायकल घेतकच तिचें लायसन्स काडपाची गरज आसताली. हाणें तें काडलेंना. एका दिसा ताका पुलिसांनी धरलो आनी फायन घातली. ही खबर गांवच्या भुरग्यांक कळ्ळी. पयलींच ताच्या काजाराच्या

खबरींक लागून तो भुरग्यांच्या फकांडांचो विशय जाल्लो, आतां भुरग्यांक आनीक एक निमित्य मेळ्ळें. ते ताका दिश्टी पडलो रे पडलो, ''लिशेंस!'' म्हणून उलो मारून चाळोवंक लागले.

जुजे कायतान भुरग्यांनी 'लिशेंस' म्हणलें तसो सामको खुबळटालो. तांच्या आवय-बापायचो उद्धार करतालो. हाताक मेळटा ते फातर शेंवटितालो. नुस्त्याचें पाटें वाटेरच सांडून तांच्या फाटल्यान लागतालो.

जाणट्यांनी शिटकावन पसून गांवच्या भुरग्यांनी ताका चाळोवपाचें कशेंच बंद केलेंना. अखेर मेरेन ताचें आनी गांवच्या भुरग्यांचें हें 'वाक्‌युद्ध' चालूच आशिल्लें.

आयज जुजे कायतान ह्या जगांत ना पूण आजूनय गांवांत कोणूय भुरगो नवी सायकल घेवन चलयतना दिसलो जाल्यार बाकीचे ताका हांसत विचारतात, ''लिशेंस काडलां मरे?''

□

7.
यमनें आज्जी

तिचें नांव 'यमनें' पूण तिका गांवांत आनी आशीकुशीक सगळीं जाणां 'आज्जी' म्हण्टालीं. म्हज्या दोळ्यां मुखार तिचें जें चित्र उबें रावता त्या चित्रांत ती आमगेल्या आंगणांत पणसा मुळांत सांवळेक बसताली आनी आईन आंगणांत सुकत घाल्लें भात, गोंडें, खारें, मिरसांगो, पापड बी

राखताली. तिच्यान परत परत उठूंक-भोवूंक जायना म्हुणून ती हातांत एक लांब बडी घेताली आनी बसल्या थंयच्च्यानच ती बडी हालयत, तोंडान "हार्त! हार्त! मोरो ऽऽ मेल्लो! पाड पडलें हेचें! वुंवाळून वच रे!" अशें म्हणत सुकत घाल्ल्याचेर झोपोय घालपी, कावळ्यांक, कुकडांक, कुत्र्यांक, माजरांक बी धांवडायताली.

ते आदीं खंय मात्शी जिवान धड-धाकट आसतना म्हाका आनी म्हज्या फाटल्या दोगांय भावांक तिणें 'पळयल्यात', म्हणजे आई घरांत काम करतना आमचेर लक्ष दवरलां. ह्या शिवाय आईक आसडून-वेंचून बी दिलां. ह्या कामा बदला आज्जेन केन्ना पयशे घेतले नात, फकत दोन गोटे ती जेवल्या.

म्हज्या आईच्या सभावाक लागून आज्जी आमगेरच चड आसताली तरी, गांवांतल्या हेर बायलांकय ती कामाच्या दिसांनी आपल्याच्यान जाता ते प्रमाण आदार करताली. बदलाक दोन गोटे जेवताली. आज्जेच्या जिविताची वर्सां अशींच गांवांतल्या बायलांक आदार करूंक सरिल्लीं.

आई सांगताली, आज्जेचें खंय पयसुल्ल्या गांवांत बरें घर-दार आशिल्लें. शेत-भात आशिल्लें. पूण तिच्या नशिबान घात घेतलो. तिचो भुरगो चार वर्सांचो आसतना, तिचो घोव कोणा शेजाऱ्यांलें घर शिंवूंक गेल्ले कडेन पांय निसरून वयल्यान पडून मेलो, तेन्ना 'परत्या पांयांची' म्हुणून मांय-मांवान तिका घरांतल्यान धांवडायली.

भुरग्याक बरोबर व्हरूंक तिका तीं दिनाशिल्लीं, तेन्ना रातयांत सगळीं जाणां न्हिदिल्लीं आसतना, ताका हांडीर मारून तिणें गांव सोडलो. तिका एक धाकली भयण आशिल्ली, पूण तिगेर गेल्यार आपलीं घरची थंय सोदीत येवन भुरग्याक घेवन वचत म्हणून ती थंयूय गेलीना.

आमच्या गांवची एक मडवळण आज्जेच्या गांवांत मडवळकेक वताली. आज्जेची तिचे कडेन मात्शी दाटी आशिल्ली. तिचो माग काडीत ती आमगेल्या

गांवांत आयली. तिणेंय इश्टागतीक पाळो दिलो, आपूण ज्या भाटांत रावता त्या भाटकाराक सांगून आपल्या घरा कुशीक आज्जेक खोप बांदून रावंक जागो घेवन दिलो (फुकट).

आज्जी गांवांत आयली तेन्ना तरणी आशिल्ली. भरिल्ल्या आंगाची, गोरी- धवी, पूण आज्जी गांवांत मर्यादेन रावली. शेतां-भाताच्या वावराक वचून आपलें आनी पुताचें पोट भरूंक लागली.

वर्सां गेलीं, आज्जी गांवचीच एक जाली, कोणाक ती आमच्या गांवची न्ही हाची याद लेगीत उरलीना.

आज्जीय आतां आपूण गांवची एक वांगडी हे भावनेन वागूंक लागली. शारांतल्यान आयिल्ले गांवचे सुनेक 'गोल न्हेसल्या' म्हण वा 'मोडवो पोलको' घातला म्हण अधिकारान तापोवंक लागली. ते सुनेनय तिका केन्ना परती जाप सांगलिना.

आज्जेक पट्ट करून कितेंय म्हणपाची इल्ली संवय आशिल्ली, पूण कोण तिचें वायटार घेनाशिल्लो, कारण अडी-अडचणीक कामाक उलो मारल्यार ती तांकां आदाराक धांवताली.

आज्जेचो पूत आतां लग्नाचो न्हवरो जाल्लो. तोवय कामा-धंद्याक वचून जोडूंक लागिल्लो. जाण्टे-म्हालगडे आतां तिका येतना वतना विचारूंक लागिल्ले, ''पुताक लग्न करना गे?...पेजेक आदार हाडना!''

आज्जेच्याय मनांत पुताक लग्न करपाचें जाल्लें. तिणें वावर-धंद्याक वचून चार पयशे गांठीक बांदिल्ले. घरा-खोपटाचेर आतां नळे चडोवचे आनी रोखडीच पुताक माळ घालची अशें तिणें मनांत थारायिल्लें.

पूण थारायिल्लें तशेंच घडप आज्जेच्या दैवांत नाशिल्लें. ताणें एक वेगळोच खेळ रचिल्लो. कोणाचे तरी मळणेक गेल्ले कडेन आज्जेच्या पुताक सोरोप चांबलो आनी हाता-तोंडा कडेन पाविल्लो आज्जेचो पूत काळान व्हेलो.

पुताची खबर कानार पडटाच आज्जेन व्हडली हांबेर घालून हड्डें बडयलें. आज्जेबरोबर आख्खो गांव रडलो.

गांवच्यांनी आज्जेक ह्या वायटाच्या काळार खूब सांबाळ्ळी, तरी तिचें दुख्ख तिकाच पचोवपाक जाय आशिल्लें. हळू हळू मन घट करून आज्जेन तेंवूय केलें.

पूत वतकच कामा-धंद्याक वचपाची आज्जेची वान्सा गेली, ती कोणालेय पडवेर वचून बसूंक लागली. दनपारच्या जेवणाच्या वेळार ती येतकच तिका त्या घरांतलीं वाडूंक लागलीं, पूण आज्जेक फुकट कोणाचें जेवप पटलेंना. ती हळू हळू तांच्या कसल्याय कामांत हात-बोट घालूंक लागली. ल्हान भुरगें आसल्यार ताका खेळोवंक-पळोवंक लागली. करतां करतां अशें जालें, कोणाय आवयक भुरग्याक पळोवपाची-सांबाळपाची अडचण आसल्यार तिणें आज्जेक आपोवचें.

आमगेर आईक आज्जी ह्याच कारणाक लागून लागीं जाल्ली. आमी ल्हान आसतना आमकां सांबाळून घरांतलें काम करप आईक अडचणीचें जातालें, देखून तिणें आज्जेक आमगेर आपोवंक सुरवात केली. करतां करतां ती आमगेल्या घरची एक वांगडीच कशी जाली.

निमाण्या वर्सांनी ती दीसभर आमगेरूच आसताली, फकत न्हिदूंक तितकी आपले खोपींत वताली.

आज्जेली भयणय केन्ना केन्ना तिचे खबरीक येवन वताली. तिणें घोवालें घर सोडटकच बऱ्याच वर्सांनी तिचो थाव तिका लागिल्लो. तेन्नाच्यान ती अदीं मदीं भयणीचे खबरीक येवन वताली. आज्जी आमगेर आसता म्हणटकच तिवूय आमगेर येताली. म्हजी आई आज्जेक बरी करता तें पळोवन हुस्क्या विरयत आपल्या घरा वताली.

आज्जी गेली तेन्ना ऐंशीं वर्सांची तरी तिची पिराय आसतली. निमाण्या दिसांनी ती सामकी हांथुणाक लागिल्ली. तिचा हाता-पांयांच्यो काती लांबताल्यो.

म्हजे आईन निमाणे मेरेन आज्जेक अन्न-वखद पावयलें. तिचो गू-मूत मात ते मडवळणीच्या भुरग्यांनी काडलो. स्वतागेर भुरगें नासलें तरी गांवान आज्जेक वाऱ्यार वडयलीना. तिचें वेवस्थीक मरण केलें. गांवांतले मसण्णेंतच तिची कूड मातयेक लायली.

आज्जी खूब दुयेंत आशिल्ली तेन्ना हांव आई बरोबर तिका पळोवंक वतालें. तिच्यान उलोवंक जायनाशिल्लें तरी ती आपल्या निस्तेज दोळ्यांनी आई कडेन बुकू बुकू पळोवन दुकां गळयताली. हात वयर करून 'बरीं करून रावात' असो वोंठ हालयत आशिर्वाद दिताली.

आमकांच न्हय तर खबरीक येवपी दर एकाक आज्जेन तसोच आशिर्वाद दिल्लो आसूंक जाय, कारण मरत्या खिणा मेरेन तिच्या काळजांत आमच्या गांवां विशीं कृतज्ञताय आशिल्ली.

आज्जेचे खोपीचे अवशेश हालीं मेरेन गांवांत आशिल्ले.

□

४.

पाल

बाकीबाबाच्या 'पात्रिस' रेंदेराक सगळे साहित्य मोगी वळखतात. आमच्याय गांवांत पात्रिसा सारको गोंयचे मातयेच्या परमळाचीं कवनां रचपी एक कवी आशिल्लो, तो वेवसायान रेंदेर नाशिल्लो, पूण रेब्यांत–मातयेंत दीसभर घोळपी गोंयचो कुळावी, कुळंबी आशिल्लो. ताचें पुराय नांव

पालासीन, पूण गांवांत ताका 'पाल' म्हणटाले. तो असोच चलतां चलतां कवनां घडयतालो. इल्लें 'कोपाचें' घेतलें म्हणटकच तो सामको 'कोमार' येतालो, मागीर ताच्या कवनांक भार चडटालो. कवनां करूंक ताका अमूक असो विशय लागनाशिल्लो, दिसता ताचेर तो कवनां घडयतालो. कोमार आयिल्लो आसतना, ताच्या म्हऱ्यांतल्यान जर कोणूय तरणी बायल मनीस पासार जाली तर ताका तिका 'येडावपाची' कूय येताली मागीर तो तिचेर इल्लें पोजडें दिसपी कवन घडोवन म्हणटालो आनी आपूणच 'खी खी' करून हांसतालो.

"मुंबयसान XXX येयलां,
तेणें आपोल हाडल्यात बोरे"

वा

तिच्या घोवाचें आनी तिचें नांव घेवन,

"XXX कोंबो कुकूच कू करता,
XXX कोंबयेक मोग करया म्हण आपयता"

हीं ताचीं सुमार वीस वर्सां आदीं आयकल्लीं दोन कवनां म्हाका आजय याद जातात. तीं आयकताच बायलो खुबताल्यो, ताका 'बायजुवान' 'बायजण' म्हण गाळी घालताल्यो, तो मागीर इल्लें चडूच करतालो. तांचें नांव घेवन *"आगे XXXल्या कोंबये, तुगेलो XXX(घोवाचें नांव) गेलो तारवार, तूं कशी जाली गुरवार?"* म्हण तांकां चाळयत रस्त्योभर नाचतालो. मागीर बायलो "पाड पडूं मेल्ल्याचें!" म्हणत आपूणच थंयच्यान सटकताल्यो.

पाल बायलांक पळोवन हरशीं असलीं वात्रटपणां करतालो तरी 'इंत्रूज-संज्यावाक' मात ताच्या आंगांतल्या खऱ्या कवनकाराचें दर्शन घडटालें. सरभोवंतणच्या साद्या-साद्या विशयांचेर पूण मार्मीक, आशयपूर्ण अशीं, गोंयच्या नीज संगिताची झालर लायिल्लीं कितकीं तरी कवनां तो म्हणटना हांवें आयकल्लीं आसात. त्या वेळार ताचीं तीं कवनां बरोवन दवरपाचें

म्हाका सुचलें ना, वा म्हत्व कळ्ळें ना. कळिल्लें जाल्यार लोकसंगिताचो वसो आशिल्ल्या, एका वेगळ्या साहित्य प्रकाराची भर कोंकणी साहित्यांत पडटली आशिल्ली.

पाल गांवच्या सगळ्या बायलांची फकांडां मारतालो, पूण म्हजे आई कडेन मात अदबीन वागतालो. तिणें एक धेंकणो घातलो जाल्यार मुकाट्यांनी मान सकयल घालून वतालो. म्हजे आईचें व्यक्तीमत्व आशिल्लेंच भारदस्त, ताका लागून गांवचीं नेण्टीं-जाण्टीं तिका खूब मान दितालीं. पालय तिका मान दितालो, 'कोमार' नासतना तर तो तिचे कडेन "हय व्होनीबाय", "बरें व्होनीबाय" करून एखादऱ्या आज्ञाधारक विद्यार्थ्यान वागचें तसो वागतालो.

पाल आईक बाडगता हें गांवच्यो बायलो जाणा आशिल्ल्यो, देखून पाल तांचे वाटेक वतकच तीं आईक उलो करतालीं. आमचें घर रस्त्या कुशीकच आशिल्ल्यान आई मागीर भायर येवन पालाक "वोगी वाटेन वचूंक जायना रे!" म्हण धेंकणो घालताली. तसो पाल मान सकयल घालून मुकाट्यांनी वतालो. केन्ना केन्ना मोन्यानी वतना तोंडार बोट दवरून, भिल्ल्याचें नाटक करून दाखयत तो वतालो, तें पळोवन मागीर रागार जाल्ल्या बायलांकय हांसूंक येतालें.

पालाची बायल ऐन जुवानपणांत 'दिसांच्या जोराचें' (टायफॉड) निमित्य जावन मेल्ली. तिचे फाटल्यान ताणें दुसरें काजार केलें ना वा तो कोणाय बायलेच्या नादांत पडलोना. ताका लागून ताची बायले विशींची आसक्ती अतृप्त उरल्या, देखून तो सोरो पितकच बायलांक पळोवन चळिल्ले सारको वागता अशें गांवांत लोक ताचे विशीं उलयताले.

पालाक आमच्याच न्ही तर शेजारच्या चार गांवांत लोक वळखताले ते दोन गजालींक लागून, एक ताची 'कवनां', दुसरे ताचे 'भेंडे'.

आमच्या घरा कडल्यान बाजारांत वचपाचे वाटेर पालाचें शेत आशिल्लें,

पावसांत तो तें शेत रोयतालो, गिमांत त्या जाग्यार मिरसांगो रोयतालो. ह्याच बरोबर ताचो एक आंखिल्लो जागो आशिल्लो त्या जाग्यार तो पावसा-गिमांत पोरसूं रोयतालो. पोरसांत तो तवशीं-घोसाळीं, दुदी बी शाकभाजी रोयतालो खरो, पूण ताचें मुखेल रोवप आसताले भेंडे. ह्या भेंड्यांक लागून तो सामको लोकां मदीं फामाद आशिल्ले. पालाले गांवठी-शिरांचे भेंडे लोक उडयो पडून घेताले. मातयेचो गूण आसत घडये पूण ते आसतालेय रुच्चीक! हरशीं वात्रटपणां केलीं तरी तो धंद्या कडेन फटींगपणा करनाशिल्लो. केन्ना तन्ने वा बरे आसात म्हण सांगून जून वा किडिल्ले भेंडे वा हेर शाक-भाजी लोकांक विकनाशिल्लो.

पालालें भेंड्याचें पोरसूं रस्त्याकुशीकच आशिल्लें. वांटकुळ्याच आकाराचें, बरे खूंट घालून, गच्च ताटो लावन तो वंय करतालो. ते वंयेतल्यान हळडुवींच फुलां आंगार घेतिल्लीं, वेत वेत येद्या लांबायेचे भेंडे लांबतलीं, भेंड्यांचीं झोपां पळोवन येतल्या-वतल्याची नदर ते वंयेर वताली. पूण हाडांचो चोरूय ते भेंडे चोरून काडूंक वचनाशिल्लो. एक तर रात-दीस पाल त्या पोरसांतच आसतालो, (अशें लोक समजताले, कारण त्या झोपांमदीं तो आसा काय ना हेंच कळनाशिल्लें) दुसरें 'पालाक त्या जाग्याचो 'वाठारो' (देवचार) वश आसा, म्हुणून तागेले भेंडे इतके रसरसून जातात, ते चोरल्यार वाठारो धरतले' असो समज गांवांत आशिल्लो.

पालाक दोन धुवो आशिल्ल्यो, तातुंतली एक आजुनूय आसा. तांचीं काजारां जायसर तो रातचो घरा न्हिदूंक वतालो. उपरांत ताणें आपल्या भेंड्या कडेनच एक खोप बांदली आनी तो थंयच रावूंक लागलो. केन्नाय अदीं-मदीं तो गांवांत आपल्या घरा कडेन वतालो. घरा कडेन ताचें एक आंबाड्याचें झाड, एक म्हसींग, एक तेफळ अशीं झाडां आशिल्लीं. तांकां फळां लागलीं म्हणटकच तो तिंवूय काडून बाजारांत व्हरून विकतालो.

पालालें घर गांवचे पश्चिमेच्या तोंकाक, तर ताचें पोरसूं गांवचे पुर्वेचे

शिमेक. दिसाक उणेंच तें दोनदां, तो हे शिमे वयल्यान ते शिमेचेर यो-वच करतालो. लांब-शिवट आंगलोटीचो, काळे-सांवळे कातीचो पाल पावस-गिमांत आंगार फकत एक तांबड्या लेंसाची काश्टी न्हेसतालो. गळ्यांत देवाचें बेतीन. पावसाच्या दिसांनी ताच्या माथ्यार एक कांबळीची खोळ दिसताली. सदांच ताचे कमराचे मुंजीक एक कोयतूल हुमकळायिल्लें आसतालें. फेस्ताक आनी बाजाराक बी वचपाच्या वेळार मात तो आंगार एक बानियन आनी मोडवें कालसांव घालतालो. केन्नाय पळोवं, ताच्या माथ्यार एक तर पेजेचो बुडकुलो ना तर भाजयेचो, शेणा-गोबराचो पाटलो तरी आसतालो.

गांवच्या शिगम्या-इंत्रुजाक मात पालाचो आगळो झेत आसतालो. इंत्रुजा-शिगम्याक मेळा बरोबर धोल घेवन भोंवपाचें काम वर्सां संकींनी पालाच्या घराण्या कडेन आशिल्लें. पालाक तो आपलो व्हडलो मानच दिसतालो. तो हड्डें फुडें काडून फाटीक धोल लावन मेळा बरोबर घरा-घरा कडेन भोंवतालो. त्या दिसा ताका कोणेंय ''ओ पाल'' म्हण उलो केल्यार तो रोकडोच म्हणटालो, ''पाल कितें म्हुटाय रे म्हाका? ... पालतिवो म्हुणाय!''

आमच्या गांवांत पुर्विल्ल्या काळार साकून सांस्कृतीक एकवट आसा. गांवांत इंत्रुजाचो मेळ आदीं हिंदूंचीं घरां भोंवता, मागीर क्रिस्तांवांच्या घरा कडेन वता (ह्या तीन वर्सांत इंत्रुजाचो मेळ बंद जाला, पण आतां सांताक्लॉज येता). हिंदूंच्या घरा कडेन तांकां 'तळी' दितात. जाल्यार हिंदूंचो शिगम्याचो मेळ 'क्रिस्तांवांची घरा' खेळून विसर्जन पावता. ह्याच धार्मिक एकवटांतल्यान पाल क्रिस्तांव आसलो तरी हिंदूंच्या मेळा बरोबर धोल व्हांवोंक ताका गांवच्यांनी घेतिल्लो. हरशीं कोमार येतकच पाल बायलांचीं फकांडां करूं, पूण मेळा बरोबर आसतना तो आपूण 'त्या गांवचोच न्ही' अशे तरेन वागतालो.

पाल ह्या संवसारांतल्यान गेल्यार धायेक वर्सां जातलीं. म्हज्या अंदाजा

प्रमाण तो तेन्ना पासश्ट वर्सांचो बी आसूंक जाय. मरच्या एक चार-पांच वर्सां आदीं ताची कामा-धंद्या वयली वान्साच गेल्ली. ताच्या तोंडांतलीं कवनां-गितां शेणिल्लीं. मात ताचे भेंडे तितले रुजताले, जशे काय ते ताच्या दुख्खा-सुखाचे सांगाती!

पालाची तीन भुरग्यांची आवय आशिल्ली आनी ताका मायेक धांवन येवपी ताची धूव 'इरमीन' शेतांत गोरवां खातीर तण काडूंक गेल्लेकडेन 'व्हडल्यान' चाबून, भरिल्ल्या संवसारांतल्यान उठून गेली.

धुवेच्या मरणाचें दुख्ख पालाक पचोवंक सामकें कठीण गेलें. तो कुडीन-मनान हाल्लो. वयामानान एकदम बागवलो. दीस-रात बाटलीच घेवन भोवूंक लागलो.

ह्या काळांत पाल आमगेर खूब येतालो. म्हज्या 'सी मॅन' आशिल्ल्या भावाक पालाची खूब व्होडवीक. हो भाव ल्हान आसतना इंत्रुजाच्या मेळाक, संज्यावाक बी नाचपाक वतालो तेन्ना पाल ताचें खूब कवतूक करतालो, ताका गीतां-कातारां बी शिकयतालो. ही याद ताच्या काळजांत घट आशिल्ली.

पाल धुवेच्या दुख्खान सतर-वितर जातकच तर भाव ताका चडच बरो करूंक लागलो. दनपारचो बी रस्त्यान वतना दिसल्यार ताका आपोवन हाडून जेवोवन धाडूंक लागलो. निमाणें... निमाणें तर पालूच ताका सोदीत आमगेर येवंक लागलो. ताचे कडेन पयशे बी मागूंक लागलो. "कोपाचें मारनाका हा!" अशी ताकीद दिवन भाव ताका पयशे दितालो पूण तो आनी आमी, सगळींच जाणा आशिल्लीं, त्या पयशांनी पाल 'कोपच' घेतलो म्हुणून.

एक दिसा भाव बोटी वयल्यान येतकच पाल सक्काळीं येवन आमगेर बसलो आनी म्हणूंक लागलो, "म्हाका तुगेल्या स्कुटराचेर बसोवन कोठंबी तळ्यार व्होर्न सोड रे! तुका बरे राजकोंगे हाण्ण दितां!"

भावान म्हणलें, "हेट्ट! मरूंक आयला रे! उदकांत बुडलो बी जाल्यार!

म्हाका नाकात कोंगे!''

पूण पाल कसोच आयकना जालो. सकाळीं आयिल्लो तो दनपार मेरेन सोप्याचेर घट्ट बसून रावलो. मागीर नाईलाजान भाव ताका तळ्या कडेन घेवन गेलो. पालान एक व्हडली पोती भरून कोंगे काडून दिले. लिंबा येदे मोट्ठे ते काळे कोंगे. हांवें ते आदी तसले कोंगे केन्नाच पळोवंक नाशिल्ले. आमच्या गांवांत शेतांत मेळटाले ते इल्लेशे बोरायेदे हळडुवसार कोंगे. पालान 'तळ्यार' म्हणिल्लें, पूण ते तळ्यांतल्यान काडिल्ले काय तळ्या भोवंतणच्या शेतांतल्यान, तें तेन्ना हांवें कांय विचारलें ना.

पालाचीं एक चार घरां गांवांत आशिल्लीं, जातूंत आमचेंय एक घर आशिल्लें, जांकां तो दर वर्सा न चुकता चवथीक 'देवाक' म्हणून इल्लीशी तरी शाक-भाजी आनी दिवाळेक 'करमीक' म्हणून चार आंबाडे व्हरून दितालो.

पाल गेलो त्या वर्सा दिवाळेक पालाक कोणाकच आंबाडे दिवंक मेळ्ळेनात. पाल शितीदांत ना अशें समजून गांवच्या कोणा तरी उनाडग्यान ताच्या आंबाड्याचे सगळे आंबाडे काडून बाजारांत व्हरून विकले.

आंबाडे दिवंक मेळ्ळेनात हाचें पालाक खूब्ब दुख्ख जालें. आमगेर येवन, ''अंदू तुमकां करमीक आंबाडे दिवंक मेळ्ळेनात गो! पाडपोडों! कोणें चोरान पाडून व्हयले!'' अशें म्हुणून ताणें दोळ्यांत दुकां काडलीं.

''आसूं रे, एका वर्सा दिना जाल्यार कितें जालें? फुडले दिवाळेक दी!'' हांवें सांगलें, पूण फुडले दिवाळेक दिवपाक पाल ह्या संवसारांत रावलो ना!

म्हाका घट याद आसा, दिवाळी जावन रोकडेंच नावेलेचें फेस्त येता. त्या फेस्ता दिसा आमी सगळीं मावशेच्या चलयेच्या लग्नाक म्हापश्यां गेल्लीं. येता म्हणल्यार रात जाल्ली. सी मॅन भावच ताची सुमो गाडी चलयतालो. रावणफोंडाचेर पावताच रस्त्यार गर्दी दिसली. ट्रॅफीक जॅम

जाल्लें. गाडी थारावन भाव कितें घडलां तें पळोवंक गर्देकडेन गेलो तर ताका पाल सोरो पिवन खूब जाम जावन रस्त्यार पडला आनी लोक पुलीशेक आपोवपाक पळयतात तें दिसलें.

भावान मागीर पालाक उबारून सुमोच्या फाटल्यान घातलो. ताचे कडेन मोडीच्या पयशांची येद्दी पोटली आशिल्ली. एक दांडो आशिल्लो. तें सगळें सामान गाडयेंत घातलें. पालाक तसो मात्सो शितीद आशिल्लो. तो सोरो पिला म्हुणून भावान ताका बरोच तापयलो. त्यावूय स्थितींत "आनी केन्ना पियेचो ना रे! आयज निमणें!" म्हुणून पालान भावाक उतर दिलें, आनी तें फुडें पाळ्ळें. कारण तेनंतर पाल सोरो पिवंक आनी वाचलोच ना.

ते दिसा पाल नावेलीच्या फेस्ताक भीक मागूंक गेल्लो. आयज तशी चाल आसा काय म्हण खबर ना, कारण हालींच्या कांय वर्सांनी हांव जात्रां-फेस्तांक पावलेंच ना. पूण कांय वर्सां आदीं जात्रां-फेस्तांनी गरीब कोण नाशिल्ल्या जाणट्यांनी वचून भीक मागपाची चाल आशिल्ली. भिकारी बसपाचो एक जागोच आसतालो. लोक मुद्दाम वचून दान-धर्म करपाच्या हावेसान तांकां 'भीक' वाडटाले.

पाल त्या वर्सा भीक मागूंक थंय गेल्लो. मेळिल्ल्या थोड्या पयशांनी ताणें जाय तशें कोपाचें मारलें आनी आडवाटेन चलत घरा येवंक आयलो, वाटेर जाम जावन पडलो. भावान पालाक व्हरून ताच्या जांवयाच्या सुवादीन केलो.

ते दिसा पिल्लो सोरो पालाक पचलोना. तो जाम जावन न्हिदिल्लो तो आठ दीस मेरेन हांथुणारूच उरलो, आनी मागीर उठून ह्या संवसारांतल्यान गेलो.

पाल गेलो पूण आमच्या गांवांत तो भेंडे रोयतालो तो जागो जणू ताचें स्मारक जावन उरलां. त्या जाग्याक लोक आतां 'पालाचे भेंडे' ह्या नांवान वळखतात.

□

९.
यमनें मावशी

फाटल्या शेनवारा हांव सकाळीं उठून पोरसांत गेल्लें. हांगा-थंयचीं झाडां नियाळटां नियाळटां पेरी झाडा कडेन पावलें, जाल्यार पेरी झाडाचेर आंगभर बळिल्ली कारांद्याची वाल म्हजे नदरेक पडली. ल्हान-मोठ्या कुचकुचीत कारांद्यांनी भरिल्ली. हांव तशेंच मुखार गेलें तर दुर्गाच्या एका

कोनशाक आशिल्ल्या आंबाड्याक वेटाळो घालून वयर चडिल्ले चिर्क्याचे वालीचेर इल्ल्यो इल्ल्यो बोटभर 'चानयो' (वालीक वयर जावपी मुणल्यो) आंगभर लांबतना दिसल्यो. हांव बऱ्याच दिसांनी पोरसांत पाविल्लें. मिर्गार कारांद्या-चिर्क्याच्या मुणल्यांक कोंब सुटिल्ले ते पळयिल्ले, पूण ते नंतर हांव मागीलदाराच्या पोरसांत भोवंक पावलेंच ना. सुमार तीन म्हयन्यानी आयज पाविल्लें.

ते काळे काळे कारांदे आनी मातये रंगाच्यो चानयो पळोवन, म्हज्या काळजांत मावशेची याद दाटून आयली. दर वर्सा हें अशेंच घडटा. पावसांत कारांद्याच्यो आनी चिर्क्याच्यो मुणल्यो आपले आपूण किल्लून वयर येतात. तांकां बेल सुट्टात. त्यो वाडटात, बळावतात, इल्ल्या इल्ल्या चिर्क्या-कारांद्यांनी भरतात आनी मागीर तांकां पळोवन हांव आनी म्हजो व्हडलो भाव मावशेची याद काडटात. सुमार वीस वर्सां आदीं मावशेन आपल्या घरच्यान कारांद्या- चिर्क्याच्यो मुणल्यो हाडून, आपल्या हातान आमगेल्या पोरसांत रोयिल्ल्यो. सुरवेक गिमांत त्यो खणप, नव्यान रोवप बी आई करताली, म्हणचे कोणा कडल्यानय करून घेताली. उपरांत ती गेली. तिचे फाटल्यान आमचें कांय असल्या गजालींचेर लक्ष उरलें ना, तरी मावशेच्या पडवळ्या वाली सारक्यो ह्यो वाली फाटल्या पंदरा-सोळा वर्सा सावन आपले आपूण आमगेल्या पोरसांत किल्लून येतात आनी मावशेची याद काळजांत जागयतात.

'मावशी' ही रगतान नात्यान आमची कोण न्ही, तिचे कडेन आशिल्लें तें, आमचें आपलेपणाचें नातें. त्या नात्यान ती म्हजे आवयक आपली धूव मानताली आनी म्हाका आनी म्हज्या भावांक आपलीं नातरां. आमच्या गांवांतले 'यमनें आज्जेची' ती भयण. ताका लागून आमच्या गांवचो लोक तिका 'मावशी' म्हण उलो करतालो. म्हजी आवयूय तिका 'मावशी' म्हणटाली. आमचे खातीर ती आज्जी सोबपाच्या वयाच्या आसली तरी

तिका सगळींच जाणा 'मावशी' म्हणटात तें पळोवन, हांव आनी म्हजे भावय त्याच नांवांन उलो करूंक लागले.

मावशी सांग्या वयल्या कुमारी गांवची. तो तिचो लग्ना उपरांतचो गांव. पूण तिच्या बापायचो गांव खंयचो, हें तिका खबरूच नाशिल्लें. एका दिसा तिका हांवें ते विशीं विचारिल्लें, तर ती म्हणूंक लागली, ''कोण जाणा गो बाये. बापायचो गांव खंय म्हुणोन! मत येयी साकोन त्याच गांवांत आसा! केन्ना कोण आवयूय येयलीना आनी बापूयय येयलो ना व्हरोंक!.... तुमच्या गांवांत पावलेले हे भयणीकय काय याद ना बाये! भुरगेपणांत एका दिसा मांयीक इचारलेलें बाये हाये, म्हाजो आवय-बापूय खंय आसता काय म्हुणोन, तर तिणें घातली एक कमरार खोंट आनी म्हणलें, 'रांडग्याक पोसून आमी व्हड केलें आनी आवय-बापूय येवजता!' त्या दिसा साकून बाये केन्ना हायें परत कोणाक आवय-बापायची खबर इचारली ना.''

मावशेचें नांव 'यमनें' आशिल्लें. दोगांय भयणीचें एकूच नांव पळोवन म्हाका विचित्र दिसतालें. पूण तें तिका घोवा घरच्यांनी लग्नांत दवरिल्लें नांव आशिल्लें, आनी योगायोगान दोगांय भयणींक एकूच नांव पडिल्लें. मावशी म्हणल्यार जणूकाय 'मायेची मुर्तच.' तिचे सारकी मायेस्त, मोवाळ जाण्टेली हांवें आयजवेर गांवांत-भायर, सोयऱ्यां मदीं, परक्यां मदीं खंयच पळयल्ली ना. 'बाये... पुता', म्हणल्या बगर ती केन्ना उलयनाशिल्ली. कोणाकय कितेंय जालें म्हणल्यार ती रोकडीच कळवळटाली. तिणें तोंडान केन्ना कोणा खातीर, अपशब्द उलयिल्लो वा रागार जाल्ली हांवें पळयली ना. नाकाक शेंकलें, गळ्यांत पोवळ्यांच्यो आनी हेर मणयांच्यो सरयो. हाताक कांश्याचीं कांकणां. आंगार चड करून तांबश्या वा हळडुव्या कोराचें देठलेन न्हेशिल्लें कापड. कपलाक दोनूय घुमांमदीं (भुवयांमदीं) पाडिल्ली (गोंदिल्ली) निळी चिरी. लांबिल्ल्या काना पाळयांक खोट्यो वेडी. ती तशी जखखड म्हातारी नाशिल्ली. मेली तेन्ना सत्तर वर्सांची बी आसतली. सुमार वीस वर्सां तरी

तिचें आमगेर यो-वच चलतालें आसूंक जाय. म्हणजे म्हजे यादीक हांवें तिका पयलीं पळयली तेन्ना ती पन्नास वर्सांची आसतली. तरी पूण तेन्नाय तिच्या तोंडाक-हाताय मिरयो पडिल्ल्यो आशिल्ल्यो. ती केन्ना पांयांक जोतें घालनाशिल्ली. एकदां तिका म्हजे आवयन जोतें हाडून दिलें जाल्यार ती तें हातांत धरून घेवन चलत गेली.

केपें-सांगें वाठारांतल्या थळाव्या गांवकार-कुळंबी वा हेर भौसाच्या लोकां परस ती वेगळ्या हेळ्यान उलयताली. विचारल्यार 'आमी सतरकारां' म्हणचे मूळ सत्तरींतलीं, अशें तिणें म्हाका सांगिल्लें. त्या वेळार सत्तरींतल्या लोकां कडेन म्हजो संपर्क येवंक नाशिल्लो. उपरांत जेन्ना आयलो तेन्ना, तांच्या आनी मावशेच्या भाशेमदीं (हेळ्यां मदीं) आशिल्लें लागींपण म्हाका जाणवलें.

यमनें मावशेची भयण आज्जी, जाण्टेपणांत चडशी आमगेरूच उरताली आशिल्ल्यान, यमने मावशेचें आमगेर चड लागींपण जालें. ती भयणीगेर येतकच आमगेरूच उठ-बस करूंक लागली. एक वेळच्या तरी जेवणाक आई तिका आमगेर दवरून घेताली. आज्जेच्या जाण्टेपणांत आईन तिची केल्ली सेवा पळोवन, ''तूं बाये खरीच धूव तिची'' म्हुणून तिणें आईक वेंग मारिल्ली.

आज्जी वतकच, ''भयण गेली म्हुणून ह्या गांवाक- आमकां विसरनाका गे!'' आईन मावशेक सांगिल्लें, आनी ''ना गो बाये, जीव आसासर हो गांव म्हाज्यान इसरूंक जावंचोना'' अशें तिणें म्हणिल्लें. आनी खऱ्यांनीच जिती आसासर मावशी, भयणी फाटल्यान आमगेर येत रावली.

म्हाका आनी म्हज्या भावांक सुरवेक, म्हणल्यार आज्जी आसतना ती जेन्ना येताली तेन्ना तिची तितकीशी वोड नाशिल्ली, मागीर मात तिची आमकांय खूब वोड जाली. ती एक दोन म्हयने आमगेर पावलीना जाल्यार आमीच आईक म्हणटालीं, ''आई, मावशी बरी ना काय कितें गे? खूब

दीस जाले, आयलीना शी !'' मागीर एक तर आई तिचे खबरीक वचून येताली वा व्हडल्या भावाक तरी खबरीक धाडटाली.

मावशी आयली म्हणटकच आमकां खूब उमेद जाताली. हांव तर तिच्याच म्हऱ्यांत न्हिंदतालें. ती म्हाका खाक्यांत घेवन मायेन माथ्या वेल्यान हात भोवंडायताली. म्हजी आज्जी खूब पयलीं, म्हणजे म्हजो बापूय दोन वर्सांचो आसतना मेल्ली. पूण तिची आवय, म्हणजे म्हजी पणजी हांव कॉलेजींत वता मेरेन आशिल्ली. तिणेंच म्हज्या बापायक ल्हान-व्हड केल्लो. पूण तिचें आनी म्हजे आवयचें पटनाशिल्लें. पणजी ल्हान ल्हान गजालींक लागून आवय कडेन झगडीं करताली. तिका खेपताली. ताका लागून आमकां भुरग्यांकय तिचो राग येतालो. आमी तिच्या चड लागीं वचनाशिल्लीं. आमच्या काळजांत आज्जेचो जागो रितो आशिल्लो. तो मावशेन भरून काडिल्लो.

मावशी येतकच आमकां आपल्या भुरगेपणांतल्यो, गांवांतल्यो, शेतां-भातांतल्यो काणयो सांगताली. खरें म्हणल्यार त्यो काणयो म्हणचे परस खबऱ्योच आसताल्यो. 'शेताचो राखणदार', 'दांड्यावेलो देंवचार', 'म्हारू-भूत' हांच्या नखलामीच्यो ती चड करून खबऱ्यो सांगताली. आमी त्यो तल्लीन जावन आयकतालीं. आमकां घरांत असल्यो काणयो कोण सांगनाशिल्लीं. मावशेच्या काणयां वयल्यान हांवें तर तिच्या गांवाचें एक चित्र मनांतल्या मनांत पितारून दवरिल्लें. 'काणयो', म्हणल्यार आयचे शास्त्रीय भाशेंत 'लोककाणयो' मात तिका चड कळनाशिल्ल्यो. 'सोनसावळें' आनी 'पडवळ्या काणी' अश्यो दोनूच काणयो तिका कळटाल्यो. त्योच भोवन-भोवन आमकां ती सांगताली.

मावशी आमगेर येतना केन्नाच खाली हातान येनाशिल्ली. पणसाची उकडीची भाकरी (धोणस), नाचण्याची भाकरी, तवसळी अशें कितें ना कितें खावंक करून हाडटाली. शिवाय आपणें पिकयिल्लो नासणो (गोंडो),

कुळीद, वरी, कारांदे- चिरके, कणगां हेंवूय हाडटाली.

"कित्याक इतकें हाडटा गे मावशे, विकल्यार तुका कितेंय खर्चाक मेळटलें!" आई तिका म्हणटाली. ताचेर ती हांसताली आनी म्हण्टाली. "इकल्यार पयशे मेळटले खरे गो बाये, पूण मनशां मेळटलीं?"

एकदां मावशेन 'आंबील' रांदून हाडली. आमी भुरग्यांनी ते आदीं केन्ना आंबील चाखली नाशिल्ली वा पळयिल्लीय नाशिल्ली. आंबील तोंडाक लावन आमी तोंड आंबट केलें. तशें आईन आमचेर दोळे मोट्टे केले. मागीर कडू वखद पिवचें तशी आमी आंबलीची वाटी रिती केल्ली.

मावशेक दोन धुवो आशिल्ल्यो. तांकां लग्न करून सांग्यारच दिल्ल्यो. व्हडली खात्या-पित्या घरांत पडिल्ली. धाकटेची अर्थीक स्थिती तेन्ना व्हडलीशी बरी नाशिल्ली. मावशेक तिची आनी तिच्या भुरग्यांची खूब चिंता आशिल्ली. मावशी केन्ना एकटी आमगेर येनाशिल्ली तिचे बरोबर एखाद्री नात वा नातू आसतालोच. तिच्यो धुवोय केन्ना केन्ना आवय बरोबर आमगेर येवन वताल्यो. धाकटे धुवेचें तर चड यो वच आशिल्लें.

मावशेचें वय वाडलें तशें तिगेलें आमगेर यो-वच उणें जालें. मजगती म्हजी आवयूय खूब दुयेंत पडली. तिचें हॉस्पिटल-दोतोर चालू जालें. बरोच काळ मेरेन मावशेची कांय खबर नाशिल्ली. आनी एका दिसा अकस्मात दनपार कडार धाकटे धुवेक सांगाताक घेवन मावशी आमगेर आयली. बरीच जाण्टी जाल्ली. तोंडा वेल्यो सुरकुत्यो चडूच दाट जाल्ल्यो. बरीच थकिल्ली.

तिका कोणाकडल्यान तरी म्हजी आवय खूब बरी ना म्हणपाची खबर कळिल्ली. तशी ती आपल्याच्यान जाण्टेपणाक लागून चड भोवूंक फिरूंक जायना तरी धांवत आईचे खबरीक आयिल्ली.

येवन तिणें आईक सांगलें, "बाये, दांड्याच्या देंवचाराक एक कोंबो दिता फाल्यां आयताराक, रोकडो गूण घालतलो तुका तो! कोंब्याचे पयशे दी तुज्या हातान!"

आईन तिका कितली समजायली, कोंबो मारून बरें जावपाचें आपलें दुयेंस न्ही, पूण मावशी कशीच आयकना जाली, मागीर आईन तिका पयशे दिले.

"तूं पयलीं सारकें खणखणींत बरें जातलें!" अशें परत परत सांगून ते दिसा मावशी गेली. ती आमगेर परत पावली ती आई वतकच. येवन तिणें व्हडल्यान हांबेर घातली. तिचे हांबेरीची आजय जेन्ना याद जाता, तेन्ना काळीज कातरता.

उपरांत मावशी एकदांच आमगेर येवन गेली. 'आवय नासलेल्या पोरांची खबर घेवन येता' अशें म्हुणून ती धाकटे धुवेक सांगाताक घेवन आयिल्ली. रावपाक तयार नाशिल्ली, तरी तिका हांवें दनपरां जेवोवन धाडली. रिक्षेन केप्यां व्हरून बसींत बसयली.

सुमार स म्हयन्यांनी मावशेन दुसऱ्या जगाची वाट धरली. तिचे धुवेन आमगेर रकाद धाडलो, पूण बरोच उसरां. तिचे कुडीचेर निमाणी नदर घालूंक मेळ्ळीना.

□

10.
मर्तें आका

पौष म्हयनो चालू आसा. गोंयच्या खांची-कोनशांतल्या गांवा-गांवांनी धालांचे मांड सारोवंक सुरू जाल्यात. चार दिसां आदीं आमच्याय गांवचो धालांचो मांड दवरला. रातचे गांवच्या बायलांनी आळयिल्ले धालो-गितांचे सूर आयकूंक येतात. पूण ह्या सुरांनी 'मर्तें आकाचो' आवाज ना

हाची मनाक रूखरूख लागता.

मर्तें आका गेल्यार सुमार स वर्सां जातलीं. ते आदीं एक वर्सभर तें दुयेंत आशिल्लें. दुखणें गंभीर स्वरुपाचें. हरशीं तें हांथुणाचेरूच पडून रावतालें, पूण त्या वर्सा नातीचो आदार घेवन तें मांडार येवन बसलें. कुडीचे त्रास विसरून फाटलीं- फुडलीं सगळीं गितां याद करून मांडार गायलीं आनी गांवच्या बायलांक सागंलें, ''फुडल्या वर्सा हांव आसचें ना गो मांडार तुमकां गाणी सांगूंक! तेन्ना आयज सांगल्यांत तीं सगळीं घट्ट यादीक दवरात आनी दर वर्सा गायात. जाय जाल्यार जयवंतीन (जयंतीन) बरोवन दवरलां तें पुस्तक घेयात आदाराक! पूण गाणी बारावंक नाकात, भयणींचो (रंभांचो) कोप जातलो!''

मर्तें आकान मरपाची भाशा उलयली तश्यो मांडार जमिल्ल्यो बायलो कळवळ्ळ्यो, म्हणूंक लागल्यो, ''कांय जायना गो तुका आका! तूं जातलें बरें आनी फुडल्या वर्सा तट्ट्टीत जावन मांडार उबें रावतलें!''

पूण बायलांनी म्हणलें म्हण मर्तें आकाचें मरण रावलां? तें येवन ताका म्हयन्या भितर घेवन गेलें आपल्या वांगडा! सांगाताक आमच्या गांवच्या धालामांडाचें रश्यूच घेवन गेलें.

मर्तें आका म्हणजे आमच्या गांवच्या लोकवेदाचें एक भांडारच आशिल्लें. लग्नांतल्यो होंवयो आनी धालो-फुगडी गावपाक आनी नाचपांत ताचो हात धरपी गांवांत कोणूच नाशिल्लो. ताचें कारणूय तशेंच आशिल्लें. एक म्हणजे ताका मुळांतच तांची गोडी- आवड आशिल्ली, शिवाय मर्तें आका ही आमगेल्या गांवची धूव. तिच्या वयाच्यो ज्यो जाण्ट्यो बायलो गांवांत आशिल्ल्यो त्यो सगळ्यो 'सुनो' आशिल्ल्यो. म्हणजे, त्यो आमच्या गांवांत येवन गांवच्यो परंपरा शिकिल्ल्यो, तर मर्तें आका गांवांतच जल्मून, ल्हान-व्हड जाल्ल्यान पयलीं सावनच गांवच्या सगल्या लोकपरंपरां कडेन जवळीक करून आशिल्लें. तेच बरोबर मर्तें आका गांवकार घराण्याची धूव, म्हणजे

गांवांत धालो-फुगड्यो ह्या लोकपरंपरां कडेन ज्या घराण्याचो मुखेल संबंद आसा त्या घराण्यांतलें आशिल्ल्यानय भुरगेपणा सावनच ह्या परंपरांची चड लागणूक ताणें मानून घेतिल्ली.

गांवांत कोणालेंय लग्न आसूं मर्तें आका आयलें म्हणटकच यजमान-यजमान्नीक खोस जाताली, तीं मर्तें आकाक ''आका, तूं आयलां, आतां होंवयो जाय हां!'' म्हण होंवयो म्हणपाचो आग्रो करतालीं. मर्तें आका मागीर मोटे उमेदीन न्हवऱ्याक वा व्हंकलेक (कोण आसा ताका) तेल-हळद लायतना, दळप कांडटना, बाशींग चडयतना वा जें कितें विधी आसात ते करतना होंवयो गायतालें. हेर बायलोय ताच्या सुरांत सूर भरशिताल्यो.

धालां मांडार तर मर्तें आकाचेंच राज्य चलतालें म्हणल्यार जाता. मांडाची 'मांडकान्न' वेगळी आसताली. पूण ते बाबडेक सगळ्यो रीती मर्तेंआकाच सांगतालें. खंयचो विधी केन्ना करप, खंयचें गाणें केन्ना सुरू करप... सगळ्यांचें मर्तेंआका मार्गदर्शन करतालें. तेच बरोबर बायलो सारकीं सुरांत गायतात काय ना, सारकीं नाचतात कांय ना हेंवूय तें पळयतालें. चुकल्यार तांकां तापयतालें, धेंकणायतालें. वर्सावळीची मांडार गावपाची गितां चुकून उरचीं नात हाची जतनाय घेतालें. ताचे जिबेर जणू सरस्पतच वावुरताली, तर आंगांत 'नटेश्वर' संचारतालो. जाण्टे पिरायेचेरूय ताचे कडेन धालो-फुगडी नाचपाची सर्त हेर बायलांक करप शक्य जायनाशिल्लें. 'कचे फुगडी', 'बेबकी फुगडी', 'येणी फू' सारके नाच नाचतना तें तरण्या-वयावयल्या बायलांक लजयतालें. ताका स्वताक 'घोणचें पील' खेळूंक आवडटालें.

मर्तें आका धालांच्या मांडार आसा म्हणटकच मांडकान्न बिनधास्त आसताली. वोळीक उब्यो राविल्ल्यो बायलो तर तकलेक मातूय ताण

दिनाशिल्ल्यो. मर्तें आकान गाणें सुरू केल्या शिवाय तांच्या तोंडांतल्यान आवाज भायर सरनाशिल्लो.

मर्तें आकाक 'मर्तें' नांव कित्याक दवरलें, हाचीच एक काणी आसा. मर्तें आकाचे आवयगेर खंय जाल्लीं जाल्लीं भुरग्यां भश्टांतच आसतना (अकरा दीस जावचे आदीं) मरतालीं, तेन्ना चार भुरग्यां मरून पांचवें जातकच ताच्या बापायन ताका काडून वैजिणीचे व्होंटयेंत घालें आनी ताका 'मर्तें' म्हणलें. तीन म्हयने मेरेन ताचो बारसो केलो ना. मागीर तीन म्हयने मेरेन तें जगलां तें पळोवन ताचो बारसो केलो आनी ताका 'मर्तें'च नांव दवरलें.

मर्तें आका फाटल्यान ताचे आवयक एक एक वर्साच्या अंतरान दोन पूत जाले. ते दोगूय जगले. मर्त्याच्याच पांयगुणान ते जगले म्हूण बापूय ताका खूबच बरो करूंक लागलो. भावां परस मर्तें आकाच्यो घरांत चड अपुरबायो जावंक लागल्यो.

बापायघरा अर्थ–अपुरबायांनी वाडिल्ल्या मर्तें आकाचें तेन्नाचे रिती प्रमाण सात वर्साचे पिरायेचेर लग्न जालें. ताच्या मावळणीनच (आत्यान) ताका आपली सून केल्ली. मर्तें आकाच्या बापायक दिशिल्लें, आपणें अर्थ–अपुरबायांनी वाडयिल्ले आपले धुवेक, आपली भयण बरे तरेन नंदयतली. पूण प्रत्यक्षांत तशें घडयलें ना. भयणीमदलीं 'मांय' वरचड जाली.

मर्तें आकाक बापायघरा केन्ना कोणें एक कुस्कूट उखलूंक लायलें नाशिल्लें. भावां बराबर दीसभर तें हांगा–थंय हेडटालें, खेळटालें. आवय केन्ना पाडटाली, तेन्ना बापूय म्हणटालो, ''आसूं गो. बाय म्हाजें आजून ल्हान आसा. व्हड जालें म्हणटकच शिकतलें सगळ्यो रिती–देखी!''

पूण घोवाघरा गेलें तरी ताचें खेळप–हेडप थांबलें ना. कितेंय काम करूंक सांगलें तर तें थंय उडोवन खेळूंक धावूंक लागलें, ना तर आपूण

करना म्हूण सांगूंक लागलें. ताचेर, सुरवेक मावळण भावाचे भिडेन थोडी मोव रावली, मागीर तिचो हात उखलूंक लागलो. मर्तें आकाक उपाशीं दवरपाचीय ख्यास्त मेळूंक लागली.

गजाली बापायच्या काना मेरेन पावल्यो. आपली भयण धुवेचेर हात उखलता, तिका उपाशी दवरता हें आयकून ताच्या गळ्यासकयल उंडी वचना जाली. एका दिसा तो घरवडीच्या चार जाण्ट्यांक घेवन भयणीगेर गेलो आनी रिती-देखी, घर-शेतांचीं कामां सगळीं शिकोवन थोड्या तेंपान हाडून पावयतां, अशें सांगून धुवेक घेवन घरा आयलो.

मर्तें आकाचो बापूय ताका घेवन आयलो खरो, पूण 'आजून बाय ल्हान आसा, ताका फाल्यां शिकोवया... परां शिकोवया' करून बापूय ताच्यो अपुरबायो करूंक लागलो आनी मर्तें आकाकय घरचीं कामां शिकूंक-करूंक कंटाळो येवंक लागलो. तें हांगा-थंय उनाडक्यो करीत रावलें. मात तरेकवार खेळ खेळूंक, धालो-फुगड्यो नाचूंक ताका आवडूंक लागलें. लग्नां-कार्यांक जाण्टेल्यो होंवयो गायतना तें थंय मांडी मोडून बसून सूर धरूंक लागलें.

वर्सां गेलीं, मर्तें आका न्हातें-धुतें जालें. ताचो घोवय आतां खाड-मिशयांचो मानाय जाल्लो. आतां धुवेक नंदपाक धाड अशें मर्तें आकाचे मांयन जायते फावट ताच्या बापायक सांगलें, पूण तो आयज-फाल्यां करीत रावलो.

हे मजगतीं मर्तें आकाच्या घोवान इल्लें इल्लें करून मामागेर यो-वच सुरू केलें, आनी एक दीस बस्तानच मारलें. बायल घरा येना जाल्यार हांव हांगाच रावतलों, ताणें आवय-बापायक स्पश्टूच सांगलें.

मर्तें आकाच्या बापायकय धूव दोळ्यां मुखारच जाय आशिल्ली. ताणें आपल्या घराकुशीक जाण्टेल्यांच्या जाग्यार धुवेक एक-दोन कुडींचें घर बांदून दिलें. त्या घरांत मर्तें आका आनी ताचो घोव सुखान रावंक लागलीं.

मर्तें आकाचो घोव 'बांय' खणपांत फिशाल आशिल्लो. ताका आशीकुशीच्या गांवांतल्यानय लोकांचें आपोवणें येतालें. शिवाय तो दिसवड्याचेंय काम करतालो. तितले जोडीचेर मर्तें आकाचो संवसार सुखान चलतालो.

गांवचे लोक सांगतात, मर्तें आकाचो घोव सभावान सामको सादो आशिल्लो. बायल म्हणल्यार ताका जीव काय प्राण. तो तिचे वयर एक उतर उलयनाशिल्लो. बायलेचीं सगळीं कामां करतालो, घरांतलें रांद-वाडय तोच करतालो. मर्तें आका एक तर घरांत पांय पातळावन बसतालें, वा सोयऱ्या-धायऱ्यांचीं, गांवचीं-भायलीं लग्न-कार्यां करत रावतालें.

ऐन वयांत आनी आंगांत तारुण्यपण आसासर मर्तें आका गांवांत मिजाशेनच वागतालें खंय. कोणें विचारल्यार ताका फटकळपणान जाप दितालें. फकत धालांच्या मांडार पावतकच मर्तें आका आपलें 'मीपण' कुशीक दवरतालें. ताच्या ह्या सभावाक लागून बरोबरच्यो बायलो ताका सट्ट करून कितेंय जाप दिवंक, विचारूंक वचनाशिल्ल्यो. मर्तें आकाचो हो सगळो तोरो जाण्टेपणांत देंविल्लो. नियतीनच ताचे फाटीचो अशे तरेन कणो मोडिल्लो की ताका बागवल्ले बगर पर्याय नाशिल्लो.

भुरगेपणांत हांव केन्नाच गांवच्या धालांच्या मांडार गेल्लें नाशिल्लें ताका लागून हांवें मर्तें आकाक थंय पळयिल्लें नाशिल्लें. पूण रस्त्या वयल्यान बाजारांत वा खंयूय वचूंक वतना ताका हांवें पळयिल्लें, मात केन्नाच ताका जाप केल्ली नाशिल्ली, वा ताणेंय म्हाका केन्नाच उलो केल्लो नाशिल्लो. तें खूब 'घुमी' बायल हें हांव आयकून आशिल्लें.

जेन्ना हांव म्हैसूराक लोकवेदाचो पद्व्युत्तर कोर्स करूंक गेलें तेन्ना 'क्षेत्र काम' अभ्यासक्रमाचो एक भाग म्हूण म्हाका प्रबंध तयार करपाची गरज पडली. त्यावेळार हांवें, म्हज्या गांवचो समाजीक-संस्कृतीक अभ्यास करपाचें

थारायलें. आनी ते खातीर गांवच्या विविध लोकवेद प्रकाराचें संकलन करपाच्या उद्‌देशान म्हज्या व्हडल्या भावा सांगातान बसून गांवच्या म्हायतीगारांची वळेरी तयार केली. हे वळेरेंत सगळ्यांत वयर आशिल्लें मर्तें आकाचें नांव.

मर्तें आकाक कोण सांगतलो? तें म्हायती दिवंक, गितां गावंक तयार जातलें काय ना?... आमचे मुखार समुद्राक बांद घालपासारखे तें मोटें कठीण काम आशिल्लें. पूण ताची जापसालदारकी म्हजे आवयन उखल्ली. म्हजे आवयचें व्यक्तीमत्वच अशें आशिल्लें, तिका 'ना' म्हणप सहसा कोणाक शक्य जायनाशिल्लें.

आपले कडेन आशिल्लें जाण्टेल्यांलें दायज हांव पुस्तक रुपांत फुडले पिळगे खातीर राखून दवरपाक सोदतां हें कळटकच, ताणें मेकळ्या हातांनी आपल्याक खबर आशिल्ली तितलीय म्हातीय म्हाका दिली. हांवें तागेर वच्चे बदला, तें आमगेरूच आयलें. दोन दीस तें सोयरेंच जावन आमगेर रावलें... आनी तेन्ना सावन मर्तें आकाचें आनी म्हजें नातें जुळ्ळें. म्हजे कडेन तें सामकें मायेन वागूंक लागलें.

ते उपरांत तर मदीं मदीं जेन्ना कितेंय याद जाता तेन्ना तें आमगेर मुजरत येवन म्हाका सांगूंक लागलें. गावन दाखोवंक लागलें. आशीकुशीच्या जात्रा-उत्सवांची म्हायती, तर ताणेंच म्हाका दिल्ली.

ह्याच दिसांनी मर्तें आकाच्या जिवितांत व्हडली उलथा-पालथ घडली. ताका दोन पूत आनी एक धूव आशिल्ली. व्हडलो पूत सातवी मेरेन शिकून बसीचो ड्रायव्हर जाल्लो. दुसरी धूव तिवूय सातवी मेरेन शिकिल्ली, तिका घर-शेतकाम कळटालें. मर्तें आका तिका आतां सोयरिको सोदतालें. धाकटो पूत निकतोच एसएससी जावन कॉलेजींत (इकरावेक) वचूंक लागिल्लो. मर्तें आकाचें सगळें सुखांत चलतालें...

आनी अचकीत ताच्या सुखी संवसाराचो कणो मोडलो. ताचो 'धाकटो' सायकल मोटारीच्या अपघातांत गेलो. तातूंत भर म्हूण व्हडलो किरिस्तांव धर्माचे चलये कडेन लग्न जावन घर सोडून गेलो. दोगांय पुतांच्या धक्क्यान घोवान हांतरूण धरलें. एक-दोन वर्सां हांतरुणाचेर काडून तोवूय गेलो.

मर्तें आकान परिस्थिती कडेन कशे तरेन तड मारली. भाव-भावजयांच्या आदारान धुवेक लग्न केली. विस्कटिल्ली संवसाराची घडी, वांकडी-तिकडी जायना, पूण परत घाली.

संकश्टांच्या भोंवऱ्यांत कितलेंय खुनलेलें तरी मर्तें आकान एक गजाल कशीच सोडली ना, ती म्हणल्यार 'धालो'. जिवात जीव आसासर मांडाक पांय लावपाचो ताणें केन्ना चुकयलें ना. घोव मरतकच तें रेगांक उबो रावना जालें, पूण मांडार एके कुशीक बसून तें गितां म्हण्टालें. मांडार येवन धालांचे सूर आळयतना जणू तेंच एक सूर जातालें आनी गांवचे मातये कडलें आपलें नातें सुरमयीत करतालें.

□

11.

तुळशी

तें आमच्या गांवांत खंयच्यान आयलें, हें जशें आजगायत एक कुंवाडें आसा, तशेंच तें आमच्या गांवच्यान खंय गेलें हेंवूय एक कुंवाडेंच आसा. सुमार तीस-बत्तीस वर्सां जातलीं हे गजालीक. म्हाका दिसता गांवांतले भौतेक लोक ताका विसरून गेले आसतले. ताका पळयिल्ले,

कांय तर ह्या संवसारांतच नात. तें ज्या घरांत रावतालें, त्या घरांत तें आयज एक 'काणी' जालां. णव्वद वर्सांची स्मृतीभंश जाल्ली व्हनी, जेन्ना तिची स्मृती इल्ली जाग्यार आसता तेन्ना टी.व्ही. मुखार बशिल्ल्या पणटुरांक, तीं आयकूं वा ना आयकूं 'तुळशीची काणी' सांगता.

हांव तेन्ना णवेक आसूंक जाय. म्हज्या सभावा प्रमाण भुरगेपणांतल्यो कांय घडणुको, गांवांतले लोक, सहवासांत आयिल्लीं मनशां, जशीं म्हज्या स्मरणांत घट उरल्यांत, तशेंच दुसऱ्या गांवांतल्यान कांय काळा खातीर आमच्या गांवांत अवतरिल्लें 'तुळशी'य म्हज्या स्मरणांत घट उरलां...

उबाळाचे दीस आशिल्ले. व्हनी आनी तिचे घरचीं आंगणांत मल्लां घालून न्हिदिल्लीं. फांतोडेर व्हनीक जाग आयली जाल्यार, आंगणांत आशिल्ले तुळशी कडेक, झिळमिट्या उजवाडांत एक उखणयां बशिल्ली सांवळी कशी तिका दिसली.

व्हनीच्या जाग्यार आनीक कोणूय आशिल्ली जाल्यार 'भूत' समजून जीव सोडपाची. पूण व्हनी घट काळजाची. वारें-सुत्र मानताली खरी पूण मनीस आनी वारें हातुंतलो फरक जाणा जावपा इतली तिची निरिक्षण शक्त आशिल्ली. ती एक निजाची वैजीण आनी वखदळीय आशिल्ली.

"कोण थंय?... कोण थंय?" म्हण व्हनीन बोवाळ केलो. आवाजान आंगणांत न्हिदिल्लीं सगळीं मनशां जागी जालीं. कोणेंतरी उश्याकुशीचो पॅत्रोलाचो दिवो पेटयलो... इतको आवाज जालो तरी ती सांवळी मात इल्लीय हाल्ली ना, तशी व्हनी हातांत दिवो घेवन ते सांवळे म्हऱ्यांत गेली.

दिव्याच्या उजवाडांत व्हनीन एक बायलमनीस दोनूय धोंपरांचेर तोंड खोमसून बसल्या ती पळयली. तिच्या आंगार जुनेराचो एक कुडको बांदिल्लो आशिल्लो. हात-गळो उगडो. केंसांचीं भिसडां मानेर सुटिल्लीं पळोवन ती भूतच कशी दिसताली. (गांवच्या लोकांचे भुताचे कल्पनेप्रमाणे)... आनी ताळवे वेल्यान रगताची धार व्हांवताली. तिचे केंस, आंग रगतान माखिल्ले.

"आगे बाये, रगत व्हांवता? कोणें मारून-बडोवन धांवडायल्या दिसता हे बायलेक!" म्हण व्हनीन बोवाळ केलो. आनी घरांत धांवन पोसोभर हळडीचो पिठो हाडून तिच्या घाव्यार थापलो. दुदयाचो देठ झरोवन तिका पिवपाक दिलो.

रगताची धार कशीच थांबनाशिल्ली, व्हनी उपाय करीत आशिल्ली, पूण अजाप म्हणल्यार ती बायल मात तोंडान हूं न्ही चूं करनाशिल्ली. कितेंय विचारल्यार तोंडांतल्यान जाप काडनाशिल्ली. सगळ्यां कडेन मख्ख नदरेन पळयताली.

येदोळ म्हणल्यार आख्खो वाडो व्हनीच्या आंगणांत एक जाल्लो. म्हजी आवय-बापूयय थंय धांविल्लीं. सगळ्यांनी तरां-तरांनी तुळशीक प्रस्न विचारले. पूण ताणें कोणाकच जाप दिली ना. तें खंयचें? व्हनीगेर कशें पावलें ? कांयच सांगलें ना.

तुळशीची एकंदर वागणूक पळोवन तें तकलेन सारकें ना, असो तर्क सगळ्यांनी काडलो. तशेंच ताका घरच्यांनी मारून धांवडायलां आसूंक जाय असोय अदमास केलो. त्यावेळार अशें कितेंय घडल्यार पुलीसेंत बी कळोवपाची गांवांत पद्दत नाशिल्ली, मात गांवच्या जाण्ट्यांचो म्हणजे बुदवंतांचो सल्लो जरूर घेताले.

त्या दिसा दनपरां व्हनीच्या आंगणांतच गांवचे सगळे जाण्टेले - बुदवंत एक जाल्ले. तांणी व्हनीक सल्लो दिलो, "ही बायल, कोण खंयची, कोणाक खबर ना! तूं नसतीं लचांडां लावन घेवनाका! तिका तुज्या घरांतल्यान धांवडावन घाल!"

पूण व्हनीन बुदवंतांक स्पश्ट सांगलें, "हांव एक वैजीण, वखदळी! ह्या हातांतल्यान कितल्यां जाणांक हांवें जल्मांक घातल्यांत, कितल्या जाणांक जिवदान दिलां!... ही पापीण दुख्खी-कश्टी आसा! वाचा शेणल्या तिची! कोणें तिचो घात घेतला तेंवूय कळना! हांवें घरांतल्यान धांवडायल्यार

वखद-विर्सत नासतना मरून वतली!... म्हाज्या धर्माक तें पटना! तिका हांव उपाय करतां, ती बरी जावूं आनी मागीर आपल्या मार्गान वचूं!''

तुळशी मागीर व्हनीगेरूच उरलें. व्हनीन बरो उपाय करून ताचे तकलेचो घावो पेकयलो. तो पेकूंक सुमार दोन म्हयने लागले.

मजगती तुळशीक बोलते करपाचो व्हनीन जायतो यत्न केलो. तें अर्दी-मर्दीं एक-एकूच उतर उलोवंक लागलें. पूण ताचे वयल्यान ताचें नांव-गांव मात कळ्ळेंच ना. शेजारच्या गांवांनीय, व्हनीन तशें गांवच्या हेरांनी चवकशी केली पूण ताचो धागो-दोरो सांपडलो ना.

व्हनीगेर येवन तुळशी मातशें सुदारिल्लें, पूण तें अर्दपिशें हें मात स्पश्ट जाल्लें. व्हनीन ताका उलो करूंक नांव दवरिल्लें, 'तुळशी'! कारण तें तुळशीकडेन मेळिल्लें.

तुळशीक व्हनीचो आनी व्हनीक तुळशीचो लळो लागिल्लो. व्हनी ताका आपूण वता थंय बरोबर व्हरताली आनी तें व्हनी वता थंय तिचे फाटोफाट वतालें. पूण कामा-वावराक मात तें व्हनीक कित्याकच उपकारनाशिल्लें. एक सांगल्यार दुसरेंच करतालें. दीसभर व्हनीचें तोंड वाजयतालें.

व्हनी गांवच्या 'उंचल्या भटागेर' (गोत्रान वयर) वावर करताली. हो वावर मांय कडल्यान तिचे कडेन आयिल्लो. भटाल्या घरा फाटल्यान पाणटो आशिल्लो. आयदनां घांसप, कपडे उमळप बी भटां धरून गांवचीं सगळीं ह्या पाणट्यारूच करतालीं. तुळशी आपल्यागेर येतकच पाणट्यार वतना व्हनी ताच्या माथ्यार आयदनाचो खोटलो दिवंक लागली. एका दिसा तिणें तुळशीक फुडें धाडलें आनी आपूण मात्शी कोणा कडेन उलयत फाटीं रावली. तर तुळशीन कितें करचें? व्हरून आयदनांचो खोटलोच उदकाचे कोंडीत उडयलो. घे! मागीर व्हनीलो बोवाळ! तुळशीक, ''पाडपडिल्लें, उंवाळून घाल्लें!'' असलीं विशेशणां लायत तिणें आयदना सोदलीं. पूण

चडशीं आयदनां उदकाचे कोंडींत, म्हणचे खोल उदकांत पडिल्ल्यान काडूंक मेळिनात. मागीर पावसांत, हुंवारांत केन्ना एक एक आयदन वयर येतालें खंय!

काकीभटीण (व्हडली भटीण) कितें म्हण्टली? आपल्या कडल्यान भटालें येदें व्हडलें लुकसाण जालें ह्या विचारान व्हनीक बाबडे मरूंक पुरो जालें, पूण तुळशी सामकें 'तेला आंगावेलें' कशें जावन बशिल्लें.

तुळशीक आयदनां घांसपाक लाय तर तांचो लेपूच वचनाशिल्लो, कपडे उमळूंक लाय... ते उदकांत भिजोवन परतें हाडटालें, उदक हाडूंक लाय तर तो पाण्ट्यावेल्यान भरून हाडिल्लो उदकाचो कळसो घरांत पावतलोच हाची खात्री नाशिल्ली... तो वाटेरूच रितो जातालो. ताका न्हेसणाचें धंगण उरनाशिल्लें. व्हनी ताका देंठलेन आपल्या कापडाचो कुडको न्हेसयताली, तर तो कितकेच फावट वाटेरूच सुटून पडटालो. केंस कितलेय वळय तर ते दोन मिनटांत सुटून मानेर लोंबकळटाले. एकएकदां व्हनी ताका बरें न्हेसोवन माथ्याक फुलांची फांती माळटाली, कपलाक कुकमाचो तिळो लायताली, तेन्ना तें पळोवंक बरें सोबीत दिसतालें.

म्हयन्याची पाळी येता ताचेंय धंगण तुळशीक उरनाशिल्लें. जांगडा वेल्यान- पांयां वेल्यान रगतां व्हांवयत सगळ्याक भोंवतालें. मागीर व्हनीकच ताका फाळी दिवन एका जाग्यार बसोवचें पडटालें.

तुळशीच्या ह्या आवट्यापणाक व्हनीची सून बेजारिल्ली, ताका धांवडाय म्हणटाली, पूण व्हनी ताका कशीच धांवडावंक तयार नाशिल्ली.

तुळशी जल्मजात पिशें काय ताचे तकलेर कोणें कितें मारिल्ल्यान तें तशें जालां हाचो व्हनीक एक प्रस्नूच पडिल्लो. तुळशीन कितेंय मुर्खपणां केलीं म्हणटकच ती म्हणटाली, "पिशें गो तूं! देवान तुका पिशेंच म्हुणोन जल्माक घातलां!"

केन्ना चुकून म्हण्टा तशें सांगिल्लें काम ताणें सारकें वेवस्थीत केल्यार

ती म्हण्टाली, ‘‘पोर जल्मान पिशें न्ही रे, पळय आसा तेका तकली! कोणें मारून बडोवन केल्या तेका पिशें!’’

तुळशीक आनी एक खोड आशिल्ली. खंयीय उश्टी पत्रावळ वा उश्टें उडयिल्लें दिसलें तर तें थंय धांवन तें चाट्टालें–खातालें. रांदिल्ले तोप घांसूंक दिल्यार ताचो उरिल्लो लेप नाकटांनी खरपून खरपून काडून खातालें. तें पळोवन व्हनीचेंच न्ही तर गांवच्या लोकांचेंय काळीज चरचरतालें. ‘‘कोणें पाडपडिल्ल्यांनी पोटाक वळवळायिल्लें आसूंक जाय रे हे बायलेक!’’ व्हनी म्हण्टाली.

व्हनी मागीर धांवन ताचेर दोन फुलयताली, ‘‘पोटाक वळवळायता गो तुका हांव... हें उश्टें खाता तें! दुसऱ्या फावट हातांत घेवचीना तूं उश्टी पत्रावळ!’’ अशें म्हणत घरांत व्हरून ताका कितेंय खावंक हातार उडयताली.

केन्नाय कूंय येतकच तुळशी आमगेर येतालें. आमगेर एक खेतें आशिल्लें. ताचें नांव ‘जनें’. ताका सांखळी घालून बांदून दवरिल्लें. ताका रावपाक लाकडा फळ्यांचें घर (पांजरो कसो) केल्लें, ताका एक दार आशिल्लें. त्या दारान तें जाय तेन्ना त्या घरांत वतालें, जाय तेन्ना भायर येतालें.

तर तुळशी आमगेर येतकच जन्या मुखार उचून उबें रावतालें. जनें ताच्यो उंयो काडटालें आनी मट्ट– मट्ट करून खातालें. केन्ना केन्ना उंयो काडटना तुळशी हालतालें, तशें जनें कीऽऽ कीऽऽ करून दांत विचकायत ताचे तकलेक बुचके काडटालें. मागीर तुळशी सारकें रावतालें. जनें ताका बुचके काडूंक लागलें, म्हण्टकच आमचेर अकांत येतालो पूण तुळशीक मात हाय हूय कांयच करनाशिल्लें.

एका दिसा जन्याचें कितेंतरी चाळवल्लें जावंक जाय. तुळशी म्हऱ्यांत येताच ताणें ताका भरपूर बुड्डिल्लें. पूण तुळशी जनें बुड्डिता तरी, ताचे म्हऱ्यांतल्यान कुशीक सरना! म्हजे आवयनच ताका वोडून कुशीक काडलें.

ताचें माथें-तोंड रगत-बंबाळ जाल्लें. त्या दिसाच्यान म्हजी आवय तुळशीक आमगेर येवंक दिना जाली.

... आनी मागीर तुळशीय एका दिसा नाच्च जालें! जशें गांवांत अचकीत आयलें... तशेंच अचकीत ना जालें! रातचें सदचे भशेन बरें करून जेवन-खावन, व्हनीले पडवेर न्हिदिल्लें...

व्हनी आनी घरचीं भितर न्हिदिल्लीं... सकाळीं उठून जर पळय, तर तुळशीय ना आनी हांथुणा कवळोय ना!

पयलीं न्हंयचेर...परसा कडेन बी गेलां आसत म्हण समजून व्हनी आनी तिचे घरचीं वोगी रावलीं. मागीर बरोच वेळ आयलेंना तें पळोवन सोदा-सोद सुरू जाली! गांवांत...शेतांत...न्हंयचेर... सगळ्याक सोदलें. पूण तुळशी मेळ्ळेंना!

येत घडये दोन दिसांनी म्हण व्हनीन वाट पळयली, पूण... दीस गेले... म्हयने गेले... वर्सां गेलीं... तुळशी परत केन्नाच आयलेंना! व्हनी खातीर तें एक 'काणी' जावन तिच्या काळजांत, जिबेर रावलें!

□

12.

सायेर तितीव

ताचे कडेन सगळें आशिल्लें. भाट-बेंस, घर-बंगलो, पयसो-आटको, गाडी-घोडो, बायल-भुरगीं...! पूण तो समाधानी नाशिल्लो. तोंडांत घाल्ली उंडी सारकी गळ्यासकल देंवना, हांथुणार पडटकच वरांचीं वरां आपल्याक न्हीद पडना, अशें तो सांगतालो.

ताका प्रत्यक्ष पळोवचें आदीं ताची खबर हांवें जायतेदां बापायच्या तोंडांतल्यान आयकल्ली. आमगेर कोणूय आयलो वा मामा बी आयलो जाल्यार खबरी उलयतां उलयतां पापा ताचे खबरीचेर पावतालो. केन्ना केन्ना आई आनी पापा उलयतां उलयतां ताच्या विशयाचेर पावतालीं. गांवच्या एखाद्रे खबरी वेल्यान खबर जावन पापा म्हाका आनी म्हज्या भावांक ताची खबर सांगतालो.

जायते फावट आई पापाक म्हणटाली, ''इतको ताचो गांवां मदीं जीव घुस्पला जाल्यार आपय न्ही ताका एकदां घरा कडेन! गांवय दोळेभर पळयतलो तो!''

ताचेर पापा म्हणटालो, ''आमगेर आपोवंक तो आतां पयलींचो सदा ना गो! तो आतां व्हडलो भाटकार जाला! तागेलें घर म्हणचे जणू एक पालासच! आमगेल्या ह्या असल्या घरांत ताका कितें आपोवपाचें!... शिवाय तो आयलो आनी तागेल्या घरच्यांनी पळोवन ताका पट्ट करून कितेंय म्हणल्यार, आमकां बेश्टें पिकासांव न्ही!''

पूण पापान ताका आमगेर न आपयताच तो एका दिसा अचकीत आमगेर आयलो. म्हाका घट्ट याद आसा, तो आयताराचो दीस आशिल्लो. तेन्ना हांव बी.ए.च्या निमण्या वर्साक आशिल्लें. फायनल परिक्षा लागीं पाविल्ल्यान फांतोडेर उठून अभ्यासाक बशिल्लें. सुमार साडे-स वरां जातलीं. आई आनी पापा दोगांय उठिल्लीं. आयताराचो दीस हो केप्यां 'बाजार भरपाचो' दीस आशिल्ल्यान पापाक दुकान बेगीन उगडपाचें आशिल्लें. तो न्हेसून-बिसून आईली च्या जावपाची वाट पळयत पडवेर सोप्यार बशिल्लो. जाल्यार आई रांदचे कुडींत पोळे काडटाली.

इतक्यांत दारांत घड घड करून एक राजदूत मोटारसायकल येवन थांबली. सकाळच्या त्या थंड-शांत परार तो आवाज आमगेल्या घरच्यांच्याच न्ही तर शेजार-पाजारच्या लोकांच्या कानार वचून आपटलो. इतक्या सकाळीं

कोणागेर कोण आयला? सगळ्यांच्याच मनांत प्रस्न उदेल्लो.

पापा सोप्या वेल्यान फट्ट करून उठून उबो जाल्लो. आईय तव्यार पोळो सांडून भायर आयिल्ली. म्हजो आजोय हांथुणार उठून बशिल्लो. म्हजे भावूय जागे जाल्ले.

अभ्यास करता थंय म्हज्या कपलाक मात मिरयो पडिल्ल्यो. हांव समजल्लें म्हजो मदलो मामाच आयला आसतलो म्हण. ताका संवय, कोणागेरूय वचपाचें आसल्यार, फाल्यार वचपाची! वेळान गेल्यार धंदो कामगांराच्या हातांत दिवचो पडटा अशें ताचें म्हण्णें. ताची आयस्क्रिमाची फॅक्टरी आशिल्ली.

तो सक्काळीं येवन आमकां सगळ्यांक उठोवन घालतालो... आतां तो आयलो म्हणटकच आई ताचे कडेन खबऱ्यांक बसतली आनी म्हाका अभ्यास सांडून पोळे काडपाक रांदचे कुडींत वच्चें पडटलें हें चिंतून म्हज्या कपलाक मिरयो पडिल्ल्यो. मागीर म्हज्या लक्षांत आयलें, तो मोटारसायकलीचो (राजदूतचो) आवाज म्हण,... आनी म्हज्या मामा कडेन तर स्कुटर आशिल्ली... चेतक!

सायेर तितिवाक आमच्या दारांत अचकीत पळोवन पापा थोडो कांचवेलो. पूण ताणें रोखडेंच स्वताक सांवरलें, ताका भितर आपयलो. तो भितर आयलो पूण पडवेर सोप्यारच बसलो. भितर सालांत यो म्हणल्यार येना जालो.

आमच्या घरांत सायेर तितिवाक बरो येवकार मेळ्ळो. आज्यान तर ताची सामकी व्हडविकेन खबर घेतली. भुरगेपणांतल्यो ताच्यो यादी काडल्यो. ताणेंय आज्या मुखार सरपट नमस्कार घातलो.

सायेर तितिवाचो गळो सामको भरून आयिल्लो. तो परत परत दोळे पुसतालो. आईच्या हातचो पोळ्याचो कुडको गळ्या सकयल देंवतना तर ताका व्हडल्यान हुंडको आयलो. भुरगेपणांत... कितल्यातरी वर्सां पयलीं खाल्ल्या

आवयच्या हातच्या पोळ्याची याद जाली, अशें तो आईक सांगूंक लागलो.

ते दिसा आमगेर बरोऽऽ वेळ बसून तो गेलो. वच्चे आदीं ताणें आमगेर येवपाचो उद्देश सांगलो आनी आई-पापा दोगांय गप्प जावन ताका पळयतच रावलीं. ते नंतर तो आमगेर परत परत येतालो आनी आईक आपलें काम कर म्हण विनयत रावतालो. आई ताच्या तोंडार 'बरें! बरें' म्हण ताका सांगताली. मागीर तो वतकच पापाक वा आज्याक म्हणटाली, ''मुळचो हिन्दू आसल्यार कितें जालें, आतां क्रिस्तांव धर्मांत पडला न्ही तो! हाचे धुवेची कशी व्हरतलीं हांव कोणा हिन्दू घरांत सोयरीक! ...मोगान कोणूय लग्न जाता ती गजाल वेगळी.'' सायेर तितीव आमगेर येवन म्हजे आवयक आपले धुवेची कोणाय हिन्दू घराण्यांत सोयरीक कर म्हण धोंसतालो. दैवाचे करणेक लागून आपूण क्रिस्तांव जालों, पूण आपले धुवेक मात आपल्याक 'कोंकण्यागेर लगीन' करून दिवंक जाय अशें तो आईक सांगतालो.

ताचे भाशेंत हिन्दूचीं जायतीं उतरां घुस्पल्लीं दिसतालीं. उलोवपाचो हेळोय वेगळोच, धड क्रिस्तांवाचो न्ही, धड हिन्दूचो न्ही!

तो सद्दां धवें पॅन्ट आनी धवें कोपरां मेरेन दोडिल्लें लांब हाताचें खोमीस घालून आमगेर येतालो. (धवें पॅन्ट आनी धवें खोमीस हो म्हज्या बापायचोय आवडीचो भेस आशिल्लो). ताच्या दोनूय हाताक मोट्यो मुदयो आशिल्ल्यो. गळ्यांत घड्याळीचें लॉकीट आशिल्ली मोट्टी सरपळी. त्या शिवाय ताच्या दाव्या हाताक भांगराच्या पट्याची घड्याळ आशिल्ली. पूण तो वरां मात गळ्यांतले घड्याळींतच पळयतालो. ताचे पांय मात उक्ते आसताले. आमगेर येतना तो पांयांक केन्नाच जोतें वा बूट घालनाशिल्लो.

आंगार इतलें भांगर आशिल्लो गिरेस्त मनीस, पूण उगड्या पांयांनी आमगेर येता हाचें म्हाका सामकें अजाप दिसतालें. एका दिसा हांवें बापायक हे विशीं विचारलें, जाल्यार बापायन म्हाका जाप दिली, ''भुरगेपणांत ताची आवय गेल्ली! आवयची माया ताका मेळ्ळी ना! हे गांवचे मातयेच्या

आंगार खेळतच तो व्हड जालो. तेखातीर हे गांवचे मातयेक जोत्याचे पांय लावप म्हणचे आवयचेरूच जोत्याचें पांय दवरप अशें दिसता खंय गो ताका, म्हणूनच तो ह्या गांवांत उगड्या पांयांनी येता!''

त्यावेळार म्हाका व्हडलेशें ते फाटलें तत्वज्ञान समजलें ना, पूण इतकें मात समजलें की सायेर तितिवाचो ह्या गांवाचेर खूब जीव आसा.

आपल्याक 'तितीव' म्हणात, आपूण आनी तुमचो बापूय भुरगेपणांतले खूब घट इश्ट. बरोबर भोंवताले, बरोबर खेळटाले... बरोबर गोरवांक घेवन मड्डेर वताले अशें ताणें आमकां सांगिल्लें. ताका लागून हांव आनी म्हजे भाव ताका 'तितीवच' म्हण उलो करतालीं.

म्हज्या तिगांय भावा परस तो म्हाका इल्लें चडूच बरें करतालो. ''म्हजी धूव फिलू तशेंच तूं म्हाका! तुज्या लग्नाक हांव चार दीस तुमगेरूच येवन रावतलों! व्हनये, आदीं फिलूक न्हवरो सोद, मागीर हेका!'' तो आईक सांगतालो.

सायेर तितीव धुवेच्या लग्नाक व्हंश्रेतालो, पूण तो धुवेचें लग्न जाय मेरेन वांचलोच ना. एका दिसा तो काळजाच्या आतांकान गेलो. उपरांत बऱ्याच दिसांनी म्हज्या बापायन खबर हाडली, ताचे धुवेचें, फिलुचें 'काजार' जालें म्हण.

सायेर तितीवालें मूळ घर गांवकार वाड्यार आसा. ताचो बापूय शंकर गांवकार आयज ह्या संवसारांत ना पूण ताचे तीग भाव गांवांत आपलो घर-संवसार सांबाळून आसात. जाण्टेल्यांच्या मूळ घरांत व्हडलो भाव रावता जाल्यार ताच्या फाटल्या दोग भावांनी मूळ घरवयेक तेंकूनच वेग-वेगळीं घरां बांदल्यांत.

पयले फावट आमगेर आयिल्लो, ते दिसा सायेर तितीव गांवकार वाड्यार मोटारसायकलीन एक रावंड मारून आयलो. तो घरांत भितर सरलो ना. पयसुल्ल्यानच ताणें घर पळोवन घेतलें, मागीर परत आमगेर येवन तो

घराच्यो यादी सांगून म्हज्या बापाय म्हऱ्यांत दोळ्यांत दुकां काडून रडलो.

ताका तसो रडटना पळोवन म्हज्या पापाकय वायट दिसलें. ताणें म्हणलें, ''घरांत भितर सरून येवचो न्ही रे! पळोवचें आशिल्लें, कोणूय तुका वळखता जाल्यार!''

ताचेर सायेर तितीवान म्हणलें, ''केसो वयतो हांव घरांत भितर? त्या घोरान केन्ना उगडास केला म्हुजो? पोसलोल्या सुण्याची बुसोन शेणल्यार आमी याद काडटाय! हिंगा तर बापायन- भावांनी म्हाका सामकीच फाट केली!... पयलूं केन्ना दादाक- भावांक बाजरां बी चोवन हांव जाप करपा वोयतालों, जाल्यार ते मान घुंवडोवन चलोंक लागताले!... तूंच सांग रे, म्हाजो गुन्याव कितें? हायें जायो म्हूण म्हागे धर्म बुडयलो?...''

खऱ्यांनीच सायेर तितीवाचो कसलोच गुन्याव नासतना धर्मांतराची ख्यास्त ताच्या वांट्याक आयिल्ली. एखाद्र्या सिनेमाची स्टोरी सोबची ते तरेन सायेर तितीवाचे जिणेची कथा आशिल्ली.

सायेर तितीवाची, म्हणचे 'सदानंदाची' भुरगेपणांत घरची परिस्थिती खुबूच गरिबीची आशिल्ली. तशें पळोवंक गेल्यार त्या काळांत गांवांत सगळ्या घरांनी तीच परिस्थिती आशिल्ली, लोकांचें पोट शेत-भातांचेरूच निबून आसतालें. पावस-पाणी बरें जाल्यार पीक बरी येवन वर्साचें पोट कशेतरेन चलतालें, नातर पोटाचे वळवळे जाताले. लोकांक पोटा-पाणयाचो दुसरो मार्ग नाशिल्लो.

अशें जरी सर्वसामान्यपणान आसलें तरी गांवच्या हेरां परस सायेर तितीवाच्या घरची स्थिती हेरां परस चड वायट आशिल्ली. ताका कारणूय तशेंच आशिल्लें. ताच्या बापायक तो धरून सात भुरग्यां. दोग भयणी, चार भाव. तो निमाणो. तो चार वर्सांचो आसतना आवय गेली. तशें ताच्या बापायक घर-दार सांबाळून, भुरग्यांक रांदून-वाडून घालून, शेतांत वावुरचें पडलें, ताका लागून शेताची कमाशी वेळार जायना जाली. ती वेळार जायना

म्हणटकच दाणो-गोटोय सारको मेळना जालो. घरांत अन्न-पाण्याची मारामार जावंक लागताली.

कशे तरी दीस वताले, सायेर तितीव णव वर्सांचो जाल्लो आनी चांदरच्या मिनेझीस नांवाच्या एका भाटकारांलीं गोरवां राखपाक एक भुरगो जाय अशें ताच्या बापायक कोणें तरी सांगलें. खावपा-जेवपाचो ताचो खर्च करून वर्साक मुडीभर तांदूळ बदलाक मेळपाचे. बापायन चड विचार केलो ना. ताणें सायेर तितीवाक मिनेझीस भाटकारागेर गोरवां राखपाक दवरलो. व्हडल्यांक तागेर दवरप ताका आतां मानवलें ना, कारण ते आतां हाता-तोंडा कडेन पाविल्ले, शेताच्या वावराक उपकारतले आशिल्ले.

सायेर तितीव वचना म्हण खूब रडलो खंय, पूण बापायन ताचें काना-मनार घेतलेंना. ताका ओडीत म्हणटा तसो व्हरून पावयलो.

रानांत पडटकच राकेस जाता. सायेर तितीवाकय मागीर आपल्याक दुसरो पर्याय ना म्हण कळ्ळें. तो थंय रुळ्ळो. मन लावन भाटकारालीं गोरवां राखूंक लागलो.

भाटकार आनी भाटकान्नीक भुरगीं नाशिल्लीं. तीं सायेर तितीवाक बरीं करतालीं. एकदां भाटकार आठ दिसां खातीर मुंबय गेल्लो. पावसाचे दीस आशिल्ले, उटंगाराचो पावस पडटालो. आनी हेवाटेन पोरांट्या सदानंदाक (सायेर तितीवाक) जोर आयलो. तीन दीस तो जोरान फडफडटालो. भाटकान्नीन आपले भशेन ताका वखद दिलें. पूण जोर उतरना जालो. एकेवटेन तो अन्न-पाणी पोटांत नासून मंद पडत गेलो, कारण तोच जेवण शिजोवन जेवतालो. तो बरो ना म्हणटकच कोण रांदतलो?

तिसरे राती खंय ताचीं दाडवणां सामकींच अंदलीं, तशें आकांता सरशीं भाटकान्नीन धांवन आपल्या कुजनांतली पेज हाडून ताच्या तोंडाक लायली. हून पेज पोटांत वताच ताका थोडी हुशारी आयली, मागीर तिणें केल्ल्या उपायांनी तो इल्लो इल्लो करून निवळ्ळो.

...निवळ्ळो खरो मात ताचो जल्माचो घात जाल्लो. किरिस्तांवा घरची पेज तो जेविल्लो. त्या काळाच्या समजिकाये प्रमाण तो 'बाटवल्लो'.

शंकर गांवकाराक खबर कळ्ळी, ताणें म्हणलें, "आयच्यान तो आमकां मेलो! आतां ताचें नशीब आनी तो!"

बापायन हात फाफुंडले पूण मिनेझीस भाटकान्न मात मोट्या मनाची. तिणें सायेर तितिवाक सांगलें, "चेड्या तूं कांयच भियेनाका! आयच्यान तूं म्हाजो पूत! ... हांयें तुका बाटयलो...तेन्ना तुजें नशीब हांवूच तुका दितलीं! म्हाजे सगळें भाट-बेंस तुज्या नांवार करतलीं!"

आनी खऱ्यानीच तिणें घोव येतकच ताका कायदेशीर पोसको घेवन आपली सगळी इस्टेट ताच्या नांवार केली. ताका लिसेंवाचें शिकप दिलें, फुडें आपल्या सोयऱ्यांचें चेडू पळोवन काजारूय केलो.

मिनेझीस भाटकान्नीन ताचें नशीब घडयल्लें. पूण ताचें मन मात ती थाथारूंक शकलीना. सगळीं सुखां आसून ताच्या मनाक एक कीड पोखरताली. आपूण आपल्या घर-दारा कडल्यान तुटलों, आपलो देव-धर्म आपल्याक परकी जालो हें दुख्ख ताका सतयतालें, म्हुणूनच तो आपले धुवेक 'कोंकण्यागेर' लग्न करून आपल्या मुळा कडेन परत नातें जोडूंक पळयतालो!

□

13.

जेबेल



ताच्या गांवांत तशेंच आमच्याय गांवांत, ताका 'जेबेल' म्हण उलो करताले. हें ताचें खरें नांव काय ताच्या भजरपणाक, अरवळपणाक लागून ताका लोक 'जेबेल' म्हणटाले, हें आज हांव कांयच सांगूंक शकना. पूण आयजय आमच्या गांवांत भजर, अरवळ बायलेक 'जेबेल' म्हण

उल्लेखपाची चाल आसा!

म्हज्या अंदाजा प्रमाण ताचें खरें नांव 'इजाबेल' आसूंक जाय. इजाबेलाचो अपभ्रंश जावन ताचें 'जेबेल' नांव घडलां जावंक जाय.

जेबेलाची गजाल म्हज्या भुरगेपणांतली, सादारणपणान हांव विस्कोलांत शिकता तेन्नाची. त्यावेळार ताचें खरें नांव दुसरें कितें आसूं येता असो विचार म्हजे तकलेंत आयलो ना, आयिल्लो जाल्यार हांव ते विशीं आईक विचारता आशिल्लें. एक गजाल मात खरी, ताचे विशीं म्हज्या काळजांत त्या वयारूच सहानभुतीचो एक जागो तयार जाल्लो, देखूनच इतलीं वर्सां जालीं तरी ताची याद म्हज्या काळजांत जिती उरली.

म्हजे यादीक, हांव पळयता साकून ताची साठी हुंपिल्ली. हरशीं आमच्या गांवांत लग्न वा काजार जाल्ल्या वा जाणट्या बायलांक मानान 'आगे' म्हणपाची वा 'गे' प्रत्यय लावपाची पद्दत आसा, पूण जेबेल काजार जाल्ली बायल आसूनय ताका मात 'गो' म्हणटाले. घडये ताच्या अरवळपणाक लागून ताका कोण मान वा रेस्पेद दिनाशिल्लें आसत. म्हाका दिसता, अख्ख्या गांवांत जेबेलाक मान जर खंय मेळटालो, तर तो आमच्या घरांत! म्हजी आवय ताका 'आवो' म्हणल्या शिवाय उलो करनाशिल्ली. जाल्यार आजो तिका मुजरत 'भावडे' म्हण पाचारतालो.

जाणट्या वयारूय जेबेल रुपा-रंगान बरें दिसतालें. तें नाजूक आंगलोटीचें. गोरें-धवें. देंठलेन कुळंबी कापड न्हेसतालें. पूण तें एका दिसा वेवस्थीत न्हेसल्यार-दिसल्यार, दुसरे दिसा माथ्या वयले केंस पिसडून भोंवताना मेळटालें. तें आमच्या गांवांत भाजी विकूंक येतालें. पावस गिमांत 'वट्ट' करून तें भाजी रोयतालें आनी ती माथ्यार घेवन आशीकुशीच्या गांवांत व्हरून विकतालें. ताका तोंडान एक सारकें बडबडत रावपाची संवय आशिल्ली, एक विचारल्यार तें दुसरे सांगतालें. ताका हिशेब करूंक सारको येना आशिल्लो. ताका लागून लोक ताका नाडटाले. जेबेलाक तांच्या समाजांतल्या भौतेक बायलां भशेन

'धुंगटी' वोडपाची संवय आशिल्ली. सद्दां तिळसांजेचें तें गादयेर वचून इल्लें 'कोपाचें' घेतालें. कोपाचें घेतलें म्हणटकच ताची बडबड अदीकच वाडटाली. केन्ना केन्नाय तें अशें मोट्यामोट्यान बडबडत आपल्या गांवांतल्यान आमगेल्या गांवां साकून केप्यां वतालें वा केंपेच्यान आमच्या गांवच्यान चलत, आपल्या गांवांत वतालें.

जेबेल आपल्या घरांत एकटेंच रावतालें. ताचो घोव खंय काजार जावन रोखडोच ताका सोडून दुसरे बायलेक घेवन राविल्लो. तेन्नाच्यान तें खंय तकलेन 'फालयाद' जालें अशें एका दिसा आईन सांगिल्लें. जेबेलान खंय एक चेडो पोसको घेतिल्लो. ताका बरो ल्हान-व्हडय केल्लो, मात तो एका दिसा ताका सोडून आपल्या खऱ्या मांय-पाय म्हऱ्यांत गेलो. तेन्नाच्यान जेबेल घरांत एकटेंच रावतालें. चेडो सोडून वतकच खंय जेबेलान घरांत खूब माजरां पोसलीं. ह्या माजरां कडेन तें मनशां सारकें उलयतालें. 'हें खाया गो! तें जेयाय गो! म्हाजो बाब तो! म्हाजो पूत तो! म्हागे धूव ती' अशें करत रावतालें!

ह्या माजरां मदीं एक धवो बुकलो आशिल्लो, तो तर आपलो चेडोच म्हूणून तें सगळ्यांक सांगतालें आनी दीसभर ताका वेंगेंत घेवन भोंवतालें. ताका लागून गांवचे सगळे वाळेस भुरगे ताका 'बुकल्या आवय' म्हणून तिडायताले. आमचे गांवचे भुरगेय, तें रस्त्या वयल्यान वतना दिसले म्हणटकच 'ये बुकल्या आवय' अशें मोट्यामोट्यान म्हणत ताका येडायताले. तें आयकलें म्हणटकच जेबेल सामकें चाळवतालें. मागीर ताची बडबड वाडटाली. मोट-मोट्यान आड्डत-बडबडत, तांकां गाळींचो शिंवोर घालतालें.

गांवचे भुरगे जेबेलाक चाळयतात तें म्हाका बरें दिसनाशिल्लें, ताचे जिणेची खबर कळत साकून तर ताचे विशीं म्हज्या मनांत अदीकच सहानभुती तयार जाल्ली, देखून भुरगे ताका चाळयतात तें दिसल्यार हांव तांचेर धेंकणो घालतालें. केन्ना केन्ना भुरगे म्हाका आयकनाशिल्ले तेन्ना मागीर हांव आईक येवन सांगतालें. आई मागीर तांकां उजरावन काडटाली. आई तापली म्हणटकच

भुरगे ओग्गी रावताले हें खरें पूण तें तितल्याच वेळा पुरतें. तांचें परत 'ये रे म्हाज्या मागल्या' जाताले.

जेबेलाच्या फालयादपणाचो एक प्रसंग म्हाका घट याद आसा. ते दिसा दिवाळी आशिल्ली. सकाळीं फोव-बीव खावप, देवाक दाखोवप, उंवाळप... जाल्लें आनी आई बांयचेर उदक हाडूंक गेल्ली. (तेन्ना गांवांत नळ पावलो नाशिल्लो). आमचें घर आलतडीं, मदीं रस्तो आनी पतलडी बांय. आई दोड घेवन येताली. इतल्यांत जेबेल माथ्यार हात धरून मेल्ल्याक बोंब मारता, तशी बोंब मारीत येतना दिसलें. आई भियेली. तिणें थांबून ताका कितें घडलां तें विचारलें, जाल्यार ताणें कांयच जाप दिली ना, फकत ''म्हाका येदी चाव दी!'' म्हणून सांगलें. आईन म्हाका उलो मारून ताका च्या आनी फोव दिवंक सांगलें. हांवें एका खोल्यार फोव घालून आनी ग्लासांत च्या घालून ताका हाडून दिली. ती घेवन तें आंगणाच्या एका कोनशाक बसून बकबक करून खावंक लागलें. इतल्यांत आई दोड ओतून भायर आयली.

जेबेल एकेवटेन रडटालें, एकेवटेन खातालें. हांव आनी म्हजो धाकटो भाव आंगणांत ताका पळयत उबीं आशिल्लीं.

रडटां रडटां तें म्हणूंक लागलें, ''पोट फुटोन भूक लागलेली रे देवा! मोत्ता येशें दिसोलें म्हाका!''

आईन ताचेर म्हणलें, ''भुकेक लागून रडटालें तर गो तूं!''

आईलीं उतरां, आईच्या तोंडांतच आसात, जेबेलाचें कितें जालें तें खबर ना, ताणें हातांतल्या फोवाचो खोलो चप्प करून आईच्या तोंडार शेवटून मारलो आनी ''मोरों, पाड पोडो!...'' अश्यो गाळी संवत चलूंक लागलें.

आई सयत आमी भुरगीं थक्क जावन ताका पळयतच उरलीं. आईय मागीर चाळवली. 'केन्ना ह्या पिश्याक दारांत उबी करून घेवची ना' म्हणूंक लागली. पूण अशें म्हणिल्लें तशें वागल्यार ती आमगेली आई खंयची? ती

थोड्याच दिसांनी जेबेलान कितें केल्लें तें विसरली आनी ताचे कडेन बरी उलोवंक लागली. दारांत येतकच ताका च्या-पाणी दिवंक लागली.

जेबेल आतां ह्या संवसारांत ना, म्हाका दिसता हांव कॉलेजींत शिकता आसतना तें भायर पडलें आसूंक जाय. आमचो शेताचो भागेली एका दिसा आईक सांगतना हांवें आयकल्लें, "तेचो धवो बुकलो मरतकच तें सामकें सतर-वितर जालेलें. कांयच जेयना-खायना आसलेलें. पयर न्हिदले कडेनच सोंपलें! देवान तेका बरें मरण दिलें! हांथुणार कुसयलें ना!"

जेबेल मेलें. आमच्या तशेंच ताच्याय गांवांतले लोक ताका विसरले आसतले पूण म्हाका मात माथ्यार भाजयेचो पाटलो घेतिल्ली, देंठली न्हेशिल्ली क्रिस्तांव कुळंबी समाजांतली कोणूय जाण्टी याज़ी दिसली म्हणजे ताची नकळटां याद येता.

□

14.

भागरती

हांव सातवेक बी आसतलें तेन्ना. आमगेलें शेत मळटाले. आजो, आई, पापा... सगळीं जाणां शेतांत गेल्लीं. ते दिसा हांव पयलेच फावट शेतांत गेल्लें. आईन व्हडल्या भावा बरोबर उदक घेवन शेतांत यो सांगिल्लें.

खळार वचून हांव अप्रूपान सगळें नियाळटालें. इतल्यांत आमगेल्या

खळा कडल्यान बरेंच पयस निर्जन मड्डेर म्हाका एक घर दिसलें. घर कसलें? ताका खोपूच म्हणूंक जाय. चुडटांनी शिंविल्लें. मात भोवंतणी वंय आशिल्ली. हांवें अजापान आवयक तें कोणालें घर काय म्हण विचारलें. आवयन सांगलें, "मागीर सांगता."

दुसरे दिसा, आवयन आपूण जावन सांगलेंना, पूण हांवें विचारतकच तिची खबर सांगली. मागीर एका दिसा आवय बरोबर मामागेर वतना ती केंप्या बाजारांत दिसली. आवयनच ती म्हाका दाखयली. मोडवी, काळी भिल्ल, पूण आंगा-पांगान धश्ट-पुश्ट. अखंड पाटी कशी. तिणें रुपया येदो पिंजरीचो तिळो कपलाक लायिल्लो. केंसांचो खोपो घाल्लो. वय उतरिल्लें, पूण केंस काळे-किट्ट आशिल्ले. जांबळ्या रंगाचें णववारी कापड ती न्हेशिल्ली. कापडाचो जांबळो रंग तिच्या आंगाच्या काळ्या रंगांत भरसल्लो आनी ती अदीकच काळी दिसताली. ती चलताली मात घबघब करून, जणू काय तिचे फाटीक वाग लागिल्लो. तिच्या तोंडार उजवाड वा हांसो वखदाकय नाशिल्लो. सामकें तोंड मख्ख.

त्या दिसा उपरांत ती एक- दोनदां म्हाका इश्कॉलाक वतना वाटेर मेळ्ळी. हांव तिका पळोवन हांसलें. आई कडल्यान तिची खबर कळटकच तिचे विशीं म्हज्या मनांत एक आदर तयार जाल्लो. पूण तिच्या तोंडा वयली एक रेगय हाल्ली ना.

इश्कॉल सोपून कॉलेजींत पावतकच तिचें तोंड केन्ना पळयलें ना. मात केन्नाय शेतांत वतकच दोळे तिचें घर सोदताले. तेदोळ म्हणसर तिच्या खोपीचें, नळ्याच्या घरांत रुपांतर जाल्लें.

आई गेली आनी फाटलीं पंदरा वर्सां आमी शेताक विसरिल्लीं. शेत कोणाक तरी रोवपाक दिल्लें. तो कितें दिता, तें आमी घेवंक लागलीं. हे मदीं तिची आनी कोणाक याद आसा? पूण आठ दिसां आदीं ती गेल्ल्याची खबर गांवांत पावली. म्हज्याय कानार ती पडली आनी तिच्या भोगणारांची

याद परत मनांत जागी जाली. नेण्टेपणांतच न्ही तर जाण्टेपणांतय तिणें खूब भोगिल्लें खंय!

ती म्हणल्यार भागरती! लग्नांत कांजीण उतरायतकच घोवान तांदळांच्या ताटांत भांगराचे मुदयेन तिका तें नांव बरयिल्लें. पूण तो दीस सोडल्यार, तिच्या उरिल्ल्या जिवीतभर तिका कोणें केन्ना 'भागरती' म्हण उलो केलोच ना. सगळीं जाणां तिका 'भागें'च म्हणटालीं आनी तिवूय मागीर आपल्याक लग्नांत भागरती नांव दवरिल्लें, हें साप्प विसरून गेल्ली.

'भागरती' जावं वा 'भागें' जावं, दोनूय नांवांत 'भाग्य' आशिल्लेंच पूण तिच्या नशिबांतल्यान मात 'भाग्यान' जणू पळ काडिल्लो. तिच्या वांट्याक भरभरून आशिल्लें तें 'दुर्भाग्य!' हें दुर्भाग्य तिच्या जल्मा सावन तिच्या सांगाताक आशिल्लें.

ऐंशी वर्सां आदली गजाल. नेतुर्ले सारक्या रानवटी गांवांत दोन भयणींचेर तिचो जल्म जाल्लो. पयलीं म्हणल्यार, तिसरेंय 'चेडूं' जालें म्हण बापायचें आनी आज्जेचें तोंड काळें पडिल्लें, तातूंत उज्यांत तेल पडचें तशें, ताका जल्माक घालून, एक रात काडनासतना आवयन दोळे धांपले. पोटाक धड ना, संवसाराच्या हाल-उपाद्र्यांत स्वताचे भलायकेचेर लक्ष दिवप ना; वर्सा वर्साचें बाळंतपण...! खरें म्हणल्यार ताच्या आवयच्या मरणाक ह्योच गजाली कारण आशिल्ल्यो. पूण सगळ्यांनी भागरतीकच आवयच्या मरणाक जबाबदार मानली. तिच्याच पांयगुणान आवय गेली म्हणून सगळीं जाणा तिकाच खेपूंक लागलीं. बापूय तर तिका दोळ्यां मुखारच उबी करून घेनाशिल्लो. दिसल्यार 'आवय खायरें' म्हणून खेप घालतालो. स म्हयने मेरेन तिचो कोणें बारसो केलो ना, तिका 'नांव' दवरलेंना. शेवटाक गांवच्या बुदवंतान लक्ष घातलें, बापायक म्हणलें, ''चेडवाचो बारसो केलोना, तर फाल्यां लग्नाक अडचण येतली. तेका कितें घराच दवरतलों, गोमटेक बांदून!'' तसो बापूय तयार जालो. ताणें बारशाची भोगावळ केली. घरांत सवाशीण नाशिल्ल्यान, बुदवंताचे

बायलेनच तिच्या तोंडांत साकर घाली. नांव मात बापायचे सांगणे प्रमाण दवरलें, 'फोंडू'.

तिचो बापूय इल्लें शेत रोयतालो. पावसाळ्यांत रानांत जावपी भाजीपालो, कंदमुळां सोदून हाडटालो, न्हंय-व्हाळांतलें नुस्तें धरून हाडटालो. तिची आज्जी जशें जाता तशें, घरांत जी कितें मीठ-मिरसांग आसा ती लावन तांकां शिजोवन घालताली. आज्जेचोय हात तिच्या पानार वाडटना, फाटीं सरतालो. तिच्या बापायक आनी भयणीक दोन दोवले वाडल्यार, तिका अर्द दोवलो मेळटालो. पयलीं पयलीं ती आपल्याकय हेरांक वाडलां तितकेंच वाड म्हण रडटाली, मागीर बापूय तिचेर भिरंडा येदे दोळे करतालो, जें पानार वाडलां तें खा, ना तर तेवूंय मेळचेना म्हणटालो. बापायच्या दोळ्यांक ती थर्त भिताली. फुडें फुडें तिकाच संवय जाली. ती कसलोच हट्ट करना जाली. जें आज्जी पानार वाडटा तें मटामटा खावन उठूंक लागली.

गांवा वयल्या कुत्र्यान हांगा थंय हेडत दीस काडचे, तशें तिचें भुरगेपण गेलें. केंसांक तेल-फणी ना, आंगाक एक बारजणाचो कुडको बांदून ती वाड्या वयल्या हांगेल्या-तांगेल्या दारांनी भोंवताली. भूक लागली वा काळोख दाटलो म्हणटकच ती घरा कडेन वताली. घरांतलो कोण तिका मज घेवन आपयनाशिल्लो. व्हडल्यो भयणीय लागीं करनाशिल्ल्यो. एक वेळ, वाड्या वयलो वा गांवचो लोक तरी तिची काकूट करतालो पूण घरांतली न्ही!

चवथी-दिवाळेक तिच्या आंगार दोन उदकाचे तापिल्ले तांबये पडटाले. चार वर्सां जाय मेरेन आज्जेन धडपडत-फडफडत तें घातलें. मागीर तिची तीच न्हावंक लागली.

भाड्याबैलाक देवाची राखण म्हणटात, ते म्हणी प्रमाण पोटाक धड ना, वखद-विर्सत ना, नितळसाण-न्हाण ना, तरीय ती जगली!

ती स वर्सांची जाता म्हणल्यार तिच्या बापायन, व्हडल्या दोगांय

चेडवांचीं लग्नां केलीं, गांवांतच. लग्नां कसलीं तीं? एका कापडांत आनी एका नाल्लांत म्हणटा तशें सगळें गुटलावन घेतिल्लें. न्हवऱ्या कडले लोकय अकलेक आयिल्ले. तांकां शेतां-भाटांत वावरूंक मनशांची गरज आशिल्ली.

व्हडल्या भयणींचीं लग्नां जालीं आनी रोखडीच बापाय वटेच्या सोयऱ्यान हिका आमचे गांवची सोयरीक हाडली खंय. 'न्हवरेकाराक कांयच नाका! आंगा वयलें कापडूय तीं न्हेसोवन व्हरतलीं खंय! वयल्यान दोन मुडी तांदूळ तुका दितलीं!'

बापूय खूश जालो. ताकाय ती दोळ्यां मुखार नाका आशिल्ली. वयल्यान तिच्या बदलाक जे दोन मुडी तांदूळ मेळटले आशिल्ले ते घेवन ताकाय दुसरे बायले कडेन 'कापड न्हेसूंक' (दुसरें लग्न जावंक) मेळटलें आशिल्लें.

लग्न जालें आनी ती नेतुर्लेच्यान केप्यां पावली. ती एकदां केप्यां पावली, ती परत आनी केन्नाच आपल्या बापाय घरा गेली ना. तिका कोणें व्हेली ना, धाडली ना. ना म्हण बापूयय तिका केन्ना पळोवंक आयलोना. लग्न जालें आनी जणू तिच्या जिणेच्या पुस्तकाचें एक पान सांसणाचें धांपलें.

एक पान धांपलें तरी घोवागेर येतकच दुसरें पान उगडलें. आदले परस हें पान अदीक वणवण्याचें आनी वैदावासांचें आशिल्लें. तिची मांय एकदम खाश्ट. कजाग्र. चांटे-पावलाक तिका गाळ्यां शिंवोर घालताली. तिचे कडल्यान कश्टांची कामां करून घेताली. त्या वेळार गांवांतली जिणूय कश्टांचीच. न्हंयेचें उदक, कांडप-दळप घरा, शेतांतलीं कामां... हिका तीं पेलनाशिल्लीं. बापाय घरा तिका कोणें मायेन घातलें ना, पूण तिका वावराक घोळयली नाशिल्ली. आतां घोवाल्या घरांत तिच्या वांट्याक आयिल्लीं कामां तिका झेपना जालीं. कुडीनय ती अशक्त, बारीक बडी कशी आशिल्ली.

काम सारकें जालेंना वा केलेंना तर मांय तिका यतिश्ट बडयताली. स

वर्साचें पोर हाचें भान दवरनासतना तिचेर मांयपण गाजयताली. दोन दोन दीस उपाशी दवरताली.

घोव एकदम आवयचे मुठींत. तो वया वयलो मानाय जाल्लो. शेता-भाटांत वावुरतालो. भुरगेपणांत ताका 'बारीक जोर' आयिल्ल्यान, आशीकुशीच्या, वळखी-पाळखीच्या गांवांत कोणूच चेडूं दिवंक तयार नाशिल्लो, म्हुणून ताचे आवयन दोन मुडी तांदूळ दिवन अशें पयसुल्ल्यान विकतें चेडूं हाडिल्लें. तशें तांगेरय 'घर भरून दार ओत्तालें' अशी स्थिती नाशिल्ली. तिकाय दोन मुडी तांदूळ जमोवंक बरेच त्रास पडिल्ले. आनी आतां ती ते त्रास अशी सुने कडल्यान वसूल करून घेताली.

घोवाक भागरती केन्नाच आवडली ना. शिवाय ती वयांत येसर ताका थार नाशिल्लो. तो भायर मजा करतालो. मागीर ती वयांत आयली, तसो तो रातचो तिच्या हांथुणार येवंक लागलो. आपलें काम सोपोवन मुकाट्यांनी वचूंक लागलो. पूण तो केन्ना तिचे कडेन गोडी-गुलाबीन उलयलो ना, तिचो भावना केन्ना ताणें फुलयल्यो नात. खूब दीस पोटाक फाळो पडिल्ल्या मनशान मुखार आयिल्लें अन्न भकभक करून खावचें, तशें तो तिचे कडेन वागतालो. तिकाय तें असह्य जातालें. पूण कितें करतली? कोण आशिल्लो तिचे मायेचो? कोणाक सांगतली आपलें दुख्ख ती?

आनी एका दिसा तिका तिचें सूख-दुख्ख आयकुवपी मनीस मेळ्ळो. मांयन तिका चिऱ्याचे खणीर कामाक धाडली. थंय तो तिका भेटलो. तो तिगेल्या घोवाल्याच गांवचो. ताचीय बायल मेल्ली. हिचे वनवास ताणें आयकल्ले, पळयिल्ले. चिऱ्याखणीर एकठांय वावर करतना, तो तिचे कडेन मायेन उलोवंक-बोलूंक लागलो.

आजवेर तिचे कडेन ताचे इतके मायेन कोणूच केन्ना उलयलो नाशिल्लो. ती पागळ्ळी. आपल्या मनांतलें सगळें सूख-दुख्ख ताच्या म्हऱ्यांत ओकूंक लागली.

खरें तर ताचे आनी तिचे मर्दी सुरवेक इतकेंच नातें आशिल्लें खंय. तो वयान तिचे परस धा-पंदरा वर्सांनी व्हड. व्हडपणाचे भावनेन तो तिका समजायतालो, धीर दितालो. पूण लोकांनी 'वा' ची 'वार्ता' केली. ताणें तिका केन्ना एक बोटय तेंकयलें ना पूण लोकांनी, तिका ताचे म्हऱ्यांत झाडां-झिलींनी न्हिदिल्ली पळयिल्ल्याची अफवा उठयली.

मांयन 'गांवपण' आपयलें. बुदवंतांनी घोवाचें मत विचारलें. ताणें स्पश्ट सांगलें, "परक्या दादल्या म्हऱ्यांत न्हिदिल्ली बायल म्हाका नाका!"

आतां मेरेन हिकाय तोंड सुटिल्लें. हिणेंय बुदवंतांक सरळ सांगलें, "असल्या हलक्या कानांच्या दादल्या बरोबर हे फुडें म्हाकाय रावपाचें ना!"

हिच्या इश्टाचेंय बुदवंतांनी मत घेतलें. ताका जर तिचे बरोबर संवसार करपाचो आसा तर तो जरूर करूंक बुदवंतांनी मान्यताय दिली, मात दोगांयकय गांवचे शिमे भायर रावचें पडटलें अशें स्पश्ट सांगलें.

दोगांय तयार जालीं. त्या काळा वयले रिती प्रमाण बुदवंतांनी तिचे मांयक तिका गरजे पुरतो आयदन-खोलो, न्हेसण-पांगरुण आनी इल्लो तांदूळ-गोटो दिवंक लायलो. तो घेवन भर दनपारच्या कडार ताच्या सांगातान ती गांवा भायर गेली.

गांवचे शिमे भायर तीं दोगांय एक खोप बांदून रावलीं. तिचो थंय एका वर्साचो काळ सुखाचो गेलो. पूण दैवाक तें सूख पळोवंक जालें ना. चिऱ्यां खणीर धड कोसळून, तो मातये पोंदा पुरवून मेलो.

तिच्या माथ्यार मळब कोसळ्ळें. पूण तिणें तातुंतल्यान स्वताक सांवरलें. कंठांत प्राण आसा तोमेरेन जगपाची धडपड करूंक जाय, हें सत्य तिणें जाणलें. पूण आतां त्या खणीर तिच्यान कामाक वचूंक मात जायना जालें. तिणें लागसरल्या गांवच्या एका घरांत वावर धरलो. व्हडलें कुटूंब. घरांतलो घश्टो सोंपून सोपनाशिल्लो. जीव रडकुरो जातालो. पूण तिणें 'बें' म्हणलें ना.

प्रामाणीकपणान थंय काम केलें. स्वताचें पोट पिकलें ना, तरी त्या घरांतल्या भुरग्यां-बाळांचें गू-मूत मायेन काडलें.

त्या घरांत झरतां झरतां तिचे केंस पिकले, गात्रां आंवुळ्ळीं, आनी मसणांत वचपाच्या वेळार कोणें तरी तिका एक सुबुद्ध म्हणात वा दुर्बुद्ध ती दिली. तिणें एका धडधाकट मानाय पोराक पोसको घेतलो. बेळगांवचो. एका पसऱ्यार पुडयो बांदूक आशिल्लो. तिची ताची वळख जाली. खंय तरी तिच्या मनांत आशेचो कोंब किल्ललो, ‘जाण्टेपणांत आदार जातलो!’

पूण तिचे आशेचो कोंब रोखडोच बावलो. ताणें गोड गोड उलोवन तिचें घर-दार, तिचे कडेन बँकेंत सांठयल्ली माया सगळी आपल्या नांवार करून घेतली आनी तिका घराच्या बागेलांत काडून उडयली. मागीर ताचे बायलेच्यो गाळयो-विस्त्यो खायत ती त्या बागेलांत पडून आपल्या निमण्या खिणाची वाट पळोवंक लागली.

...आनी आठ दिसां आदीं तो खीण उदेलो... आपल्या भाग्यांतले सगळे भोगणार भोगून तिणें ह्या संवसाराचो निरोप घेतलो.

□

15.
भिमा आका

भिमा आका काणयो गावपांत फिशाल आशिल्ली. 'राजा चंद्रहास' आनी 'भोवळी गाय' ह्यो तिच्यो आवडट्यो काणयो. आवडट्यो म्हणचे परस ह्यो काणयो तिचीच मक्तेदारी. गांवच्या हेर बायलांकय तिचे कडल्यान आयकून आयकून त्यो काणयो पाठ जाल्ल्यो. पूण भिमा आका सारकें

प्राविण्य तांचे कडेन नाशिल्लें. ताका लागून त्यो ह्यो काण्यो गावपाचे भानगडींत पडनाशिल्ल्यो.

भिमा आका सभावान सरळ-सादी. कोणेंय, केन्नाय ''भिमा आका काणी गाय म्हगो!'' अशें म्हणलें जाल्यार इल्लोय नखरो करनासतना रोखडीच ताचे खातीर काणी गायताली. शेतांत रोंपतना-नडटना तर भिमा आका आसली जाल्यार बायलो सामक्यो उमेदीत जाताल्यो. भिमा आका तांचे सांगणे प्रमाण काणयो गायताली. मागीर एकेवटेन भिमा आकाच्या गळ्यांतले सूर आख्खे शेतवडींत पातळटाले आनी ताच्या तालार बायलांचे हात झपझपीत काम करताले. ताका लागून चडश्यो शेतकान्नी आपल्यागेल्या शेतांत जेन्ना कामेरीं आपयतालीं, तेन्ना मुजरत भिमा आकाकय आपयताल्यो. बायलोय खंय शेतकान्नीन कामाक आपयतकच विचारताल्यो, ''भिमा आकाक आपयलां मगे!''

म्हजे पणजेन म्हाका एका दिसा सांगिल्ले, ''जाणा बाये, भिमाक शारदेचो वर आसा. तिच्या गळ्यांतल्यान सामके किनरी वाजयिल्ले सारके गोड सूर भायर सरतात. तें गावंक लागलें म्हणचे सुकणीं-सावदांय खंय आपलें रडणें विसरतात!''

तशी म्हजी पणजीय काणयो सांगपी. 'कुंडेकुस्कूर', 'सोनसावळें', ''सबूर राजा', 'आटवो-बिटवो', 'छप्पनभाशी कीर- गावपी झाड आनी भांगराचें उदक', 'पडवळ्या वाल आनी भोंवर' अश्यो जायत्यो काणयो तिणें भुरगेपणांत म्हाका आनी म्हज्या भावाक सांगिल्ल्यो, पूण तिका 'गीत काणयो' (गावन काणयो) येनाशिल्ल्यो. तशें पळोवंक गेल्यार म्हज्या भुरगेपणांत चडश्या सगळ्याच जाणट्यां बायलांक 'काणयो' कळटाल्यो. पूण 'गावन काणी' सांगपाचो भिमा आका सोडून दुसऱ्या कोणाकडेनच हातखंडो नाशिल्लो.

हांवें भुरगेपणांत केन्ना भिमा आकाच्यो काणयो आयकल्ल्यो नाशिल्ल्यो.

त्यो आयकुवपाचो योग म्हाका आयलो हांव म्हैसुराक लोकवेदाचो कोर्स करूंक वतकच. जेन्ना प्रॉजेक्टाखातीर फिल्ड वर्क करूंक हांवें माहितागारांची वळेरी भावाच्या आदारान केली, तेन्ना मर्तें आका फाटोफाट भिमा आकाचें नांव तातूंत आशिल्लें.

मर्तें आकासारखें भिमा आकाकय आईनच सांगलें. भिमा आका मोटे खोशयेन तयार जाली. वयल्यान काणयो केन्ना सांगू म्हण विचारपाक आपूणच आमगेर आयली.

''भिमा आका 'राजा चंद्रहास' आनी 'भोवळी गाय' ह्यो दोन बऱ्योऽऽ काणयो सांगता, त्यो गांवांत आनीक कोणाकच कळनात!'' अशें म्हाका म्हजे पणजेन भुरगेपणांत सांगिल्लें. एका दिसा आमच्या दारांतल्यान शेतांत वचूंक वतना ती पणजेची खबर घेवंक म्हण घरांत भितर सरिल्ली, तेन्ना पणजेनच तिच्या काणयांची गजाल म्हाका सांगिल्ली.

म्हज्या लोकवेद संकलन काळांत पणजी संवसारांत नाशिल्ली, पूण हांवें भिमा आका येतांच सगळ्यांत पयलीं तिचेकडल्यान त्यो दोनय काणयो गावन घेतल्यो. सामके तन्मयतेन तिणें त्यो गायल्यो. म्हाका घट याद आसा, गायता गायता तिचो गळो भरून आयिल्लो. तिणें म्हणिल्लें, ''बाये, भटांचे पडवेर पन्नास- साठ वर्सां पयलीं आयकल्ल्यो ह्यो दोन काणयो हांवें कितक्या लोकांक गावन सांगल्यो तेचो हिशेब ना! पूण एकट्याय सभाग्यान त्यो गांठीक बांदल्योनात! आतां म्हाजें जाण्टेपण जालां! फाल्यां हायें दोळे धांपल्यार म्हाज्या बरोबर त्यो शेणटल्यो आसलेल्यो! पूण बाये, तूं आतां त्यो पुस्तकांत घालता म्हणटकच हुस्को ना! हांव मेल्यारूय त्यो उरतल्यो जिवंत!''

भिमा आका पळोवंक काळी-सावळी, जिवान लांब-रूंद आशिल्ली, पूण तिच्या कमराक इल्लीय बाग नाशिल्ली. जाण्टेपणांत मात्शी थकिल्ली, पूण बागवल्ली नाशिल्ली. आंगार णववारी कापड वेवस्थीत न्हेसताली.

स्वता हातांनी शिंविल्ली गांठीची चोळी घालताली. तिचे केंस मात चड जाण्टेपण जावचे आदींच अख्खे रुपेरी जाल्ले. त्या रुपेरी केंसांचो ती इल्लोसो गांठ मारून आंबाडो घालताली. हाताक तेन्नाचे रितीप्रमाण कांशाची कांकणां आनी गळ्यांत एक तुळशीची माळ. तिच्या कमराक खावचेपान-सुपारेची चंची खोयिल्ली आसताली. तशेंच पदर सदांच खांदार पांगुरिल्लो आसतालो.

भिमा आकाक गांवचे जाण्टे-गांवकार 'देसायण' म्हण पाचारताले. ती देसायणीच्याच मानान वावुरताली. कितेंय अघळ-पघळ उलोवप, कोणाक गाळी-विस्ती घालप, तिच्या सभावांत नाशिल्लें. ती जातीनय 'देसाय' आशिल्ली. तिगेलो घोव आमगेल्या गांवचो 'थाणगी', म्हणचे गांवचो राखणदार आशिल्लो. आयचे भाशेंत 'थाणेदार' कसो. शिगम्याचे परबेक 'खेत्र करपाची' म्हणचे 'कोंबे' कापपाची जबाबदारी ताचेर आशिल्ली. हे सेवे खातीर ताका शेत-जमीन सुटिल्ली. पूण तो ऐन वयार गेल्लो खंय.

घोव गेल्लो तेन्ना भिमा आकाच्या पदराक दोन ल्हान चेडे भुरगे आशिल्ले. तिणें हात-पांय सोडलेनात. आपल्या पुर्वजाक, म्हणचे 'म्हाल-थाणग्याक' उलो केलो, ताका हात जोडले, दी ताकद म्हणलें, आपल्याक भुरग्यांक ल्हान-व्हड करूंक आनी प्रसंगाक फुडो केलो. शेज-पाजऱ्यांच्या आदारान शेतांत जोतां घातलीं. शेत पिकयलें, नाचणो-कुळीद रोयलो. फोव कांडून विकले, चिरमुल्यो करून विकल्यो. वेळार कोणागेरूय रोवंक-लुवूंकय गेली.

कशेतरेन करून तिणें दोगांय पुतांक ल्हान-व्हड केलें. एकटो पूत गांवांतच रावलो, थाणगीपणा वांगडा पाडेलपणूय करूंक लागलो. दुसऱ्यान शेजारच्या गांवांत ल्हानसो धंदो सुरू केलो. भिमा आकान नात्यांतलींच चेडवां पळोवन दोगांयचीय लग्नां करून दिलीं.

पुतांचें फुलिल्ले संवसार पळोवन भिमा आकाक समाधान जातालें.

पूण तिच्या मनांत थोडी खंतय आशिल्ली. तिच्या थाणगी पुताक इल्लें 'कुट्ट' करपाचें वेंसन लागिल्लें. भिमा आकाक तें मानवनाशिल्लें. ती तशी उलोवनय दाखयताली.

भिमा आका आपलें जीवन सरळपणान जगिल्ली. केन्नाच एक पावल तिणें वांकडें पडूंक दिलें नाशिल्लें. काम नासता, बेकार आसता तेन्ना ती हांगा थंय केन्नाच कोणाचे धवळे करूंक वचनाशिल्ली. ती सरळ उठून गांवच्या उंचल्या भटाले चवकेर बसताली. भटागेर कसले ना कसले होम-हवन, मंत्र-जप, पोथी-पुराण चालूच आसतालें. श्रावण म्हयन्यांत तर तांगेर बायलांची मंगळागौर-व्रतां, बायलांचीं गितां-गायनां जातालीं. ती तांगेर बसून पत्रावळी लायतां लायतां वा वाती वळटां वळटां तें आयकताली, पळयताली. गितां-कथा, मनांत घट्ट धरताली. केन्ना दादाभटा कडेन शास्त्रां-पुराणाचेर चर्चाय करताली, तर केन्ना आपल्याक खबर आशिल्लीं पदां-काणयोय गावन दाखयताली.

'चंद्रहास' आनी 'भोवळी गाय' ह्यो काणयो खंय तिणें भटाले सुनेच्या नाशिकाक रावपी एके पयसुल्ले मावशे कडल्यान आयकल्ल्यो. ती एका दिसा ह्या भटांगेर आयिल्ली तेन्ना तिणें त्यो बायलां - भुरग्यांखातीर गायिल्ल्यो. भटाल्या सुनां-भुरग्यांनी त्यो, ह्या कानान आयकून त्या कानान सोडून दिल्ल्यो मात भिमा आकान त्यो गांठीक बांदून दवरिल्ल्यो. त्यो आपल्योच काणयो कश्यो कितक्या तरी लोकांक व्होडविकेन गावन सांगिल्ल्यो.

हांवें मात भिमा आका कडल्यान त्यो काणयो डोक्युमेंटशनाच्या निमतान पयलेच फावट आयकल्ल्यो. त्या दिसा तिचे कडल्यान त्यो काणयो दस्तऐवजीत केल्या उपरांत हांव रोकडेंच म्हैसुराक परत गेलें. योगायोग असो, म्हैसूर विद्यापिठाच्या ग्रंथालयांत एका मराठी लोककथेच्या पुस्तकांत 'चंद्रहास' काणी आनी 'ओडीसी' लोककथेच्या पुस्तकांत 'भोवळी गाय' ह्या काणयांचें समरूप आशिल्ल्यो काणयो म्हज्या वाचनांत आयल्यो आनी सांस्कृतीक

देवाण-घेवणाच्या कार्यांत भिमा आकाचें कार्य कितकें म्हत्वाचें आसा तें म्हज्या लक्षांत आयलें.

आपल्या फाटल्यान त्यो दोनय काणयो पुस्तकांत तरी उरतल्यो हाचें समाधान ते दिसा भिमा आकान प्रगटायिल्लें. ‘बोलाक फुलाक गांठ’ म्हणटा तशें आसत, वा आपल्या कडलो मोलादीक खजिनो योग्य जाग्यार पावलो हाचें समाधान आसत, हें हांव नकळ, पूण त्यो काणयो हांवें घेतल्या उपरांत स म्हयन्या भितरच ती गेली. हांव म्हैसूर सावन कोर्स पुराय करून घरा परतें येतांच म्हाका तिची खबर कळ्ळी. आयकून म्हजें मन सुन्न जालें. ‘नियती’ म्हणची काय ‘इत्साबळ’ म्हणचें म्हाका कांय वेळ समजलेंच नाशिल्लें.

भिमा आकाच्यो त्यो दोनय काणयो उपरांत हांवें ‘कणेर खुंटी नारी’ ह्या म्हज्या लोकगितांच्या संग्रहांत उजवाडायल्यो. आमोणें गांवचे शिमे भितरच इतको तेंप रावतल्यो ह्यो काणयो आतां त्या पुस्तकांच्या रुपान गोंयभरच्या अभ्यासक आनी संगीत मोगीच्या घर-घरांनी पावल्यात. परिसंवाद-परिचर्चे निमतान त्यो बुद्दीवादींच्या व्यासपिठांचेरूय पावल्यात.

भिमा आका आयज ह्या संवसारांत ना, पूण ती आशिल्ली जाल्यार आपल्या ह्या काणयांक मेळिल्लो भोवमान पळोवन निश्चितच खूब खोशी जातली आशिल्ली.

□

16.
फुलकार बाप्पा

भुरगेपणांत जेन्ना हांव आई-पापा बरोबर शेजारचे घुड्यावेले जात्रेक वा कट्यावेल्या संवसार पाडव्याच्या उत्सवाक वतालें, तेन्ना ताका हांव पळयतालें. देवळा दारांत फुलां विकूंक बशिल्ल्या बायलां मदीं तो बशिल्लो आसतालो. मुखार एका साकाचेर शेंवतीं, कांदळां, वोवळां, सुरगां... तरेकवार फुलांच्यो फांतयो-झेलो-सर मांडिल्ले आसताले. एके कुशीक फुलांनी भरिल्लो कुरपांडो आसतालो जाल्यार मुखार पॅत्रोलाची मिणमिणटली चिमणी. एकेवटेन गिरायक करीत, त्या पेत्रोलाच्या दिव्या उजवाडांत, दाव्या पांयाच्या आंगठ्याक, वावळी घुस्पावन तो नकसूदपणान फांतयो घालतालो. ताका पळोवन म्हाका अजाप जातालें. फुलां विकपी सगळ्यो बायलो- फुलकान्नी! आनी तांचे मदीं हो एकटोच दादलो कसो? ताका लज बी दिसना काय ह्या बायलां मदीं एकटोच बसपाक?...

तेन्नाच्या काळार जात्रेक गेलें म्हणटकच फुलां फांतयो घेवन माळपाची, ना तर घरा व्हरपाची चालच आशिल्ली. म्हजी आवय बरोबर आसल्यार ती चांमुडेश्वरीक 'फुलांचें ताट' विकतें घेवन भेट व्हरताली आनी देवळांतल्यान भेट घेवन भायर येतकच आपल्याक आनी म्हजे खातीर फुलांच्यो फांतयो घेताली. केन्ना आई बरोबर नासल्यार पापा म्हजे खातीर फुलां घेतालो आनी आईकय फांतयो घरा व्हरतालो. म्हाका भुरगेपणांत फुलांचो खूब सोंस आशिल्लो. दोन विणयांचेर हांव येद्द्यो येद्द्यो फांतयो वा झेले माळून भोंवतालें. केन्ना म्हाका ल्हान हळी बी घेवन दिल्यार फुगडो मारतालो.

आई-पापा ताचे कडेनच फुलां घेतालीं. सगळ्या फुलकारां मदीं ताचीच फुलां पळोवंक बरींऽऽ, ताजीं टवटवीत दिसतालीं. ताचे कडेनच लोकांची चड गर्दी आसताली. ताच्या फांतया वयलीं तर नदर काडूंक जायनाशिल्ली. शेंवत्यांचेर तांबडी बेगड, बोकोडयो, झीग घालून तो बऱ्यो सुंदर फांतयो घालतालो. आबोलीं, मागीर तीं रतन आबोलीं आसूं वा पिशीं आबोलीं, मदीं एक एक हळडुवें शेंवतें धरून बोकोडयाचें पान वा केंसराचें कणस आनी झीग

लावन तो तांच्यो हळयो- पटयो घालतालो वा झेले गुंततालो. त्यो पळोवन इतक्यो सोबीत दिसताल्यो, सामकी तांचे वयली नदर काडूंक जायनाशिल्ली. चुट्टेचेर शेंवतें वा साळक बसोवन तो कमळां करतालो. शिवाय वोंवळां, कांदळां, सुरगांचे गच्च-लांब सर! ताचे मुखावेलीं फुलां पळोवन हांव सामकेंच पिशें जातालें. म्हाका 'हें घेवूं, काय तें घेवूं' जातालें! हांव ताच्या सगळ्याच फुलांक हात लायतालें. मागीर आवय बरोबर आसल्यार धेंकणेताली, "हात लायनाका गो ताच्या फुलांक! इबाडटलीं तीं! तुका खंयची फांती जाय ती तोंडान सांग!"

तो मात कांय म्हण नाशिल्लो. एक तर मुमुरको हांसतालो वा आईक, "आसूं गे वयनी, भुरगें तें! भुरगीं तशींच करतात!" अशें म्हणटालो.

म्हज्या बापायची आनी ताची बरी दोस्ती आशिल्ली. पयलीं, म्हणचे भुरगेपणांत तें म्हाका खबर नाशिल्लें, मागीर कळ्ळें. म्हज्या बापायन आनी ताणें जायत्या काल्या-नाटकांत वांगडा पार्ट (सवंग) केल्लें खंय. फुलां घेवंक गेलीं म्हणटकच तो आनी म्हजो बापूय खबरी मारतात हें मात हांवें भुरगेपणांत नोंद केल्लें. मागीर केन्नातरी हांव व्हड जातकच खबऱ्यां-खबऱ्यांनी बापायन म्हाका, आपणें आनी ताणें वांगडा जायते पार्ट केल्ल्याची खबर सांगिल्ली.

तो म्हज्या बापाय कडल्यान वा आई कडल्यान फुलांचे पयशेच घेवंक तयार जायनाशिल्लो, पूण तीं फोर्सान ताका पयशे दितालींच. मागीर तो आपली म्हुणून एक फांती काडून दितालो. हांव बरोबर आसल्यार तो म्हाका आपणें केल्लें 'कमळ' दितालो. तें बेगीन बावनाशिल्लें. हांव तें कितकेतरी दीस माळटालें. सामकेंच सुकलें म्हणटकच मागीर काडून पुस्तकांनी घालतालें.

रंगान काळो-सावळो, किडकिडीत. तोंडार नमळायेचे भाव. केंस मात ताचे लांब आशिल्ले. ते ताचे मानेर लोळटाले. ते तो केन्ना कापच नाशिल्लो

आसूंक जाय. भुरगेपणांत म्हाका दिसतालें, तो बायलां मदीं बसता म्हुणून केंस लांब दवरता आसतलो. पूण विचारल्यार आई-पापा तापत म्हुणून ताच्या लांब केंसा विशीं पडिल्लो प्रस्न हांवें मनांतच दवरिल्लो. उपरांत हांव कॉलेजींत बी वचपाक लागतकच, म्हज्या बापाय कडल्यान ताच्या नाटकांतल्या-काल्यांतल्या सवंगां विशीं कळ्ळें, तेन्नाच ताच्या लांब केंसा विशींचें गूढ सुटलें. तो चडशी 'स्त्रीपात्राची भुमिका' करतालो. केंसांक चंवरी वा वीग घालपाक नाका म्हुणून ताणें आपले केंसच वाडयिल्ले. वय वाडटा तसो नाटक-कालो उरलो, पूण ताच्यान मागीर आपल्या केंसांक कातर लावूंक जायना जाली. ताचे लांब केंस, ताच्या व्यक्तिमत्त्वाचो एक भाग जाल्लो. जाण्टेपणांत मागीर तो त्या केंसाचो 'आंबाडो' घालून भोंवतालो. तो आंबाडो, ताचे वळखीची कुरू जाल्ली.

ताचें नांव गोपी. ताचें घर पर्वतार, म्हणचे 'चंद्रनाथ पर्वतार' आशिल्लें. तो 'पर्वता दोंगोर' दर दिसा देंवन सकयल मुळसांत वा पाड्डे-केपेंच्या बाजारांत येवन आपले वेव्हार करतालो. तो म्हाका निमणो मेळिल्लो तेन्ना ताणें वयाची पंचात्तरी हुंपिल्ली. तरी तो सपाट जमनी वयल्यान चलचें ते प्रमाण सहज पर्वत चडटालो, देंवतालो. ताची हाडकुळी कूड थकिल्ली, पूण पांय मात पर्वताची पाशाणी सोंपणां चडूंक-देवूंक कशेच भिनाशिल्ले. हें ताणेंच म्हाका सांगिल्लें.

तो निमणो जेन्ना आमगेर आयिल्लो तेन्ना हांवेंच ताका प्रस्न केल्लो, "बाप्पा, पर्वतारूच रावता रे तूं आजून?... मागीर तुका ह्या वयांत सदूदां पर्वत देंवन-चडून वतना त्रास जायनात? जाता रे तुज्यान सोंपणां चडूंक तीं?"

हांवें खरें तर म्हज्या अणभवान ताका प्रस्न केल्लो. पर्वतार आतां रस्तो जाल्लो आसा, थळांतल्यान वयर वचूंक एक थोडीशींच सोंपणां तितकींच

चडचीं पडटात. पूण तिंवूय चडपाच्या भंयान हांव कितकीशींच वर्सां जाल्लीं, पर्वतार गेल्लेंच नाशिल्लें!

म्हज्या प्रस्नाचेर ताणें जाप दिल्ली, ''सगळी त्या वयर बसलेल्याची कृपा बाये! आख्खें जीवन गेलें म्हाजो तो पर्वत देंवन-चडून! पांय फुटिल्ले तेन्ना सावन हांव चडटां तीं सोंपणां! काळखांत, दोळे धांपूनय चडूंक शकतां, इतकी त्या सोंपणांची आनी वाटेची वळख जाल्ली आसा पांयांक! आतां रस्तो जाला वयर वचूंक, पूण तो गाडयांक! आमी थळकरी पांयवाटेनच वतात वयर!... सत सांगता बाये, जीव थकला आतां, पूण पांय मात सदचे सरांवान आपूणशेच पाशाणां चडून वयर पावतात!... इतकी वर्सां त्या देवळांत बसलेल्यांची सेवा केली, घडये तेचेंच फळ आसत तें!''

''...आनी धुये, पर्वतार न वचून खंय रावतलों हांव? ह्या वयार दुसरें घर बांदूंक जाता म्हाज्यान!... आनी त्या देवळांत बसलेल्याक सोडून तरी वचूंक जाता दुसरे कडेन!... आतां तेच्याच पांयां कडेन दोळे धांपपाचे!''

आनी खरें, म्हाका खबर मेळ्ळ्या ते प्रमाण ताणें पर्वतारूच आपलो प्राण सोडिल्लो. निमाणो हॉस्पिटलांतय तो वचूंक तयार जालो ना खंय.

ताचें धरून, कोणा-खंयच्या काळार सावन पर्वतार-थळांत रावतल्यांची, सगळीं मेज्जून स घरां आशिल्लीं. एक एक करून चार घरांतल्यांनी सकयल मुळसांत दुसरीं घरां बांदिल्लीं. वयर उरिल्लो तो एकटो आनी देवाचो गुरव. ताचे दोग पुतूय गेल्ले पर्वत सोडून, फकत एकटोच रावतालो ताच्या सांगाताक, आपल्या दोन भुरग्यांक घेवन.

म्हज्या आख्ख्या भुरगेपणांत वा म्हजें कॉलेज शिकप जायसर, 'फुलकार बाप्पा' आमगेर केन्ना आयिल्ल्याची म्हाका याद जायना. हांव ताका पळयतालें तें जात्रांक, फेस्तांक वा देवळां कडल्या कसल्याय उत्सवांक. केन्ना केन्नाय केप्यां बाजारांत फुलांचो कुरपांडो घेवन फुलां विकतनाय हांवें ताका पळयलां.

तो आमगेर येवंक लागलो तो हालीं, म्हणचे म्हजी आवय भायर पडटच, सादारणपणान अठरा वर्सां आदी सावन. सुमार आठ-णव वर्सां तो लागून (सेगीतपणान) आमगेर आयला, पूण तेंवय वर्साक एकूच फावट, आनी एकूच रात!- चवथीच्या कांय दीस आदीं, मखर रंगोवपाक!

म्हज्या आज्यान खूब वर्सां आदीं, स्वताच्या हातान मखराचो लाकडी आरकाटो (फ्रेम) केल्लो, तो म्हजो बापूय तरेकवार फोली लावन रंगयतालो. (आज्याची याद म्हुणून आमी आजय तोच वापरतात) म्हजो व्हडलो आनी मदलो भाव, व्हड जातकच पापाक तो रंगोवपाक थोडो आदार करताले, पूण मुखेल काम पापाचें आसतालें. म्हजी आवय गेली त्या वर्सा सावन पापाची असल्या गजालींतली उमेद सोंपली. एक वर्स व्हडल्या भावान कशें तरी मखर रंगयलें. मागीर तो बेजारूंक लागलो. मजगती मदलो भाव विदेशांत नोकरेक गेलो आनी सामको धाकलो तर, मखर रंगय म्हणल्यार पापाक फुगोवूंकच लागलो (आतां म्हजो इंजिनियरींग शिकपी पुतणयो उमेदीन रंगयता मखर.). ताचेर उपाय म्हुणून पापान दुसऱ्या वर्सा 'फुलकार बाप्पाक' आमगेर मखर रंगोवंक आपयलो. मागीर आठ-णव वर्सां, म्हणचे पापा जिवीत आसासर तो नेमान येवंक लागलो.

मखर रंगोवंक ताका वेगळें आनी आपोवचें पडनाशिल्लें. तोच दीस थारावन येतालो. केप्पां आनीकय कांय जाणांगेर तो मखर रंगयतालो. म्हणटकच तो ओळीन एक एक घर करीत आमगेर येतालो. श्रावणाच्या दुसऱ्या सप्तका सावन तो मखर रंगोवपाक सुरू करतालो.

पापा गेलो त्या वर्सा तो आमगेर आयलोना. आमकां दिसलें, त्या वर्साची आमची चवथ दुख्खाची म्हुणून तो आयलोना जातलो. मागीर कळ्ळें तो दुयेंत आसा म्हण. उपरांत कांय तेंपान कोणें तरी तो गेल्ल्याची खबर हाडली.

पयल्या वर्सा फुलकार बाप्पा आमगेर आयिल्लो तेन्ना "कसो आसा? बरो आसा न्ही?" इतकी खबर घेवपा पुरतें म्हजें ताचे कडेन उलोवप जाल्लें. तोवय मात्सो अवघडिल्ले भशेनच उलयिल्लो. दुसऱ्या वर्सा आयिल्लो तेन्ना ताची भीड कुशीक पडिल्ली, तो मेकळेपणान म्हजे कडेन आनी घरांतल्या हेरां कडेन उलोवंक लागिल्लो. तो मेकळेपणान उलयता तें पळोवन म्हजे भितरली एक लेखक-संशोधिका रोखडीच जागी जाल्ली. ताचे विशीं, ताच्या फुलांच्या धंद्या विशीं, ताचे कडेन आशिल्ल्या कागदी कले विशीं, नाटकांतल्या अभिनया विशीं जाणून घेवपाची म्हाका जी उमळशीक आशिल्ली, ती हांवें नुलयत पुराय केली. ताका ताचे विशींची हांव म्हायती काडटां, हाचो सुगाव लागूंक दिनासतना हांवें इल्ली इल्ली करून ताची सगळी खबर विचारून घेतली. म्हाका मेळिल्ली म्हायती संक्षिप्तपणान अशी:

तो एक फिशाल 'फुलकार' आशिल्लो. ताच्या बोटांनी वावळ्यांचेर फुलांक तरेकवार शिल्परूप दिवपाची कला आशिल्ली. वयर वयर आयकतल्याक आनी पळयतल्याक हे कलेक शिल्प म्हणल्यार फकांड दिसूं येता, पूण जाणें ताच्यो फांतयो-हळयो पळयल्यात आनी जाका कलेची जाण आसा, ताकाच म्हज्या म्हणण्याचें खरेंपण पडटलें.

तो तरेकवार कागदाचीं सुंदर फुलां करतालो. केन्ना ते खातीर रंगीत फोलीच वापरतालो, तर केन्ना स्वता फोली रंगयतालो. म्हणचे धव्यो फोली हाडून फुलां प्रमाण ताका रंग दितालो. मोगरीं-आबोलीं करपा खातीर तो 'बॅणा'चो कागद वापरतालो. हो कागद कसलो करतात, हें मात हांव ताका विचारूंक विसरिल्लें. पूण तो दाट-मोव-थर्माकोलावरी आसता हें हांवें पळयिल्लें. जे तरेन खऱ्या जित्या फुलांचें हार, फांतयो, पटयो, झेले बी तो घालतालो, ते तरेनच ह्या कागदी फुलांचेय तो प्रकार करतालो.

ताणें केल्लीं फुऴां हुबेहूब जितींच फुलां कशीं पळोवंक दिसतालीं. आबोलीं... शेंवतीं...मोगरीं...साळकां! जित्या फुलांक लिपोवन त्या जाग्यार हीं ताणें केल्लीं फुलां दवरल्यार कोणय 'खरीं' म्हण फटवपाचो!

ह्या फुलां भायर तो घर-सभाघरां सजोवपा खातीर तरेकवार जायो (जायां फुलांच्यो माळो), बोंदेरां बी करतालो. ताचे कडेन मखर रंगोवपाचीय कला आशिल्ली. ताणें रंगयिल्लें मखर पळयल्यार कोणाकय राजा-म्हाराजाच्या काळा वयल्या, दरवट्या-शिंवासनांची आनी प्रभावळींची याद जावपाची. रंग-संगती जुळोवपांत ताचो हात कोणाच्यान धरूंक जावपाचो न्हीं! मखरां भायर दिवाळेचे आकाशदिवे, नक्षत्रां आनी तरेकवार पतंगय तो करतालो. 'बोमाड्यांचीं खेळणीं'य तो करतालो.

ह्या सगळ्या कलां वयर, ताका स्वताक खूब भावपी, आनंद दिवपी कला ताच्या आंगांत आशिल्ली, ती म्हणल्यार नाट्य-अभिनयाची. पर्वतावेल्या काल्यांत सवंग करतां करतां, हेर आशीकुशीच्या गांवांतल्या काल्या-नाटकांनी तो पार्ट करतालो. वेळार धंदो सांडून तो पार्ट करूंक धांवतालो. ताणें केल्लें सवंग कितके तरी दीस मेरेन लोक याद करतालो. सामको तो आपले भुमिकेंत एकरूप जातालो. म्हाका याद आसा, आमगेर मखर रंगयतनाय तो नाट्य-गितांच्यो ओळी गुणगुणटालो.

पळोवंक सुंदर नाशिल्लो. काळो-सांवळो आनी सामान्यरुपाचो आसलो तरी ताचो आवाज मात मंजूळ आशिल्लो. (तो ताचो मुळचोच आवाज काय ताणें कमयिल्लो खबर ना) स्त्री हावभावांची ताका बरी जाण आशिल्ली. ह्याच म्हालवजाचेर तो आपल्याक दिल्ली स्त्री व्यक्तीरेखा अतिशय प्रभावीपणान उबी करतालो.

ताणें कितक्या नाटकां-काल्यांनी स्त्री भुमिका केल्ल्यो, ताची ताका स्वताकच याद आसचीना. आनी ह्या भुमिकांचो परिणाम वा प्रभाव म्हणून तो 'सवंग' सुटलें, काले-नाटकां बंद जालीं तरी आपल्या उरिल्ल्या

जिवीतभर कालसांवाक 'किल्पां' लावन भोंवतालो. (बायलो णववारी कापडांक लायतात तीं.)

ताच्या आंगांतल्यो कला म्हणजे, जल्मजात आनी स्वयत्नाचे देणगेचो सुमेळ. थोडे गूण ताका वंशपरंपरेन - जल्मासावन आयिल्ले, थोडें ताणें स्वता कमयिल्लें.

ताचें घराणें फुलकाराचें. चंद्रेश्वर देवाक दिसपट्टे पुजेक आनी जात्रा-उत्सवांक लागपी फुलां दिवपाची जबाबदारी ताच्या घराण्याचेर आशिल्ली. तातुंतल्यानच ताच्या घराण्याचो फुलां विकपाचो वेवसाय जल्माक आयलो. देवाक फुलां दितां दितां, जात्रे-उत्सवाक आयिल्ल्या लोकांक ताचें घराणें फुलां विकूंक लागलें. तशेंच आशी-कुशीच्या गांवच्या लग्न-कार्याक लागपी फुलांचीय पुरवण करूंक लागलें.

तो आवय-बापायचो एकटोच भुरगो. बापूय ताचो भुरगेपणांतच गेल्लो. घोवा फाटल्यान ताची आवय घराण्याचें कार्य फुडें व्हरताली. शिवाय तिका तिचें आनी ताचें पोट भरूंक तेंच एक साधन आशिल्लें.

तिणें घरा भोंवतणी पोरसूं केल्लें. तिणें केल्लें म्हणचे परस तिच्या घराण्यांच्या जाण्टेल्यांनी तें केल्लें. ती ताचो सांबाळ करताली. झाडांक, रोंपल्या-वालींक उदक सारें घालताली. त्या पोरसांत जायो-जुयो, आबोलीं, शेंवतीं, चाफो, अनंत, गोटूल, रोजां-बुतांव, दसण, मोगरी, पेत्रोल... तरेकवार फुलझाडां आशिल्लीं. त्या त्या मोसमांत तीं तीं फुलां फुलतालीं. शिवाय पर्वतार वोंवळीं-सुरंगीचीं कितकी तरी झाडां आशिल्लीं. शिंयाळ्यांत तांच्या फुलांक भार जातालो.

समज येत सावन फुलकार बाप्पा आवयक फुलझाडां शिंपपाच्या, फुलां खुंटपाच्या, पुंजावपाच्या, गुंतपाच्या, विकपाच्या बी कामांत आदार करतालो. सुरवेक आवयन सांगलां म्हुणून, मागीर तो स्वताचे आवडीन तें काम करूंक

लागलो. फुलांचे तरेकवार रंग, आकार, परमळ पळोवन तो जणू भुल्लुसतालो. दीसभर फुलां मदींच रावंक ताका आवडटालें.

फुलां मदींच वाडून तो व्हड जालो. बापूय गेलो... आवय जाण्टी जाली. ताका भाव-भावंडां नाशिल्लीं. आवय-बापायचो फुलकाराचो धंदो ताणेंच फुडें व्हेलो.

जित्या फुलांनी रमतां रमतां एका दिसा ताच्या मनांत आयलें, सगळींच फुलां सगळ्याच रुतूंत मेळनात, तेन्ना जीं मेळनात तीं कागदाचीं करून विकल्यार कशीं? शिवाय तीं जित्या फुलां परस चड तेप तिगतलीं!

विचार मनांत आयलो आनी ताणें तो रोखडोच प्रत्यक्षांत हाडलो. मडगांवचे बाजारपेठेंत वचून तरेकवार कागद, रंग, बेगडी, झिगी, मेणां, सरयो बी हाडल्यो आनी कागदाचीं फुलां करूंक सुरवात केली. इतकीं वर्सां फुलांनी ताचें जीवन गेल्लें. दर एका फुलाचो रंग, मंडोळी, पांकळी तो वळखतालो. ताचें वेगळेपण, आकार, दाटाय तो जाणटालो.

ताका कागदाचीं फुलां करतना मुद्दाम येवजुपाक, तकलेक ताण दिवपाक पडलेंच ना. तीं आपुणशींच ताच्या हातांतल्यान रंग-रूप, आकार घेत गेलीं.

कागदी फुलांच्यो फांतयो, झेले, तुरे बी तो तयार करून एक दांड्याक हुमकळावन जात्रा-फेस्तांनी विकूंक भोंवूंक लागलो. जित्या फुलांक फाटीं घालपी तीं फुलां पळोवन लोक... खास करून बायलो-चलयो सामक्यो पिश्यो जाल्ल्यो. ताचे भोवंतणी गिरायकांची घिट्टी पडूंक लागली.

मदल्या काळांत ताच्या कागदाच्या फुलांक खूब मागणी येवंक लागली. खास करून लग्नांत मदलशीक वांटूक फुलांचे तुरे लोक ताचे कडल्यान व्हरूंक लागले. लग्नांत न्हवऱ्या-व्हंकलेच्या गळ्यांत घालूंक ताच्या कागदी फुलांच्या हारांक तर खुबूच मागणी येवंक लागली. देवळां, सभाघरां, मंडप सजोवंक लोक 'जायां' फुलांचीं गुंटलार गुंटलांय ताचे कडल्यान व्हरूंक लागले.

कागदी फुलांची आशीकुशीच्या वाठारांतली मागणी पुरयतां, पुरयतां ताका जित्या फुलांचो व्याप सांबाळप कठीण जावंक लागलें. ताची बायल आनी तिगूय पूत ताका आदार करताले, तरीय ताका हात कमी पडटाले. शेवटाक ताणूंक जायना जावन ताणें जित्या फुलांचो धंदो थांबयलो. मात चंद्रश्वर देवाक दर दिसा पुजेक ताजीं फुलां दिवपाची ताच्या घराण्याची लागणूक मात ताणें जिवांत जीव आसासर सांबाळ्ळी.

कागदी फुलांचो ताचो धंदो बरींच वर्सां चल्लो. पूण बदलत्या गोंयांत जंय बायलो जित्या फुलांकच फाट करूंक लागल्यात थंय कागदी फुलांक कोण विचारतलो?... हळू हळू त्या धंद्यांतली बरकत सोंपली.

मागीर ताचेंय वय जालें. घरकान्न संवसार सोडून गेली. पुतांनी रोजी-रोटयेक वेगळे धंदे स्विकारले. आपले हात-पांय शाबूत आसासर दुसऱ्याचेर पडून खावंक नाका, ह्या विचारान ताणें जाण्टेपणांत, वयाची पासश्टी हुंपतकच बोमाडे विकपाक सुरू केलें. तसो भुरग्यां खातीर 'फुलकार बाप्पा' 'बोमाडेकार बाप्पा' जालो.

ज्या दांड्याक फुलां फातयो बांदून तो जात्रा-फेस्तांनी भोंवतालो, त्याच जात्रां-फेस्तांक तो आतां बोमाडे बांदून भोवूंक लागलो. ह्या बोमाड्यांतय ताच्या आंगांतली कला उतरिल्ली दिसताली. ते निकडे 'बोमाडे' नासताले, तर तीं बोमाड्यांची तरेकवार 'खेळणी' (आकृत्यो) आसतालीं! जनावरां-सुकर्णी आसतालीं!

वाडटे म्हारगायेंत बोमाडे विकून मेळटली येणावळ पावनाशिल्ली, पयशांची चणचण जाताली. पूण ताचो सभाव सोंशीक-समाधानी. 'देवान दिलां तें आपलें', हे भावनेन तो जगतालो. आपल्या बोटांत देवान कला ओतल्या हाची ताका जाण आशिल्ली. हे कलेचो पुरेपूर उपेग करून घेवपाच्या उद्देशान ताणें बोंदेरां, आकाशदिवे बी करून विकूंक सुरवात केली.

नवरात्रांत, चंद्रेश्वर-शांतादुर्गेचें मखर रंगोवपाचों काम तो परंपरेन करतालो. कोणाच्या तरी तें लक्षांत येवन ताणें ताका एके चवथीक आपल्यागेर मखर रंगोवंक आपयलो. बदलाक ताच्या बोल्सांत थोडे पयशे घातले.

तें पळोवन दुसऱ्यान आपयलो... मागीर तिसऱ्यान... चवथ्यान... अशें करून करून 'मखर रंगोवपी' म्हणून ताची नामना जाली, आनी आशी-कुशीच्या वाठारांत ताका लोक मखर रंगोवंक आपोवंक लागले.

तो मखर रंगोवंक आमगेर येतकच म्हजो बापूय आनी आजो तो मखर रंगयतना ताच्या म्हऱ्यांत बसून खबरी उलयताले. सांगपाचें म्हणल्यार ते चड उलयताले आनी तो साप्प उणें. ताचें लक्ष आपल्या कामाचेर एकाग्र जाल्लें आसतालें. एकंदर ताच्या उलोवपा वयल्यान तो खूब मायेस्त-मवाळ मनीस हें म्हाका होलमल्लें.

एके रातीक, तो एक मखर रंगयतालो. तो पुराय रात जागयतालो. आमी घरभर सगळीं न्हिदतालीं आनी तो एकटोच मखर रंगयत बसतालो.

मखर रंगयतना तो अनवाळो रावतालो. श्रावण लागलो म्हणटकच तो मांस-नुस्तें, कांदो बी कांयच खायनाशिल्लो. रातचो उपास करतालो. फकत च्या आनी अल्पाहार घेतालो. आश्वीन पुनव जावनच तो मांसाहार तोंडांत घालतालो.

मखर रंगोवंक येतकच तो केन्ना न्हिदतालो हाची आमकां कांयच जाण नासताली, पूण आमी सकाळीं स-साडे सक उठलीं म्हणटकच तोवय उठून तयार जातालो. ताका दिल्लें हांथूण वेवस्थीत घडी मारून दवरतालो. मागीर च्या-खावंक घेवन, आपले पयशे बी घेवन वतालो.

तो निमणो आमगेर आयलो, त्या वर्सा ताणें म्हाका सांगलें,

"बाये, फाल्यां सकाळीं हांव फांतोडेर वतलों हां! तुमकां कोणाक मेळचोना!"

हांवें म्हणलें, "कित्याक रे फांतोडेर वता! च्या बी घेवन वच न्ही!"

"पुताक दोतोरागेर व्हरूंक जाय बाये! फाटीं आक्सानेंत जाल्लो तेका! आजून पांयो बरो जालो ना! हांथुणारच आसा!... आनी ते पयलीं नातरांचें च्या-पाणी करून तेंकां शाळेंत पावोवंक जायीं!"

"नातरांक च्या-पाणी?... तांची आवय ना तर?" हांवें अजापान विचारलें.

ताणें कांयच जाप दिलीना. मान सकयल घालून तो मुकाट्यांनी काम करीत रावलो. म्हाकाय आनीक कितें विचारप योग्य दिसलेंना. ताच्या कुटुंबांत कितेंय तरी समस्या आसा हें हांवें जाणलें. मनांत खूब वायट दिसलें. ज्या वयांत पुतान ताका हातीक धरून दोतोरागेर व्हरपाचो त्या वयांत ताचेर पुताक हातीक धरून दोतोरागेर व्हरपाचो प्रसंग येवप!... शिवाय नातरांची जबाबदारी!

त्या दिसा आमगेल्या घरांतलो कोणूय उठचे आदीं, तो उठून गेल्लो. परतून तो आमगेर केन्ना आयलो ना, वा म्हाका परत मेळ्ळोना!... मेळ्ळी ती, तो गेल्ल्याची खबर!

घरच्या हेरांचें हांव नकळ, पूण म्हाका मात चवथीक, मखराक पळयलें म्हणटकच वा कोणाय फुलकाराक पळयलें म्हणटकच, ताची मनांतल्यान याद येता आनी ताच्या आंगांतल्या कला-गुणांचो भोवमान करपा खातीर हांव कांयच करूंक पावलेंना हाची खंतय भोगता.

□

17.

बायो

आमच्या गांवांत ताका लोक 'बायो' म्हणटाले. ताचें कारण म्हणल्यार बायल मनीस, मागीर ती दोन वर्सांची चली आसू वा सत्तर वर्सांची जाण्टेली आसूं, हिन्दू आसूं वा किरिस्तांव आसूं, तें तांकां 'बायो' म्हण उलो करतालें. शिवाय उलयतना, परत परत 'बायोऽ बायोऽ' करपाची ताका

संवय आशिल्ली. ताका लागून लोकांनी ताकाच 'बायो' म्हण नांव दवरिल्लें. पूण ताचें खरें नांव 'रितीन'.

नांव सुंदर. एका तेंपार, तेंवय पळोवंक बरें दिसतालें अशें ताका वळखतलीं लोक सांगतात. पूण हांवें पळयत सावन तें हाडकुटें, माथ्यार धव्या केंसांचें पिसुडिल्लें मालें, ताका तेल-उदक केन्ना लागिल्लें तें देवच जाणा, अशे स्थितींतलें. दांताक बुरो दाटिल्लो. निळसार रंगाचें आंगार कापड, पिंजके न्ही, पूण तें खंय पावलां ताचें धंगण नाशिल्लें. कान-हात-गळो सगळें उगडें. पांयांक झरिल्लें वा केन्नाय दोरी-हुकां लायिल्लें पायल जोतें.

खाक्यांत एक पोटली गुटलावन तें बडबडत भोंवतालें. पूण केन्ना कोणाक गाळी मारनाशिल्लें . हळू हळू आवजांत 'बायो... बायो' करीत, कसलो तरी हिशेब करीत, मांडण्यो करीत तें चलतालें. पिशें म्हुणूंक गेल्यार पिशें न्ही, शाणें म्हणचें जाल्यार शाणें न्ही, अशी ताची अवस्था आशिल्ली. तें कोणागेर भीक मागूंक वचनाशिल्लें. पूण याद येतकच आपल्याक मानवता वा आपल्याक दारांत वतकच कोण बरीं करतात, तांगेर भितर सरतालें. हक्कान मागून च्या-उदक पितालें. कितेंय सण-परब आसल्यारच जेवपाक रावतालें.

म्हज्या आवयचो असलो 'सोयऱ्यां-पंगड' (गोतावळो) व्हडलो. त्या पंगडांत बायोचेंय एक नांव आशिल्लें. म्हज्या बापायच्या उतरांनी सांगपाचें जाल्यार, 'आई वचपाक एक पांच-स वर्सां आसतना तें आईचेर प्रसन्न जाल्लें!'

आई गेल्या उपरांत सेगीत पंदरा वर्सां तरी तें आमगेर आयलां. सुरवेक आयिल्लें तेन्ना तें साठींतलें आशिल्लें. वर्सां वतात तशी ताची (आमचीय) पिराय वाडत गेली. सुमार वर्सभर आदीं पळयिल्लें तेन्ना तें बरेंच जाण्टें जाल्ल्याचें आनी थकिल्ल्याचेंय म्हाका जाणवल्लें. ताच्या

हातांतय दांडो आशिल्लो.

आई वतकच, आमगेर येतना ताणें चडशें आयताराचेंच येवप. ''बायो, तूं घोरा मेवतोलें म्हुणून आयतोराचेंच येयला!'' अशें ताणें सांगप. जर केन्नाय हांव घरा मेळ्ळें ना तर बेजार जावन वचप. सण-परब सोडल्यार हेर दिसांनी तें फोर्स केल्यारूय केन्ना जेवपाक रावलेंना. फकत ''चाये उदकच इल्लें दी बायो'' म्हणप, आनी तें पिवन वचप.

कितलेंय सांगलें तरी बायो फुडल्या दारांत केन्नाच येवन बसनाशिल्लें. फाटल्या दारांतच येतालें, मात फाटल्या दारांतल्यान येवन सरळ रांदचे कुडीच्या हुमऱ्यार येवन बसतालें. च्या पिल्लो ग्लास धुनाका म्हण सांगल्यार कशेंच आयकनाशिल्लें. उदकाचो तांबयो दियसर तोंडान बडबडत बसतालें. तशें तें चड वेळय बसनाशिल्लें, ''जायतीं कामां आसात बायो, तुमचो उगडास येयलो म्हुणोन येयलें बायो'', अशें सांगून रोखडेंच वतालें. वतना ''बरी कोरोन रावात बाये! बरीं कोरोन रावात बाये!'' अशें परत परत सांगत वतालें.

रितीनबायो विशींचो एक प्रसंग म्हज्या घट यादींत आसा. यादींत आसा म्हणचे परसय तो म्हज्या काळजांत उरला. पिशी-भजरी दिसपी ते बायले मदींय कितकें शाणपण आशिल्लें आनी त्यावूय परस एक मायेस्त आवय दडिल्ली आशिल्ली, हाचो प्रत्यय म्हाका ते दिसा आयलो.

प्रसंग असो: म्हजी आवय भायर पडिल्ली. बाराव्या दिसा बायोक कोणा कडल्यान तरी ती खबर कळ्ळी. तें धांवतच आमगेर आयलें. सदचे भशेन मागीलदारांत येवन उबें जालें आनी ''बायोऽऽ, बायोऽऽ'' करून रडूंक लागलें. हांव कामांत आशिल्लें. घरांत भट बाराव्याचीं शास्त्रां करतालो, तरी हांव मागीलदारांत गेलें.

म्हाका पळयताच ताणें ''बायोऽऽ, बायो गेली म्हुगोऽऽ!'' म्हुणून व्हडल्यान हांबेर घाली. मागीर किरिस्तांव समाजाच्या रितीप्रमाण म्हाका

खेम दिली.

तें एक सारकें रडटालें. हांवेंच ताका समजायलें. तशें तें रडपाचें मात्शें थांबलें आनी म्हुणूंक लागलें, ‘‘बायोऽ, तिगांय बाबांक मात्शें आपय बायो! तेंकांय पाचारोंक जायें!’’

म्हजे तिगीय भाव भटा म्हऱ्यांत आशिल्ले. व्हडलो तर कार्य करतालो. तरी ताका दुखोवचें न्ही म्हुणून तिगीय ताच्या म्हऱ्यांत आयले.

‘‘बायो गेली म्हुरे बाबो, बोरी मुनीस आहलो ती!’’ अशें म्हणत तें तांच्या म्हऱ्यांतय रडलें. भावांनीय ताका, ‘‘आसूं, आसूं गो, रडनाका’’ म्हणलें. मागीर ताणें हात वयर करून तांचे पद्धती प्रमाण आईच्या आत्म्याक ‘देवा धनया लागीं’ शांतीकाय मागली.

इतलें जातकच म्हजे भाव भितर वचपाक वळ्ळे जाल्यार ताणें तांकां आडायलें,

‘‘बाबाऽऽ रावाय मात्शें! हांव कितें सांगोतां तें मात्शें आयकात!’’

ताणें तशें म्हणलें म्हणटकच भाव मनांत नासताय थांबले, धाकलो तर सामकोच बेजारलो.

बायो म्हुणूंक लागलें,

‘‘बाबाऽऽ हें चोय! ही तुमगे एकटीच भयण! आई फाटल्यान तेका पोरा घालनाकाय (अनाथ करनाकात)! तेका बरेंऽऽ कोन्न चोयात!’’

म्हजे तिगीय भाव ताच्या उलवण्याचेर, ताका पिश्यांत काडीत थंयच्यान गेले. हांव मात कितको वेळ थिजिल्ले सारकें जाल्लें. समाजाचे नदरेन पिशी आशिल्ले बायलेच्या मनांत म्हजे विशीं माया आसा, काय ‘लोक रीत’ म्हण आवय मरतकच, आंकवार धूव आसत तर तिच्या भावांक ‘तिका सांबाळात, तिका अंतर दिवनाकात’ अशी जी पाचारूंक येवपी लोकांची भास आसता, तीच ताणें उलयल्ली, म्हाका कांयच कळ्ळें ना.

पूण बायोची ती भास निखटी ‘लोकभास’ नाशिल्ली, ताचे भितर

एक आवय आशिल्ली आनी हांव एक चली मनीस म्हण तें म्हजी चिंता करतालें (ताचे मानसीकताये प्रमाण), हें सत्यय म्हाका फुडें होलमलें.

आई मरत सावन तें जेन्ना केन्ना आमगेर येतालें तेन्ना (ताच्यो पावटी आतां वाडिल्ल्यो) ''बायोऽऽ, काजार जा म्हुगो बायो!'', ''बायो, लोग्न जा म्हुगो!'' म्हण म्हज्या फाटल्यान तगादो लायतालें.

ताणें तशें सांगलें म्हणटकच म्हाका हांसूंक येतालें. जाणें आपल्या काजारी जिवितांत 'सूख' म्हणटा तें कितें? हाचो वासय पळयलोना, तें मनीस म्हाका लग्न जावपा खातीर फाटीक लागतालें! पिशें जावं शाणें, गरीब जावं गिरेस्त, सर्वसामान्याची 'लग्न' हें सुखाचें परिमाण! बायो तरी तातुंतल्यान कशें सुटूंक शकता!

एका दिसा तर मजाच जाली. हांव एका साहित्यीक कार्यावळी साकून बसीन घरा येतालें. हांव ते दिसा साडी न्हेसून आशिल्लें. मडगांवच्या कदंबा स्टॅंडा वयल्यान सुटिल्ली केंप्या वचपी बस, पाजीफोंडांत स्टॉप घेवन रावली. त्या स्टॉपार खूब लोक चडले. तातूंत बायोय आसलें. सामकें लुटींत घुस्मटूटालें. हांवें ताका पळयलें आनी लागीं आपयलें आनी म्हजें सीट ताका दिलें. तें ''बायो नाका! नाका!'' करतालें, तरी हांवें ताका फोर्सान बसयलें.

ताचो अवतार सदचे भशेन पिसुडिल्लो आशिल्लो आनी आयज तर ताच्या हातांत एक व्हडली प्लास्टिकाची पोती आशिल्ली. तातूंत बोंदरां-चिंदरां कोंबिल्लीं.

आपली पोती सांबाळीत सिटार बसून एक-दोन मिनटां साव-शीव जातकच ताचें म्हज्या भेसाचेर लक्ष गेलें. ताचे दोळे लखलखले, ताणें व्हडल्यान म्हणलें, ''बायोऽऽ, लोग्न जालें तूं?''

बसींत 'खीऽऽ!' करून हांसो फुटलो. म्हाका मात्शी लज जाली. ताचें तोंड तितल्यारच बंद जावचें ह्या उद्देशान हांवें, ''हय'' म्हणलें. तर

ताणें परत विचारलें, ‘‘केन्ना बायो?’’

हांवें दबिल्ल्या आवाजांत म्हणलें, ‘‘जालें गो, म्हयनोभर!’’

हांवें सांगलें, पूण तें तशें पूर्ण पिशें नाशिल्लें. ताचो म्हज्या सांगण्याचेर विस्वास बसलोना. तें म्हाका नियाळूंक लागलें. ताचे दोळे परत परत म्हज्या गळ्याचेर येवन थारताले. अशे स्थितींत पांचेक मिनटां गेलीं, मागीर ताणें परत मोट्यान म्हणलें, ‘‘म्हाका फोटी मात्ता बायो, तुगे गोवल्याक मोंगोलसूत खूंय आहा?’’

परत बसींत हांसपाचो आवाज जालो. म्हाका खंयची झक मारली आनी ताका सीट दिलें अशें जालें! मागीर हांव केप्यां पावसर ताका फाटच करून उबें रावलें. पूण देंवतकच ताणें म्हाका परत उलो मारलो, ‘‘बायोऽऽ लोग्न जा हां बायो!’’

बायो आतां ह्या संवसारांत ना, दुसऱ्या संवसारांत गेल्यार वर्स वयर जातलें. तें खंय मुळांत पिशें नाशिल्लें. ताचो काजार जावन रोखडोच घोव मेल्लो. तो एक नंबरचो बेबदो आशिल्लो. ताका दोन भुरगीं जाल्लीं. एक चेडो आनी एक चेडूं. चेडो खरो जल्मताच मानसीक रुग्ण आशिल्लो. ताका घर-दार, भाट-बेंस आशिल्लें. घोवा फाटल्यान ताणें दोगांय भुरग्यांक वाडयलीं. चेड्याक बरें वखद-पाणी केलें. तो पूर्ण नासलो तरी थोडो सुदारिल्लो.

चेडूं व्हड जातकच ताणें ताचें काजार केलें, आनी हांगाच ताचे वायट दीस आयले. ताणें काजारा वेळार चेडवाचो वांटो चेडवाक दिल्लो, तरी जांवय आनी धूव एक जावन ताणें पुताच्या वांट्याक कितें दवरलां तेंवूय आपल्या नांवार कर म्हण ताका घोंसूंक लागलीं. एका दिसा जांवय-धुवेन एक जावन ताका खूब मारलें. तकलेर दांडो घाल्ल्यान ताच्या मेंदवाक थोडो मार बसलो. शेजाऱ्यांनी व्हरून ताका हॉस्पिटलांत घातलें. तें निवळून घरा आयलें तेन्ना ताची तकली पयलीं सारकी चलना जाली, हातूंत भर म्हण एका दिसा ताचो पूत घरांतल्यान नाच्च जालो. तो पिश्याचे अवस्थेंत घर

सोडून गेलो काय भयण-भावोजीनच ताका मारून उडयलो, एक गूढच कशें उरलें!

पूत ना जालो तेन्नाच्यान बायोचें मानसीक संतूलन हाल्लें. तें हातांत कागद- पोतयो, साक-बोंदरां, कितें मेळटा तें घेवन रस्त्या वयल्यान चलूंक लागलें. मेळटा ताका 'बायोऽऽ बायोऽऽ' करूंक लागलें.

केन्ना ताचे मदली शाणी बायल जागी जाताली तर केन्ना पिशी! शाणी जागी जाता, तेन्ना तें मुकाट्यांनी घरांत बसतालें, पिशी जागी जाता, तेन्ना रस्त्यांनी भोंवतालें!

अखेरेक शाणी-पिशी, दोनय बायलांचो सांगात घेवन ताणें ह्या जगाचो एक दीस निरोप घेतलो.

स्वताचे धुवेन घात घेतले, तरी चलयां विशीं काळजांत व्हडवीक घेवन भोंवतले 'बायो' सारकी बायल, आडवादानच सांपडटा.

□

18.

पांडू बाप्पा

फाटल्या म्हयन्यांत, म्हणचे नोव्हेंबराच्या पयल्या सप्तकांत नुवेचें फेस्त जालें. ह्या फेस्ताचें खाशेलेंपण म्हणचे, ''मडक्यांचो बाजार'. नुवें वाठारांत किरिस्तांव समाजांतले, कुमारपण करपी लोक रावतात. आयजय तातुंतले बरेच जाण आपलो पुर्वजांलो, पारंपारीक कुमारवत करपाचो वेवसाय

सांबाळून आसात. तांणीच केल्लीं मातयेचीं आयदनां फेस्ताक विकूंक दवरिल्लीं आसतात. कुयणीं, मडक्यो, गाडगे, कोपरे, कळशे, गुलगुलेतां, कैलां, मांडी, तस्तां... पारंपारीक आकार-प्रकारांचीं आयदनां! नवी ताल्ल, निकतींच हाव्यांतल्यान भायर सरिल्लीं. तांबश्या रंगाचीं, भुरग्याच्या गालाक काजळाचें तीट आसचें, तशीं तांबड्या आंगार मदीं मदीं भाजणेचो काळो रंग उदेल्लीं. एकार एक हारीन मांडिल्लीं तीं आयदनां हांव फेरयेच्या दिसांनी सकाळ-सांजवेळ बशीच्या हारश्यांतल्यान नदर काडनासतना पळयतालें. तीं आयदनां पळयतां, पळयतां मनाचीं पाळां मातयेंत भितर वतालीं. म्हज्या मनांत म्हज्या भुरगेपणांतलो, आमोणें गांव उबो जातालो. मातयेच्या आयदनांनी रांदपी! सणा-परबेक नवीं कुयणीं-मडक्यो घेवपी! सुयेर-सुतकांत वापरिल्लीं आयदनां फोडपी! आनी मागीर त्या यादींच्या चित्रांमदीं सगळ्यांत ठळक आसतालो तो पांडू बाप्पा. माथ्यार आयदनांचें वजें घेवन, "मडक्योऽऽ! मडक्योऽऽ!" अशी व्हडल्यान हाळी दीत, उक्त्या पांयांनी गांवच्या तांबड्या रस्त्या वयल्यान चलत वचपी!

हें दर वर्सा घडटा, पणजे नोकरेक लागत साकून फाटल्या वीस वर्सांत, दर नोव्हेंबरांत - नुवेंच्या फेस्ताक लागपी मडक्यांचो बाजार पळोवन, भुरगेपणांत गांवांत मडक्यो विकूंक घेवन येवपी पांडू बाप्पाची म्हाका याद येता.

पांडू बाप्पाचें मूळ नांव घडये 'पांडुरंग'बी आसूंक जाय, पूण आमच्या गांवांत लोक ताका एक तर 'पांडू बाप्पा' म्हणटाले वा 'पांडूदाद'.

तो म्हज्या आज्या परस मातसो थोडो व्हडलो आशिल्लो. म्हजो आजो ताका 'बाप्पा' म्हणटालो. म्हज्या आज्याचें आनी ताचें बरें वतालें. आमगेर आयदनां घेवपाचीं आसू-नासूं, तो गांवांत आयदनां विकूंक आयलो म्हणटकच आमगेल्या सोप्यार बसून, आज्यान दिल्ली पान-विडी घेतले बगर आनी आईन दिल्ली च्या पिले बगर वचनाशिल्लो.

आंगाक पोरणेशें खोमीस, कमराक काश्टी मारून न्हेशिल्लो म्हेळको वालो, माथ्याक मुंडासो, ताचोच चुंबळी सारको तो वजें व्हांवोवंक वापर करतालो. वाल्याचे किरवटीक खावचे पानाची चंची. तो खूब पान खातालो. पान खावन खावन ताचे दांत-वाळू तांबडी-काळी जाल्ली. दाव्या हाताच्या दोन बोटांचो कात्रो करून, तो उलयतां उलयतां मदींच त्या कात्र्यांतल्यान पिच्च करून पीक शेंवटितालो. ताच्या पांयांक जोतें नासतालें, तो उक्त्या पांयांनी चलत सगळो वाठार भोंवतालो. आंगलटीन मात तो लांब-रूंद भरिल्लो आशिल्लो. आमच्या गांवच्या शेजारच्या शिरवय गांवांत ताचें घर. मूळ तो थंयचोच, पूण तो उलयतालो मात विचित्र हेळ्यान. गाडयेन घसके मारचे तसो तो आवाज चडयत-देंवयत उलयतालो. त्या भुरग्या वयांतय, ताच्या उलोवपाचें वेगळेपण म्हाका जाणवल्लें.

सभावान तो खूब मायेस्त आशिल्लो. आजोय ताची 'बरो खालतीपणाचो मनीस' अशी वाखाण्णी करतालो.

म्हाका ल्हानपणा साकूनच पारंपारीक, पोरण्या-अँटिक (Antique) वस्तींची आवड. तांचे विशीं जाणून घेवपाचें कुतूहल. पांडू बाप्पा मडक्यांचें वजें घेवन आमगेल्या आंगणांत आयलो म्हणटकच हांव धांवन ताच्या वज्या म्हर्‍यांत वचून उबें रावतालें आनी हें कितें? तें कितें? हाका कितें म्हणटात? ताचें नांव कितें?... अशें विचारत रावतालें. पांडू बाप्पा बरे लक्तुबायेन विचारिल्ली म्हायती म्हाका सांगत रावतालो. वतना एक ल्हानशें गाडगूल काडून म्हज्या हातांत दिवन, "बाये, हें तुका खेळपाक हां" म्हणटालो. ताणें तशें फुकट दिल्लें गाडगूल म्हज्या आज्याच्या जिवाक लागतालें, तो वल्लेंत आटोवभर भात घेवन ताच्या फाटल्यान धांवतालो. पूण तो कसोच घेनाशिल्लो. "आरे, हायें तें मुद्दाम बायेक करून हाडलेलें रे!" अशें सांगतालो.

म्हजें चवथी मेरेन शिकप जायमेरेन तरी ताणें म्हाका गांवांत आयिल्ले

फावटीं एक एक गाडगूल दिलां.

चवथ, दिवाळी, शिगमो, नातलां ह्यो परबो लागीं पावतकच पांडूबाप्पाची गांवांत फेरी आसताली. वज्यांत वयर मेरेन कुयण्या-मडक्यांचो आनी हेर आयदनांचो दाळ लावन तो गांवांत येतालो. वाड्या-वाड्यार भोंवतालो. वाड्या वयलो लोक ताचे कडल्यान आयदनां घेताले आनी त्या बदलाक ताका भात दिताले. खंयच्या आयदनाक कितकें भात हें थारिल्लें आसतालें. ह्या शिवाय गांवांत कोणागेर भुरगें जल्माक आयलें वा कोणूय मेलो जाल्यारूय ताका रकाद वतालो. तो सुयेर-सूतक निवळटा त्या दिसा स्वता तांगेर आयदनां घेवन येतालो. त्या काळार गांवांत सुयेर-सुतकांत वापरिल्लीं मातयेचीं आयदनां भायर उडोवपाची प्रथा आशिल्ली. म्हाका याद आसा, आमच्या धरून, शेजारच्या प्रत्येक घराच्या फाटल्यान कैलांची रास पडिल्ली दिसताली. ह्या शिवाय पिकेच्या दिसांनीय तो खास करून व्हडल्यो मडक्यो घेवन येतालो. शेतांत कामेऱ्यां खातीर पेज-जेवण रांदपाक लोकांक मडक्यो लागताल्यो. पिकेच्या दिसांनी आयदनां घेतल्यार ताका तांचें भात 'खळारूच' मेळटालें. शिवाय गांवचो कुमार म्हण ताचो 'कारकी'पणाचो वांटो ताका खळारूच मेळटालो. पिकेच्या दिसांनी तो खळ-खळार भोंवन आपलो हक्काचो 'खळकुडव' पुंजायतालो.

पांडू बाप्पा हो आमच्या गांवांत मडक्यो घेवन विकूंक येवपी एकमेव कुमार. ताच्या वाड्यार आनीक दोग-तीग जाण कुमारपणाचो धंदो करताले, ताचेच दायजी-गोत्र ते, पूण ते आमच्या गांवांत भोंवडेक येनाशिल्ले, ते दुसऱ्या गांवांत वताले.

वर्सावळींची परब लागीं पावली म्हणटकच, घरच्या म्हालगड्या बायलांचे दोळे पांडू बाप्पाचे वाटे कडेन लागताले. पांडू बाप्पा खात्रीन येतलो हें जाणा जावनय बायलो, 'पांडू बाप्पा येयलोच ना... येयलोच ना आजून!' म्हणत सकयल-वयर जाताल्यो. कारण तांची परबेची सगळी भिस्त ताचेरूच

आसताली. परब, लग्न-कार्य... म्हणचे नव्या आयदनांनी रांदपाचें! पोरणीं-वापरिल्लीं आयदनां परबेक उपकार नाशिल्लीं. म्हणचेंच पांडू बाप्पा आयलो ना जाल्यार परबेचे तीन तेरा जावपाचे!

पूण हाता-पांयांनी जातासर पांडू बाप्पा परबे आदीं मडक्यो-आयदनां घेवन गांवांत आयलो ना, अशें केन्नाच घडलेंना. आपल्या आंखणेच्या गांवांनी लागता तीं परबे-कार्याक आयदनां दिवप, ही तोवय आपली लागणूक मानतालो. म्हाका याद जाता ते भशेन, हांव कॉलेजीक पावसर हात-पांय थकले, जाण्टेपण जालें तरी पांडू बाप्पान आपली गांवांतली फेरी चुकयली ना.

म्हज्या सामक्या भुरगेपणांत, म्हणचे शाळेंत वतना जो गांव आशिल्लो, तो येदोळ म्हणल्यार बदलिल्लो, आदीं गांवांत भटां-बामणांगेरूच तांब्या-पितुळचीं आयदनां आशिल्लीं. आतां हेर घरांनीय इल्लीं इल्लीं पाविल्लीं. आलिमिनीयम, स्टील, एण्डालीयमय पावूंक लागिल्लें. आलिमिनीयमच्या आयदनांचीं तर वजीं माथ्यार आनी हातांत तागडी घेवन बेळगांव-हुबळीच्यो बायलो, वर्साक बाराय म्हयने गांवांत भोवंड्यो मारताल्यो, 'बायऽऽ, मामीऽऽऽ' म्हणत गांवच्या बायलांक भूल घालताल्यो. पांडू बाप्पाच्या कुयणीं-मडक्यांक आतां मागीलदारांत- बागेलांत जागो मेळूंक लागिल्लो.

म्हजे म्हायती प्रमाण गांवांत आज तर सामक्या बोटांचेर मेजपी लोकांगेर मातयेचीं आयदनां रांदपाक वापरतात. फकत लग्न-कार्याक, मरणा वेळार बी गाडगे-करे वापरपाची परंपरा तितकी आजुनय शाबूत आसा. ते खातीर लोक एक तर कुमारवाड्यार वचून आयदनां हाडटात वा केप्प्यां आयताराच्या बाजाराक जें कुमारवत येता, थंयच्यान घेतात.

मात पांडू बाप्पाक वळखुवपी वा ताचे कडल्यान आयदनां घेतिल्ले कांय दादले-बायलो आजुनय गांवांत आसात, पूण ताची कोण याद काडटा अशें मात म्हाका दिसना. जंय ते कुमारवतच विसरले, थंय तांकां पांडू बाप्पाची याद उरपाची अपेक्षा करपय चुकीचें!

पांडू बाप्पाची एक खबर, जिका ताची निमणी यादूय म्हणूं येता ती म्हजो आजो खुबदां सद्‌गतीत जावन सांगतालो. ताकाय म्हुणून ती पांडू बाप्पाच्या घरच्यांनी सांगिल्ली...

...पांडू बाप्पा खंय ताच्या निमाण्या दिसांनी खूब झडटेक लागिल्लो. ताका तोंडाचो कांक्र जाल्लो. ताका पानांत तंबाखू घालून खावपाची संवय आशिल्ली. तें वेंसन ताका नडलें. ताका जेवण-खाण वचना जालें. तो सामको तळमळ्यांत पडिल्लो. ताचो एकटोच पूत. ताणें आपले परीन दोतोर- उपाय केलो, पूण दुयेंसच अशें, की ताचे मुखार कोणाचें कांय शाणपण चलनासलेलें.

पांडू बाप्पा जे दिसा गेलो तांचे आदले रातीची खबर. तो रातभर वळवळटालो, परवंतालो खंय. ताका न्हीद नासलेली, ताच्या पुता-सुनेकय नासलेली. तीं ताच्याच उश्या कडेन जागत बसलेली. फांतोडेर तांचो दोळो लागलो, पूण पूत कसल्यातरी आवाजान रोखडोच जागो जालो... पळय तर बापूय हांथुणार ना. ताका कच्च जालें. ताणें बायलेक जागी केली. म्हालदार आड केल्लें तें उगडें पडिल्लें. तीं दोगांय दिवो घेवन भायर धांवलीं.

...तर पांडू बाप्पा झिळमिट्यांत भोकयां चलत, आंगणांत मांडलेल्या राटा कडेन वता तें पळोवन पुतान किळांच मारली,

‘‘बाप्पो... खंय वयता रे?’’

पांडू बाप्पान सांगलें, ‘‘पोरा... आरे, इतकीं वर्सां लोकांक किरवडीक मडकें करून दिलें, आतां...आतां... म्हाजे किरवडीक करूंक वयतां!’’

...तेच सांजेचो पांडू बाप्पा ह्या संवसारांतल्यान गेलो खंय!

□

19.

कोंडोयोकाम्र मांय

फाटल्या आयताराक केप्यां बाजारांत गेल्लें. केप्यां आयतारा दिसाक 'बाजार भरता'. नुस्तें-खारें, शाक-भाजी, फळ-फळावळ, कांदे-मिरसांगो, चादरां-कपडे... ना ना तरेच्यो वस्ती कारवार साकून आगशी मेरेनच्यान ह्या बाजाराक विकूंक येतात. हरशीं मदल्या वारांक केप्यां नुस्तें बरें मेळना, पूण

आयताराक मात खाशेलें नुस्तें येता. वांगडा तिसऱ्यो-खुबे-शिनाण्यो असलें कवच नुस्तेंय (Shell fish) येता.

हांव ते दिसा बाजाराक मुद्दाम नुस्तेंच हाडपाक गेल्लें. जाल्यार नुस्त्याच्या सोप्यां कडेन पावताच म्हजे पांय एकदम थांबले. एक बायल... म्हणचे गाबतीण कोंडोयांचो पाटलो घेवन बशिल्ली. म्हजे पांय नकळटा तिचे वटेन गेले. पन्नास रुपयांनी वांटो. खरें म्हणल्यार म्हाका कोंडयो व्हडल्योशो आवड नाशिल्ल्यो, तरी हांवें तिका एकदम दोन वांटे घालपाक सांगले. त्या कोंडोयांक पळोवन हांव भावनाविवश जाल्लें. बऱ्याच तेंपान हांवें कोंडोयो पळयिल्ल्यो.

म्हाका तेंकून एक वळखीची बायल आशिल्ली, तिणें म्हणलें लेगीत, "बऱ्यो आवडटात काय कितें गो तुका ह्यो कोंडोयो?" हांवें हांसून "हय" म्हणलें. तिका कितें सांगतलें हांव?...ह्यो कोंडोयो पळोवन म्हाका 'कोंडोयोकान्न मांय' चो उगडास आयलो म्हुणून आनी तिचीच याद म्हुणून त्यो कोंडोयो हांवें घेतल्यो म्हुणून!

कोंडोयोकान्न मांय ही म्हजे खातीर एक निखटी कोंडोयो विकपी नाशिल्ली, ती म्हजे आईची गांवभयण आशिल्ली. तिची इश्टीण आशिल्ली.

सुमार पंचवीस तरी वर्सां जातलीं ते गजालीक. एका दिसा ती अचकीत माथ्यार कोंडोयांचें भरिल्लें पाटें घेवन आमच्या गांवांत पावली. गांवकार वाडो, मदलो वाडो करीत ती आमगेल्या सकयल्या वाड्यार पावली. सकाळचो णव-धा चो वेळ. "कोंडोयोऽऽ गे ऽ" असो आवाज कानार पडनाका, म्हजी आवय घरांतल्यान बेगिबेगीन भायर आंगणांत आयली. "हांगा यो गे" म्हुणून तिणें ते रस्त्या वयल्यान वतले कोंडोयेकान्नीक आमगेल्या आंगणांत आपयली.

मागीर म्हगेल्या आवयल्या सभावा प्रमाण तिचें गांव-घर सगळें तिणें विचारून घेतलें. ती मूळ असोळणेची, म्हणल्यार म्हगेल्या आवय गांवची

(कुळारची). तिगेल्या घोवालें घर बेतलांत म्हण कळनाका म्हजे आवयक जी खोशी जाली ती सांगपाची न्ही! कोंडोयोकान्न मांयकय म्हजी आवय आपल्या गांवची म्हण कळनाका सामकी उमेद जाली. दोगांयली थंय 'गट्टी' जमली. जालें, तीं दोगांय थंय इश्टिणी जाल्यो. ही खबर ते दिसा म्हजे आईनच म्हाका ऑफिसांतल्यान येतकच सांगिल्ली.

'आयज एक कोंडोयकान्न गांवांत आयिल्ली, ती अशी..., तशी...., तिच्या घरचें... अशें....तशें', अशी खबर सांगिल्ली. ताचे वयल्यान तांच्या दोगांयचीय ते दिसाच्यान इश्टागत जमिल्ली असो हांवें तर्क केल्लो आनी जो खरोय जाल्लो.

पयले फावट ती गांवांत आयिल्ली ते दिसा हांव घरा नाशिल्लें. पूण दुसरे फावट ती आयतारा दिसा आयिल्ली. त्या दिसा हांव घरा आशिल्लें. 'कोंडोयोऽऽ' म्हण हाळी कानार पडटाच, आई वांगडा हांवय आंगणांत धांवलें. आई कडल्यान तिच्यो इतक्यो खबरी आयकल्ल्यो - तिका पळोवपाची खूब उमळशीक लागिल्ली. आईच्या खबऱ्यां वयल्यान ती एक बऱ्या सभावाची, मायेस्त, लोकां कडेन तोंडभर उलोवपी बायल अशें चित्र हांवें चित्रायिल्लें आनी तें खरेंच आशिल्लें. वयल्यान हांव समजल्लें ताचे परस ती चड मायेस्त आशिल्ली. कशी कोण जाणा ती म्हाका पळोवंकय म्हजे आई सारकी दिसली. लांब-रूंद, तसोच वांटकुळो तोंडावळो. मात ती क्रिस्तांव आशिल्ल्यान आनी तिचो घोव मेल्ल्यान तिचें कपल, हात-गळो उगडो आशिल्लो. कापडय ती निळसार रंगाचें न्हेशिल्ली, पूण कपडे भेस नितळ निवळ. एक तेंपा वयल्या खात्या-पित्या घराची नुरा तिच्या तोंडाचेर बेसबरी झळकताली.

म्हाका पळोवन तिका खूब उमेद जाली. तिणें म्हजी अपुरबायेन कितें शिकलां? कितें करता? ... सगळी खबर घेतली.

आईल्यो कोंडोयो घेवन जातकच, खबरीं-उलोवणी करून, वचपाक

माथ्यार पाटलो उबारचे पयलीं तिणें म्हज्या माथ्यार हात दवरून बेळसांव दिलें आनी एकदम दोळ्यांत दुकां हाडून म्हणलें, "चेडे कितलेय आसूं गो..., एक चेडूं आसपाक जायें कुशाक!"

...हळू हळू कोंडोयकान्न मांयची म्हाकाय माया लागली. ती आपली कोणतरी सोयरीच कशी दिसूंक लागली.

पावसांत ती येनाशिल्ली, पूण पावस गेलो, चवथ-दिवाळी जाली म्हणटकच कोंडोयो पडूंक लागताल्यो आनी ती कोंडोयांचो पाटलो घेवन गांवांत येताली. तिचें येवप सप्तकांत दोनदां आसतालें. मदल्या दिसांनी ती एक तर मंगळार वा बुधवारा येताली, आयतार मात तिचो थारिल्लो आसतालो. ताका लागून दर आयताराक ती म्हाका मेळटालीच. तिचें नांव मात हांवें केन्नाच विचारलें ना. तिचो हरशीं उल्लेख करतना हांव "कोंडोयोकान्न मांय' असो करतालें आनी तिका उलो करतना 'मांय' म्हणटालें. म्हजे आवयपरस ती चड व्हड आसची ना, आसून आसून एक पांच वर्सांनी व्हड आसताली, पूण म्हजी आवयय तिका उलो करतना 'मांय' म्हणटाली. तिकाय ताचें कांय दिसनाशिल्लें.

मांय दारांत कोंडोयो घेवन आयली, आनी म्हजे आवयन कोंडोयो घेनास्तना तिका केन्ना परती धाडली अशें केन्नाच घडलेंना. जाय जावं वा नाका जावं, ती एक पड तरी कोंडोयो घेतालीच. मागीर एक तर ताचें सुकें, तोंडाक, दांगर वा हुमण (भेंडे, मुळो वा म्हसगा सांगो घालून) रांदताली. अत्र्या-पयऱ्यान कोंडोयो पानार पळोवन खुबदां म्हजो बापूय बेजारतालो, पूण आईचें कोंडोयो घेवप बंद जायनाशिल्लें.

मांयक 'कोंडोयो नाकात' म्हुणून परती धाडप तिका कशेंच पुटवनाशिल्लें. आनी आमगेर कोंडोयो दिलेबगर मांय तरी खंय वचपाची आशिल्ली? आमच्या शेजारची जाण्टेली 'आई' केन्ना केन्ना म्हजे आवयक पाडटाली, "कितें गे, सद्दां कोंडोयो बऱ्यो लागतात गे तुमकां?"

ताचेर आई म्हणटाली, “बऱ्यो लागतात अशें न्ही गे, पूण ती माथ्यार वजें घेवन येता न्ही इतल्या पयसुल्ल्यान! तिकाय गरज पयशांची! बरी आस्तीकच ती, परिस्थितीन तिका कोंडोयो घेवन भोंवचें पडलां!”

म्हजो बापूय आईची केन्ना केन्ना फकांडां मारतालो, “तिका गरज आसा, काय त्यो कोंडोयो पळोवन तुजें भुरगेपण जागें जाता?”

म्हज्या बापायच्या म्हणण्यांत तथ्य आशिल्लें. म्हज्या आवयच्या भुरगेपणांत, तिच्या कुळारच्या गांवांत, म्हणचे असोळण्या गांवांत तारी कडेन म्हणटा त्या जाग्यार पोंयेच्या उदकांत खूब कोंडोयो पडटाल्यो खंय. मागीर गांवचे दादले-बायलो, भुरगीं त्यो ‘काडपाक’, म्हणचे पुंजावपाक घिट्ट्यो घालतालीं. कोण त्यो व्हरून विकतालो, तर कोण त्यो घरा व्हरून रांदतालो.

म्हजे आवयचो सभावच मुळचो उमेदी, तिवूय आपल्या इश्टिणीं वांगडा कोंडोयो काडूंक धांवताली. वरांची वरां, धोंपरभर उदकांत रावन, व्होंटयो भर-भरून कोंडोयो पुंजायताली, मागीर घरा हाडून वरांचीं वरां बसून त्यो कल्लायताली. केन्ना केन्ना ते खातीर आपले आवयचीं, म्हणचे म्हजे मामाईचीं उलोवणींय खाताली. लग्न जातकच तिचो हो उद्येग बंद जाल्लो. आमच्या गांवची न्हंय सावी, तातूंत तिसऱ्यो-कोंडोयो नात. केन्ना चुकून काळे खुबे मेळटात. केपेंच्या बाजारांतय तेन्ना (आतां खूब येतात), केन्नाय चुकून बेतलांतल्यो नुस्तेकान्नी कोंडोयो-तिसऱ्यो घेवन येताल्यो. त्यो केन्ना बापायन हाडल्यार, त्यो कल्लावपाची तिची थोडी उमेद भागताली.

कोंडोयोकान्न मांयन हाडिल्ल्यो कोंडोयो पळोवन तिची भुरगेपणांतली याद जागी जाल्ली. ती आपली दुदा वयली तान ताकाचेर भागयताली.

सुमार धायेक वर्सां कोंडोयोकान्न मांयचें आमगेर, म्हणचे आमगेल्या गांवांत येवप उरलें. ह्या धा वर्सांत ती म्हाकाच न्हय तर आमच्या घरच्या सगळ्यांकच लागींची जाल्ली.

तिच्या येवपाच्या एकाद्र्या दिसा ती आयलीना जाल्यार आमकां तिचो हुस्को जातालो. 'आयज मांय आयलीना... आयलीना!' अशें आमी करीत रावतालीं. ताचेर उपाय म्हुणून आमी मागीर तिका सांगूनच दवरलें,

"येवपाची नासल्यारस पयलेंच सांग गे, आमी वाट पळयतात तुजी!"

उपरांत ती येवची ना जाल्यार आमकां आदींच सांगूंक लागली, पूण सदांच सांगून रावप जायनाशिल्लें. केन्ना केन्ना अचकीत कितें तरी घडटालें, ती वा तिचो घोव दुयेंत बी जातालो आनी ती येनास्तना उरताली! मागीर आमी तिचो हुस्को काडीत रावतालीं!

कोंडोयोकान्न मांयचो घराबो एका तेंपार बरोऽऽ खातो-पितो सुखी आशिल्लो. तिचो घोव तारवार शिर्विशेक आशिल्लो. तिका एकटोच पूत. तो शिकतालो. आंकवारपणांत आपल्या मांयच्या सांगातान ती थोडो तेंप नुस्तें विकूंक वताली, पूण काजार जातकच घोवान तिका घरांतल्यान पांय भायर काडूंक दिलोना.

"हांव जोडटां ती जोड आमकां माथ्या-बोडा वयल्यान पुरो. तूं आतां नुस्तेंच न्ही, तर कसलेंच काम करूंक वोयची गोरोज ना! तूं सुखान राव!" घोवान तिका सांगिल्लें. ते प्रमाण ती घरांत रावन सुखान घर चलयताली.

पूण दीस सदांच सारके उरनात. तरणेपण सोपून जाण्टेपणांत पावल पडलें आनी कोंडोयोकान्न मांयचे दीस फिरले. घोव रिटायर्ड जालो, ताचीच शिर्वीस पुताक मेळ्ळी. पूत शिर्विसेक लागताच तांणी पुताक काजार केलो. सोयऱ्यांचेंच चेडूं, सून म्हण घरांत हाडलें आनी ताणें स म्हयन्या भितरच पुताक मांय-पाय कडल्यान पयस केलो. वेगळें घर केलें.

कोंडोयोकान्न मांयचो आनी तिच्या घोवाचो पुताचेर सामको जीव आशिल्लो. जाण्टेपणाचो आपलो आदार म्हुणून तीं ताचे कडेन पळयतालीं. पूत-सून घरांतलीं भायर सरतांच दोगांयकय मोटो धक्को बसलो. कोंडोयोकान्न

मांयन आपलें दुख्ख कशेंतरी सोंसलें, पूण घोवान तें खूबच मनाक लावन घेतलें. तो खायना-जेवना जालो. कोणा कडेन उलयना जालो, आनी एका दिसा ताका आरीचो आताक आयलो.

कोंडोयोकान्न मांयचेर सामको आकांत आयलो पूण तिणें धीर सोडलोना. येता त्या प्रसंगाक तोंड दिवपाचें थारायलें. जें कितें सांठवणेंत पयशे आशिल्ले ते, तशेंच आपलें भांगर-शिंगर विकून तिणें घोवाक उपाय केलो. सारके तीन म्हयने ती घोवाक घेवन बांबोळे मॅडिकलांत रावली. थंयच्यान येवन तिणें कारवारच्या एका गांवठी वैजाचें वखद सुरू केलें. दोतोरालीं वखदां तशेंच त्या वैजालें मालीश- अश्या उपायांनी तो परतून चलूंक-फिरूंक लागलो. तरी पयलीं सारको तो बरो जाल्लो नाशिल्लो.

कोंडोयोकान्न मांयन देवाचे उपकार मानलें. पयलीं सारको तटट्टीत जालो ना तरी आपले हात-पांय चलयता हेंच तिका व्हडलें जाल्लें.

घोव बरो जाल्लो, पूण आतां दोगांयच्याय पोटाचो प्रस्न आशिल्लो. पुतान तर तांकां फाटच केल्ली. कोणेंतरी मांयक सांगिल्लें- "बापायक वखदाक म्हण पुतान बायले कडेन पयशे धाडिल्ले, पूण तिणें ते दिले नात म्हण." मांयन तें आयकलें नाशिल्ले भशेन केलें. तिका पुताच्या पयशांपरसूय 'उतरांची' गरज आशिल्ली. पुतान एक चीट बरोवन खबर घेतिल्ली जाल्यारूय तिका तें चड व्हड जातलें आशिल्लें. पूण ताणें तें केलें ना. मांयक तेंच दुख्ख काळजाक चड लागिल्लें. असो कसो आपलो पूत बदल्लो? कितें उणें केल्लें तेका आमी? ती येवजून खूब शितीर जाताली. मात घोवा कडेन हे संबंदान एक उतरय उलयनाशिल्ली. ताणें पुताची याद काडल्यारूय ती विशय बदलताली.

आपलें आनी घोवाचें पोट चलोवंक मांयन नुस्तें विकपाक सुरू केलें. आंकवारपणांतलो नुस्तें विकपाचो अणभव आशिल्लोच. शिवाय ती गाबतिणीची धूव! कोंबये पिलाक कोणें उस्तूंक शिकोवंक जाय? तिका

नुस्त्या धंदो कोणें शिकोवपाची गरज नाशिल्ली!

ती रापणीं कडेन वचून नुस्तें विकतें घेवन कुंकळ्ळे- केपें वाठारांत विकूंक लागली. शिंयाळो सुरू जालो म्हणटकच कोंडोयो-तिसऱ्यो पडटाल्यो. त्यो काडून ती विकूंक लागली. हो धंदो फायद्याचो पडटालो, कारण हांगा तिका पाट्याक पयशे फारीक करूंक पडनाशिल्ले. मात वरांचीं वरां उदकांत रावन, वोणोव घेवन त्यो वेंचच्यो पडटालें. जाण्टेपणांत अशा कामाचो तिका त्रास जातालो खरो, पूण पयशांक लागून ती तें करताली. वयल्यान घोवाकय धीर दिताली.

मांयच्या कश्टांची ही गजाल म्हाका आईनच सांगिल्ली. ते दिसा म्हाका समजल्लें, म्हाका पयलेच फावट ती मेळिल्ली तेन्ना तिणें म्हज्या माथ्या वयल्यान हात फिरोवन 'एक चेडूं कुश्याक जाय गो!' अशें कित्याक म्हणिल्लें तें! तिका दिसतालें, चेडे मायेक फाटीं, पूण चेडवां तशीं न्ही! ती काजार जालीं तरी आवय-बापायक विसरनात! तांच्या प्रसंगाक धांवन येतात.

घोवाक वांचोवपा खातीर कोंडोयोकान्न मांयन जायते कश्ट काडिल्ले तरी नियतीच्या मुखार कोणाचें कांय चलना म्हणटात, ते प्रमाण तो एका दिसा ह्या संवसाराक फाट करून गेलोच. तो वतकच खरें तर तिची जगपाची इत्साच सोंपिल्ली. कोणाखातीर जगचें? पोटांत पिकिल्ल्यान फाट केली आनी जाणें हाताक धरून घरांत हाडिल्ली ताचो सांगात सुटिल्लो, आतां जगप कित्या खातीर, तें तिका कळनाशिल्लें. तरीपूण जोपर्यंत दोळे धांपनात, तो पर्यंत हात-पांय धोडावूंकच जाय, हे जाणिवेन ती माथ्यार पाटें घेवन भोवूंक लागली.

सुरवेक तिच्या कोंडोयांक असोळणे शेजारच्या कुंकळ्ळे-बाळ्ळी बी गांवांनी गिरायक मेळटालें. पूण मागीर थंय तिच्यो कोंडोयो खपना जाल्यो. ताका लागूनच ती केप्यां आमच्या गांवांत पावली. आमच्या गांवांत ती

पावली आनी शेवट मेरेन येत रावली (असो म्हजो अंदाज).

आमच्या गांवांत ती निमण्या वर्सा आयली तेन्ना तिणे सांठी हुंपिल्ली. तशें साठी ही चड पिराय न्ही, पूण ती मात हे पिरायेचेर चड जाम दिसताली.

ही गजाल सुमार पंदरा वर्सा आदली म्हणचे ती वांचून आसल्यार आयज पंच्यात्तरी हुंपिल्ली, अंयश्याचे लागीं पाविल्ली आसतली. पूण, म्हाका ती जिवी आसा हातूंत दुबाव आसा. कारण तिचें प्रेसांव वाडूंक लागिल्लें, ताका लागून ती मदीं मदीं दुयेंत जाताली. एकदां तर आठ दीस हॉस्पिटलांत उरिल्ली. शेजारचींच तिका त्या वेळार पाविल्लीं.

पूत-सून आसून अनाथा सारकी शेजारच्यांक भार जाली, हाचें तिका खूब दुख्ख जाल्लें आनी चड वांचून उरल्यार जाण्टेपणांत आपलें कशें जातलें हाची तिका चिंता खावंक लागिल्ली.

तिच्या तोंडांत त्या दिसांनी, मरणाचीच भाशा आसताली. ‘‘जालें गो बाये म्होजें वोचपाचें! येता त्या वोरसा पावना हांव तुमकां कोंडोयो दिवंक...’’ ती अशें म्हणत आसताली. तरी तशें म्हणत म्हणत ती दोन वर्सां आयली. मात तिचें येवप नेमान नाशिल्लें.

ती आयताराची गांवांत पावल्यारच म्हाका मेळटाली. खूबच थकिल्ली दिसताली, तोंडय सुजिल्लें कशें जाल्लें. दोळ्यां कडेन काळें पडिल्लें. आख्खें भरिल्लें पाटें घेवन भोवंक जायना म्हण ती कोंडोयांचें अर्देंच पाटें भरून हाडटाली. मात कितल्योय कमी कोंड़ोयो हाडल्यो तरी पडभर तरी आमकां दिवन वतालीच.

मजगती म्हजी आवय हो संवसार सोडून गेल्ली. ती गेली तो सप्टेंबर म्हयनो आशिल्लो, देखून मांयक ती गजाल दोन म्हयन्या उपरांत गांवांत येतकच कळिल्ली.

आयकून तिका शॉक कसो जाल्लो, कांय वेळ तिच्या तोंडांतल्यान उतर भायर सरलें नाशिल्लें. मागीर घळघळ दुकां गळयत म्हुणूंक लागिल्ली,

"न्हूं आसलेलें दुयेंस जालें बाये तेका... हांव जाणा तुमी भुरग्यांनी जायते तरास काडले... पूण देवा आपोण्यां मुखार कोणाच्यान रावों नेजो? ... तुमी बोरीं कोन्न रावाय बाये संवसारांत... आईचे आशिर्वाद आसतोले तुमच्या फाटलान...!"

हांवें तेन्ना म्हणिल्लें, "मांय, आई ना म्हण आमगेर ये नासतना रावनाका हां! ती नासली तरी आमी आसात, हें याद दवर!"

आनी मांयन ताची याद दवरिल्ली. ती कोंडोयो घेवन येतकच आमगेर आयल्या बगर केन्ना वचना आशिल्ली. हांव घरांत नासल्यारय, म्हजी भावज, भाव, बापूय-आजो, कोण तरी कोंडोयो घेवन दवरतालो. तिका च्या-पाणी दिवन धाडटालो.

... आनी त्या वर्सा कोंडोयांचो 'तेप' येवन गेलो, पूण मांय कोंडोयो घेवन आयलीना...! आमी तिची जायती वाट पळयली!

ताच्या दुसऱ्या वर्सा वाट पळयली... तिसऱ्या वर्सा ... चवथ्या वर्सा...

पंदरा वर्सां जालीं, कोंडोयोकान्न मांय कोंडोयो विकूंक आयलीच ना! ...आनी हांवें ती दुसऱ्या संवसारांत रावंक गेल्ल्याचो निश्कर्श काडलो!

□

20.
मंजूळ मावशी

हालींच हिन्दी भाशेंतली नामनेची साहित्यीक कृष्णा सोबती हांगेली 'जिन्दगीनामा' ही गाजिल्ली कादंबरी कोंकणींत अणकारीत करपाची संद आयली. हो अणकार करतना तातुंतलीं कितकीशींच पात्रां म्हाका म्हज्या गांवच्या लोकांकडेन- मनशांकडेन साम्य आशिल्लीं मेळ्ळीं. ह्या पात्रां

मदलें एक पात्र म्हणल्यार 'करभरी' वा 'करभरी माँ'.

करभरी ही एक जाण्टेली म्हातारी, जी गाळयां बगर उलयच ना, चांटे-पावलाक ती गाळी-खेप घालता. बऱ्याकय गाळी, आनी वायटाकय गाळी! आनी तिच्यो गाळी म्हण कितें? एक एक सामकी 'ठेवणींतली'! आयकतल्याच्या आंगाक रागान उजो पेटोवपी अशी! बाबडे सुनेचो तर तिणें ह्या गाळयांनी जीव नाका पुरो केल्लो.

करभरी माँक पळोवन म्हाका आमच्या गांवच्या मंजूळ मावशेची याद जाली. मंजूळ मावशी आयज ह्या संवसारांत ना, गेल्यार वीस वयर वर्सां जातलीं, पूण तिच्या गाळी सवपाच्या सभावा वयल्यान गांवांत तिका पळयिल्ले लोक, तिची बरेचदां याद काडटात.

हांवेंय मंजूळ मावशेक पळयल्या. पळयल्या म्हणचे परस तिच्यो गाळयो आयकल्यात. त्यो गाळयो आयकून कांय जाणांनी खी खी करून दांत भायर काडिल्लें पळयलां, तर कांय जाण तिचेर खुबून झुडून गेल्लेय पळयलां.

मंजूळ मावशेचें उलोवप गाळयांनी सुरू जातालें, आनी गाळयांनी सोंपतालें. कोणाची अपुरबाय करपाची आसल्यार, कवतूक करपाचें आसल्यार वा निखटो उलो मारपाचें आसल्यारूय XXX च्या ह्या उतरांनी सुरवात करताली, आनी वाक्य सोंपयतनाय ती तशेच तरेचीं उतरां वापरताली. तिचे कडल्यान एकाद्री खबर आयकप म्हणचे, कोंकणींतल्यो आसा नाशिल्ल्यो गाळयो एकाच वेळार आयकुपाचें भाग्य लाबप ! आपल्या उलोवपांत, आपणेंच वापरिल्ल्या गाळयांचेर ती बरेचदां हीऽऽ हीऽऽ करून हांसतालीय बी!

करभरी माँ ही खट सभावाची जाण्टेली. एकदां तिचें चाळवलें म्हणटकच अखंडपणान दोन-दोन दीस, दोन-दोन रातीं तिचें 'गाळयो गायनाचें सत्र' चालूच उरतालें. मंजूळ मावशेचेंय तशेंच आसतालें. करभरीच्या घरांत तिणें

मारिल्ल्यो गाळयो आयकूंक पूत-सून तरी आशिल्लीं. मंजूळ मावशेगेर कोणच नासतालो, ती एकटीच रावताली, तरी पंचमहाभुतांक आयकूंक मारिल्ले भशेन ती गाळयो सवत रावताली. खंकाळ जाल्ली आसताली तर तेन्ना तिच्यो गाळयो म्हणचे एक एक 'ॲटम बॉम्बच' कसो आसताली! आवय-भयणी वयल्यो पोजड्यान पोजड्यो गाळयो त्या वेळार तिचे जिबेर उब्यो रावताल्यो.

आनी तिचो आवाज म्हण कितें? मायक नासतना ती गांव हालयताली! चिंचेमळार तिणें आपल्या एका कुडीच्या नळ्यांच्या घरांत रावन मारिल्ल्यो गाळी, वयल्या वाड्यार भटांले चवकेर आयकूंक येताल्यो.

करभरी माँ खट आशिल्ली, पूण तिरसुवाद नाशिल्ली. मंजूळ मावशी मात सामकी एक शिरेची आशिल्ली. आपूण जाय तेन्ना दुसऱ्यांची फकांडां करताली, पूण दुसऱ्यान शीट्ट म्हणल्यारूय ती उसळटाली. मागीर ताचो आवय-बापूय वयर काडून, सामको ताच्या घर-घराण्याचो उद्धार करताली. खुबता तेन्ना एक एक दोळो भिरंड कशी करताली, सामको थयथयाट घालताली. मुखार जाण्टो काय, नेण्टो उबो आसा तें पळयनाशिल्ली!

मंजूळ मावशेच्या ह्या सभावाक लागून गांवचे लोक, खास करून बायलो, तिचे कडल्यान पयसूच रावताल्यो. तिणें फकांडांनी वा खऱ्यांनीय गाळी मारल्यार कानार केंस काडटाल्यो. सामकीच जांकां झगडपाची उमेद आसता, त्योच तिच्या तोंडाक लागताल्यो.

आवयो तर भुरग्यांक तिच्या म्हऱ्यांत फिरकूंक दिनाशिल्ल्यो. ती वाटेन वतना दिसल्यार, तांकां ओडीत घरांत घेवन वताल्यो. पूण भुरगीं तीं, आनी तातूंत खास करून गांवांतले चेडे भुरगे! आसत्यान सगळीं वात्रटपणां, उनाडपणां ते आत्मसात करपी! आवयांनी घरांत ओडीत व्हेलें म्हण कितें जालें? आवयो कितें चोवीस वरां तांच्या फाटल्यान आसतात?

ते केन्ना कश्यो मंजूळ मावशेच्यो गाळयो आयकुवपाचे, ते आयकतालेच, वयल्यान तिच्यो पोजड्यो गाळयो आयकून किटकिट्टाले आनी ती दिसली रे दिसली, तिका आयकूंक येता अशा आवाजांत हळूच एक

गाळ मारून धांव मारताले. मागीर तांच्या आवय-बापायचो आनी तांच्या सात पिळग्यांचो मंजूळ मावशी कसो उद्धार करताली हाची कल्पनाच न केल्ली बरी!

वयार आसतना मंजूळ मावशेचें सामकें मूत जळटालें. ती कोणाक मीठ भरनाशिल्ली. सामकी वरशीच भोंवताली. पूण मनशाचे दीस सदांच सारके उरनात. हेच मंजूळ मावशेक जाण्टेपणांत आनी दुयेंतपणांत गांवच्या मुखार आदाराक हात पातळावचो पडलो. रांदूंक जायना त्या दिसा, वा घरांतले सगळे डबे-लातां रिकामी जाल्यांत त्या दिसा, 'इल्लें जेवण वाडा गे', म्हणत लोकांले चवकेर वचून बसचें पडलें. आमगेल्या गांवचे लोकय तशे मनांत कांय धरून रावपी न्ही, रोखडेच मनांत कळवळपी. तेवूय तिचो आदलो तोरो विसरून तिच्या पानार गोटे घालताले आनी तिका जाता तो आदार करताले.

जाण्टेपणांत तिचो नेट देंविल्लो खरो, पूण तिचो गाळयांनी उलोवपाचो सभाव वा संवय मात बदल्ली नाशिल्ली. पयलीं नेट-नेटान गाळी संवताली, उपरांत त्या नेटाची गती मंदाविल्ली, इतकोच कितें तो फरक पडिल्लो.

जाण्टेपणांत तिका आनीक एक संवय लागिल्ली. ती म्हणल्यार 'एकाचें दुसऱ्याक आनी दुसऱ्याचें तिसऱ्याक' अशें करून झगडीं लावपाचीं. मांय-सुनेचें झगडें लावंक तर ती सामकी फिशालच जाल्ली. जे दिसा ती जे पडवेर वचून बसताली, ते दिसा त्या घरांत मांय-सून आसल्यार तांचें झगडें पेट्टालेंच पेट्टालें! मंजूळ मावशी झगडीं लायता हें सगळीं जाणा आशिल्ली, पूण तिका 'आमगेर तूं येव नाका' अशें मात कोण म्हणनाशिल्लो. हातूंत आमगेलें घरूय आडवाद नाशिल्लें.

तिणें म्हजे आवयची आनी पणजेचीं जायते फावट झगडीं लायल्यांत, तें पळोवन म्हाका आनी म्हज्या भावांक तिची सामकी भिरभिरी मारताली. "तूं आमगेर येवची गरज ना!" अशें म्हज्या एका भावान तिका म्हणिल्लेंय बी, तेन्ना ताकाच वयल्यान आवयले धपके खावंचे पडिल्ले.

मंजूळ मावशी दोन गजालीं खातीर गांवांत फामाद आशिल्ली, एक तिच्यो गाळयो आनी दुसरें तिचें जेवण! तिका सारकें खंय एका वेळार आटव्याचें शीत लागताले! जाण्टेपणांत ती केन्ना आमगेर जेवपाक येताली, तेन्ना हांवेंय तें पळयलां. आई तिका पत्रावळ भरून शीत वाडटाली. सामको पत्रावळीचेर शिताचो दोंगर कसो आसतालो. ताचे सुयेर फोण करून ताचेभर तिका 'कालवणे' वाडटाली. (तेन्नाची ती वाडपाची पध्दत). ती इतकें शीत कशें जेवता तें पळोवंक हांव आनी म्हजे भाव ती जेवतना तिच्या म्हऱ्यांत उबे रावताले आनी तिका अजापान पळयताले.

हांव आनी म्हजो व्हडलो भाव आजूनय केन्ना जेवतना विशय आयल्यार तिच्या त्या जेवणाची याद काडटात.

मंजूळ मावशेक तिचें नांव आवयन दवरिल्लें काय घोवा घरच्यांनी कांजिणी वेळार दवरिल्लें, तें हांव नकळ, पूण तिका जाणे कोणें तें नांव दवरिल्लें, ताणें तिचें विडंबन केल्लें असो विचार मात म्हज्या मनांत जरूर येतालो. तिचें रूप आनी कूड मंजूळ उतरा कडेन खंयच नातें सांगनाशिल्ली, ना म्हण तिचो आवाज!

ती पळोवंक सामकी 'म्हाकाय' दिसताली. रंगान काळी-कुळकुळीत. दांत भायर, दीसभर पान खाल्ल्यान ते तांबडे-काळे जाल्ले. ओबड-धोबड आंगलोट. फटफटीत कपलार मदूदीं निळो तिबो, (पाडिल्लो, गोंदिल्लो), गळ्याक पांचव्या निळ्या सरयांचे (माळो) कितकेशेच पोड. राकट हातांक गच्च कांकणां, आनी सामको भसाडो कर्कश आवाज. उलयतनाच वयल्या स्वरांत उलोवपाची संवय. आयकतल्याक ती उलयता काय कितें कडकड करून मोडून पडटा, हेंच न समजुवपाचें!

भुरगेपणांत हांवें कृष्णाचेर एक सिनेमा पळयिल्लो, तेन्ना तातुंतली पुतना पळोवन म्हाका मंजूळ मावशेची याद जाल्ली. त्या उपरांत खंयच्याय सिनेमांत वा चित्रांत एखाद्री राकक्षीण पळयली म्हणटकच म्हाका ती मंजूळ मावशीच कशी दिसताली. एका दिसा हांवें तशें आईक सांगलेंय बी, ताचेर आईन

म्हाका भरपूर उजरावन काडलें. “दुसरे फावट अशें उलयिल्लें आपल्याक आयकूंक येवंक जायना”, म्हण शिटकायलें.

आईच्या भंयान हांवें मागीर ती कल्पना तकलेंतली पुसून वडयली. वर्सां वाडटा तशी म्हाकाय मागीर समज आयली. प्रत्येक मनशाक रंग-रूप ताच्या ताच्या वंशा प्रमाण, पोसवणेच्या वाठारा-वातावरणा प्रमाण मेळटा हें सत्य समजलें.

मंजूळ मावशी तशें पळोवंक गेल्यार आमच्या गांवची कोण न्ही. ती आमच्या गांवांत जल्माकय येवंक ना आनी लग्नय करून तिका आमच्या गांवांत कोणें हाडली ना खंय. ती आमच्या गांवांत पावली, गांवच्या ‘फोंडो’ आनी ‘मर्तो’ ह्या दोग भावांक लागून. तांणीच तिका गांवांत हाडली आनी तिका ‘दवरली’.

फोंडो आनी मर्तो म्हणचे जणू कांय एकटो खेत्री, दुसरो समंद. सामके मुर्दाड, खेव मनीस. तांचें घुंवलें जाल्यार मुखावेल्यांची रगतां गळ्ळींच समजुवपाचें. आंगानय सामके धाटिंगण. तांचींय नांवां सामकीं फावो सारकींच आशिल्लीं. घडये तांच्या आवय-बापायक ते जल्माक आयले तेन्ना तांच्या गुणांचो भास जाल्लो आसत. फोंडो केन्ना कोणाक फोंडांत घालत आनी मोर्तो केन्ना कोणाचें मडें पातळायत सांगप कठीण आशिल्लें! (अशें गांवचे लोक तांचेविशीं उलयताले).

हे दोगय भाव केन्ना केन्ना एकामेकांचीच रगतां काडटाले, पूण एकामेकांक सोडून मात रावनाशिल्ले. वता थंय बरोबर वताले, बरोवर जेवताले. बरोबर न्हिदताले, बरोबर वावराक वताले ! आनी तांणी बायलय बरोबरच केली... तिवय एकूच!

तांकां एक व्हडलो भाव आशिल्लो, तो हांचे परस विरुद्ध, सामको बाबडो मनीस. ताचे बरोबर हांचें पटनाशिल्लें. तोवय हांकां भिवन रावतालो. गांवचे लोकय तांचे चड मिजगतीक रावनाशिल्ले.

दोगय भाव कामाक सामके वाग आशिल्ले. बांय मारपात दोगय फिशाल. कितलेय खोल न्हंयचे कोंडींत ते देंवताले, कितल्याय व्हडल्या झाडाचेर ते चडटाले. व्हडल्या व्हडल्या लाकडाचे लोळके ते कांय न्ही करून फोडटाले. पूण तांच्या 'उर्र' सभावाक लागून लोक तांकां कामाक आपोवंक भिताले. केन्ना तांचें किसळत आनी ते हातांतलो कोयतो घरकाराच्याच मानेर घालत, हाचो लोकांक भरवंसो नाशिल्लो.

...तर असल्यांनी तांकां गांवांत बरें काम मेळना जालें आनी ते कश्टी (सांगें) मिनाखणीर कामाक पावले. थंय तांकां मंजूळ मावशी मेळ्ळी. दोगांय भावांच्या ती मनांत वांगडाच गेली. तिचो घोव आशिल्लो, तोवय मिनाखणीर काम करतालो, पूण ती हांकां भुल्ली (तांच्या शूरपणाक). तांचे बरोबर रावूंक तयार जाली. (आनी ती तयार जाली नाशिल्ली जाल्यार हांचे मुखार तिची धडगत नाशिल्ली!)

ती आग आनी हे उजो! तांचें जमलें आनी तांणी रातयांत तिच्या घोवाक ना केलो! तो खंय गेलो, कितें जालें, कोणाकच कळ्ळें ना. ना म्हण ताचें मडेंय कोणाक दिसलें ना आनी ताची किंळाचय कोणें आयकली ना!

घोव ना जातकच एक आठ दीस मंजूळ मावशेन ताका सोदिल्ल्या सारकें केलें आनी तो 'कोणा फाटल्यान गेला आसतलो' अशी फाम घातली आनी मागीर कांय दिसांनी फोंडो आनी मर्त्या बरोबर राजरोस रावंक लागली. तिका कितेंय म्हणपाची कोणाचीच छाती जाली ना.

कांय दीस मिनाखणीर आपले वांगडा तिका दवरून, फोंडो आनी मर्तो तिका घेवन गांवांत आयले. तेन्ना गांवच्यांनी म्हणलें, "आतां हे बायलेक लागून हे दोगय आपलींच बोडां फोडून घेतले पळयात!"

आनी लोकांची भविश्यवाणी खरी जाली. भाव दिसाचे एकामेका बरोबर बरे तरेन रावताले, सांगातान काम करताले. काळोख पडटकच मात एकामेकांच्या जिवार उठ्ठाले, किंवार आयिल्ल्या सुण्यांबशेन 'आयज

बायल कोणाक? म्हाका काय तुका?' ह्या प्रस्नाचेर ते दांड्या-कोंड्यांनी झगडटाले. झुजांत जो जिखता, तो मंजूळ मावशे बरोबर ती रात काडटालो. दुसरो मागीर शेंपडी बडयत आंगणांत पडून रावतालो.

पयलीं पयलीं बोबो आयकून शेजारी-पाजारी तांगेर झगडीं सोडोवंक धांवताले. पूण हे कसले ? झगडीं सोडोवंक गेल्ल्या शेजाऱ्यांचेच फाटीक दांडो घेवन लागताले. मागीर शेजाऱ्यांनी तांची वासपूस सोडली. एकामेकांक खायात, ना तर गिळात म्हणलें!

एके राती तांणी एकामेकांक मारून मारून इतकीं रगतां व्हांवयलीं... ते दोगूय जे सकयल पडले, ते आनी उठलेच नात! ते उठले ते बद्द दुसरे दिसा, निसणीर न्हिदून, मसण्णेंत वचपाक!

दोगय भाव इतके झगडटाले, पूण मंजूळ मावशेक मात खंय एक गाळ वा एक वायट उतर म्हणनाशिल्ले, वयल्यान तिचे कडेन 'लागांनी' (लाडांनी) उलयताले. आनी मंजूळ मावशी, जी हरशीं गाळयांनी उलोवपी आनी मेळिल्ल्यांचेर वस्स करून आंगार येवपी ती, तांची झगडीं चलतना एका कोनशाक ओग्गी बसून पान खाताली खंय!

फोंडो- मर्तो मरतकच मंजूळ मावशी एकटी पडली, कांय दीस गांवच्यांनी तिका वाळीत उडयिल्ले भशेन केलें, पूण आमचे गांवचे लोक ते! चड तेप कोणा विशीं मनांत कंद धरून रावपी न्ही! हळू हळू लोकांनी तिका आपल्यांत आस्पावन घेतली.

एक मात खरें, गांवच्यांनी तिका स्विकारली तरी गांवचे लोक तिच्या फटकळ सभावाक आनी 'गाळयांचे भाशेक' लागून तिचे पसून दोन हात पयसूच रावताले.

कोयत्या-कुराड्यांची भाशा उलोवपी फोंड्या-मर्त्यान एक गजाल मात शाणपणाची केल्ली, गांवांत येवन ते आपल्या जाण्टेल्यांच्या घरांत रावले

नाशिल्ले, तांणी वेगळें घर बांदिल्लें (एके कुडीचें). ताका लागून ते मेले तरी मंजूळ मावशेच्या माथ्यार थारो आशिल्लो. ती उबंतर पडली ना.

फोंड्या- मर्त्या फाटल्यान आपलो नात्या-गोत्याचो कोण मनीस नासतना मंजूळ मावशेन आपलें उरिल्लें जिवीत आमच्या गांवांत सारलें. मात मर सर तिणें आपलो मिजाशी सभाव सोडलोना आनी जिबे वयली गाळय सांडली ना, जणू काय ह्यो दोनय गजाली म्हणचेच ती! हांथुणार पडटकच तिच्या ताळ्यार अन्न-उदक घालूंक आयिल्ल्या शेजान्नीकय तिणें सोडलीना, तिकाय तिणें गाळयांनी आनी धेंकण्यांनीच फर्मायलां!

तिचो प्राण खंय रातचो, ती न्हिदिल्ली आसतनाच गेल्लो. पूण लोक म्हणटात, तो वतनाय तिचे जिबेर एखाद्री ठेवणींतली गाळच आसपाक जाय!

□

21.

प्रेमावती

दोळे खोल भितर गेल्ले. गालाचीं हाडांवयर आयिल्लीं. आंगकाठी हाडकुळिल्ली. हाता-पांयाच्यो दोंकल्यो. तोंडार ना केन्ना हांसो, ना कसली उमेद. दोळ्यांत सदानकदां भूक दाटिल्ली.

आंगार जुनेर, विटको-पिंजको पोलको. केंसांक तेल-उदक ना.

केंसांचीं भिसडां तकले वयल्यान तोंडार पातळटलीं. माथ्याक गळून गळून मूठभर उरिल्ल्या केंसांचें एक शेणकूल. केन्ना ताचेर एक फूल ना केन्ना फांती ना.

गळ्याक पिड्डुकांचे दोन काळे पोड. मदीं खोटो भांगराची गिलेट काडिल्लो लाखेचो म्हुर्तमणी. हातांक कोणा कडल्यान मागून घेवन घाल्लीं दोन-दोन कंवचेचीं कांकणां. कानाक-नाकाक तुळशीच्यो काडयो. काट्या-खुंट्यांनी, सड्यार फांतरांचेर उक्त्या पांयांनी चलिल्ल्यान, तळवे चिरिल्ले, खोटांक इंच इंच कात्रे पडिल्ले.

जल्मताच फावो जाल्ल्या कवच-कुंडलां सारको तिच्या माथ्या वयलो वोल्यांचो खोटलो आनी हाड्डिवेली उदकाची घागर तिका सदान कदां चिकटल्ली दिसताली. तिनी-त्रिकाळ केन्नाय पळय, माथ्यार खोटलो आनी हांडीर घागर घेवन ती पाण्ट्यार वतना वा येतना दिसताली. एखाद्रे वेळ वोल्यांच्या खोटल्यापोंदा लाकडांचो भोरोय आसतालो. नांव मात तिचें सुंदर - प्रेमावती.

ती खंय बऱ्या खात्या-पित्या घरांतली धूव. तिका गळ्याक-हातांक चार भांगराच्यो वस्ती घालून, आपले परीन तिच्या संवसाराक आयदन-खोलो, थाली-ताम्हण दिवन आवय-बापायन तिचें लग्न करुन दिल्लें. घोवागेर शेत-भात भरपूर आशिल्लें. घोव एकटोच पूत. व्हडलो भुरगो. नणंदो मात चार जाणां, पूण त्यो लग्न करून वचपाच्यो, आनी मागीर आपली धूव, शेता-भातांत वावरूंक पडूं, पूण दिल्ल्या घरा सुखान उरतली अशा हावेसान आवय-बापायन तिका त्या घरांत लग्न करून दिल्ली.

प्रेमावतीच्या आवय-बापायचें चिंतप खोटें थारलें. तिच्या एकेय नणंदेचें लग्न जालें ना आनी प्रेमावतीचें जीवन तांणी नरकापाश्ट केलें. मांय आनी चौगांय नणंदांनी तिका छळ छळ छळ्ळी. तिचे कडल्यान घरांतलें-भायलें मर मरसर काम करून घेतलें. तिका उपाशीं-तपाशीं दवरली. तिच्या घोवाक

एकाक चार करून सांगून, तिका अत्र्या-पयऱ्यान बडोवंक लायली. मांवाक चाडयो सांगून तिका आवय-बापाय वयल्यान गाळी घालूंक लायल्यो.

प्रेमावती 'भजरी', 'पिशी' अशी तिच्या मांय-नणंदांनी फाम घातली. पूण गांवचो लोक जाणा आशिल्लो, ती मुळची भजरी न्हय. लग्न जावन ती गांवांत आयिल्ली तेन्ना हुशार, चुणचुणीत आशिल्ली. पयल्याच वर्सा धालांच्या मांडार ती कितले उमेदीन नाचिल्ली, याद कर करून आपल्या गांवचीय धालोगितां तिणें मांडार म्हणिल्लीं. न्हंयचेर-बांयचेर, शेतांत गेल्ले कडेन वा शेजार-पाजाराक, कोणूय येतना-वतना दिसल्यार तांकां 'बाप्पा', 'आई', 'काकी', 'मामी' म्हणून ती कितले व्होडविकेन हटकिताली!... उपरांत मांय-मावाच्या, घोवा-नणंदांच्या छळांनी तिच्यो दांतकड्यो अंदल्ल्यो... तिचें उलोवप बंद जालें... तिच्या तोंडा वयलो हांसो शेणलो... मतीय चलना जाली. तिका आपूण कितें करता वा कितें करूंक आयलां हांचें धंगणय उरना जालें. कोणें उलो मारल्यार तिच्या कानारूच पडना जालो. ती वता ते वाटेन वता- येता ते वाटेन येता, अशें करूंक लागलीं.

शाण्या-सुर्त्या गांवच्यांक हें खबर आशिल्लें, देखून तिच्या नणंद-मांयन तिका भजरी वा पिशी म्हणल्यार ते तांकां, "तुमच्या छळांनी ती बायल तसली जाल्या!" म्हण चिप्प करताले. ह्या लोकां मदीं म्हजी आवयूय आशिल्ली.

आमचो गांव कश्टकऱ्यांचो. एका तेंपार तर गांवच्या सगळ्याच घरांतल्या बायलांक, शेतांत वच, लाकडांक वच, गोरवांचें शेण भर, न्हंयचेर वचून उदक हाड, घरांतलें रांद-वाड कर... असलीं कामां करचीं पडटालीं. पूण हेर बायलो करतलें काम आनी प्रेमावतीच्या कामांत फरक आशिल्लो. हेर बायलो आप खोशयेन वा आपल्या संवसाराचे व्हडविकेन तें काम करताल्यो तर प्रेमावतीचेर तें काम करपाचो जुलूम-जबरदस्ती जाताली. एके तरेन तो तिचो

छळ आशिल्लो. तिच्या जिवाच्यान तें काम करूंक जाता काय ना, तिच्या जिवाक बरें आसा काय ना, तिका भूक लागल्या काय ना, हें पळयनासतना, दनपार-तिनपारां खंयच्याय वेळार तिका तीं कामां करचीं पडटालीं.

प्रेमावतीगेर वचपाची वाट आमच्या घरा फाटल्यांतल्यान आशिल्ली. ते वाटेन ती न्हंयचेर वा मड्डेर यो-वच करताली. दनपार भारार उपाशी पोटान वोल्यांची मोट्टी पोटली माथ्यार घेवन न्हंयचेर वतले, वा लाकडांचो भोरो माथ्यार घेवन मड्डे वयल्यान घरा येतले प्रेमावतीक पळोवन म्हजे आवयक चर्र चर्र जातालें. ती मागीर तिका आपोवन कितेंय पिवपाक दिताली वा जेवपाक वाडटाली. खूबदां म्हजी आवय तिच्या मांय-नणंदेचेय कान पिळटाली.

"सुनेक अशी सतावप बरें न्ही, असल्यांनी ती वांच्चीना, मरतली", म्हण शिटकायताली. पूण सगळें उमथ्या कळशाचेर उदक! तिच्या मांय-नणंदांचे वागणुकेंत कांयच फरक पडनाशिल्लो. वयल्यान 'लोकांक आमच्यो चाडयो सांगता चेडये', म्हण ते दिसा तिचो उद्धार जातालो. म्हजे आवयक तें कळटकच, खंयच्यान तांच्या आपूण तोंडाक लागली, अशें जातालें.

हांव शाळेंत वतालें तेन्ना प्रेमावती लग्न जावन आमच्या गांवांत आयिल्ली. तिचे कश्ट लग्ना उपरांत रोकडेच सुरू जाल्ले, पूण म्हाका तिच्या कश्टी जिणेची सारखी याद जाता ती हांव एस.एस.सी. जाल्ल्या उपरांतची.

तिचें कश्ट पळोवन पयलें वर्स बी.ए.क आसतना हांवें एक कविताय बरयिल्ली, 'ती एक वावराडी' ह्या माथाळ्यान. ती कविता चित्रंगी दिवाळी अंकांतय छापून आयिल्ली. त्या वयांत म्हजे परीन तिचेर जाल्ल्या अन्याया विरूद्ध हांवें ते कवितेच्या रूपान आवाज उठयिल्लो. (तेन्ना हांव तितकेंच करूंक शकतालें.)

हांव एस.व्हाय.बी.ए.क आसतना प्रेमावती मेली. म्हाका तो दीस

घट याद आसा. त्या दिसा झोड-मोड पावस पडटालो. मडें व्हरपय कठीण जाल्लें. नणंद-मांयन त्या दिसाय तिका खेप घाल्लो, ''आलवातीण येन्नाच लागली लोकांक पिडूंक !''

मरणाक गेल्ल्या आज्यान येवन तें आमकां सांगिल्लें.

लग्न जावन धायेक वर्सां जावन गेलीं तरी प्रेमावतीगेर भुरगें जालें ना, हे खातीर तिका घरांत, वचत थंय 'वांजडी' म्हण तिका थोमणे आयकुवचे पडटाले. घरांतल्या तिच्या छळाचें हें एक मुखेल कारण आशिल्लें.

प्रेमावतीय भुरग्या खातीर दुकां गळयताली. खंयीय फांतोर दिसलो, खुरीस दिसलो, घुमटी दिसली... देवळी दिसली, ताचे मुखार नाक घांसताली. तातुंतल्या खंयच्याचे कृपेन खबर ना, पूण तिका 'दीस गेले'. केन्ना न्ही तो तिच्या निस्तेज दोळ्यांनी हांसो उदेलो. रस्त्या वयल्यान वतना ती उमेदीत दिसूंक लागली.

घरांतय तिका दोन दीस बरीऽ वागयली, मागीर 'ये रे म्हाज्या मागल्या!'

कश्ट आनी भूक, शिवाय दोतोर-वखदाचें नांव-निशाण ना! शेजाऱ्यांनी, ''सुनेक खंयच्या दोतोराक दाखयल्या गे'', म्हण मांयक विचारत तर तिणें सांगप,

''दोतोर- फातोर कित्याक जाय? गांवांत वैजीण ना? आमी खंयच्या दोतोराक दाखयलेलें? आमगेर जाली नात भुरग्यां?''

प्रेमावती गुरवार म्हण कळटकच माव तिका थोडो बरो करतालो. बायलेक - धुवांक तिका चड काम करूंक लायनाकात म्हण ताणें सांगिल्लें. पूण तो दिसभर भायर उरतालो, तो घरांत ना तेन्ना तीं तिका घोळून खातालीं!

प्रेमावतीक खूब त्रास जाताले, तिणें घोवाक सांगपाचो यत्न केलो, पूण तो म्हणचे आवय-भयणींच्या ताटा कडलें माजर आशिल्लें.

प्रेमावतीच्या आवयगेर ती गुरवार म्हण खबर कळ्ळी. तेन्ना तिचो भाव तिका कांय दिसा खातीर व्हरूंक आयलो. जाल्यार मांयन सांगलें,

“खूब वर्सांनी गुरवाचार येयला, तूं तिका तुमगेर व्हरता तर, आमचे पार्तीक कितेंय जाल्यार जबाबदारी तुमचेर!”

प्रेमावतीचो भाव तें आयकून परत्या पावलांनी घरा गेलो, मागीर एक दिसय ताणें भयणीची वासपूस केली ना. तो परत तिगेर आयलो, तो तिच्या मड्याक खांद दिवंक!

आठव्या म्हयन्यार, अर्दकुट्या दिसांनी बाळंत जातना प्रेमावती गेली. तिच्या फाटोफाट एका दिसान, जाल्लो भुरगोय मेलो. आख्खो गांव चुरचुरलो.

प्रेमावतीन आपल्या नांवाक लागिल्लो ‘वांजडें’पणाचो दाग पुशिल्लो, पूण तिका ‘आलवातीण’ हें नवें नांव पडिल्लें. तिच्या मड्याक अग्नीय फावो जालो नाशिल्लो, तें पुरिल्लें, तेंवय गांवां भायर मड्डेर.

तिचें मडें उमथें पुरिल्लें. मड्याक गेल्ले येतना नाशणें शिंपडायत आयिल्ले. आलवातीण जाल्ली ती गांवांत परत आयल्यार, तिणें वाटे वयलें नाशणें पुंजायत येवचें आनी तें तिचें केन्नाच पुजांवन सोंपचें न्हय आनी ती गांवांत परत केन्नाच पावची न्ही, हे खातीर तें कुवाडें आशिल्लें.

प्रेमावती फाटल्यान, दुसऱ्या दिसा तिगेर जाल्लो भुरगो मरतकच मांयन बोंब मारिल्ली, “राकशीणीन म्हाज्या पुताचो कील्ल-कोंब खालो!”

जिती आसतना वांट्याक वैदावास आयले ते आयले, मरतकचय तिच्या फाटल्यांतले ते सुटले नात. ती मरून बारा दीस जातनाच कोणें तरी फाम उठयली, ‘काऱ्या मोडणार तांबडी साडी न्हेसून, माथ्यार केंस सोडून दनपारची आनी तिळसांजेची एक बायल रडत वतना दिसता!’

घे! लोकांची भियेवन गुळी! मागीर सकल्या वाड्या वयल्या एका क्रिस्तांव बायलेक ती लागल्या म्हण बोवाळ! तशे तिका धांवडावपाक तरेकवार उपाय! घाडी-मंत्र, कोंबडो-बोकडो!

प्रेमावतीच्या मांय-नणंदाच्या कानार ही खबर पावनाका, तांणी तिका मेल्ले कडेनय गाळी-खेप घालूंक सुरवात केली, "मेली तरी अवदसा आमची फाट सोडना!"

ताचेर गांवचे लोक म्हण्टाले, "खरेपणीं प्रेमावती मेली, पूण ह्या अवदसांनी तिची फाट सोडली ना!"

नांव प्रेमावती, पूण जिवीतभर प्रेमाक आशेल्ली आनी मरतकचय जिची विदर्णा जाल्ली ते प्रेमावतीची याद जातकच अश्यो कितल्यो प्रेमावती ह्या संवसारांत आसात काय? ह्या प्रस्नान हांव निन्नळटां.

□

22.
काश्टे कुश्ट

ताचें खरें नांव कुश्ट, पूण गांवांत ताका 'काश्टे कुश्ट' म्हण वळखताले. कोणाकय दिसपाचें तो काश्टी न्हेसतालो म्हण हें नांव ताका पडला आसतलें म्हण, पूण तशें न्हय. ताका कोणालीय कसलीय वस्त दिसली रे दिसली, ती

हात मारून, काश्टेंत लिपोवन व्हरपाची संवय आशिल्ली, म्हुणून ताका तें नांव पडिल्लें. म्हाका ही गजाल भुरगेपणांत एका प्रसंगान कळिल्ली.

म्हज्या भुरगेपणांत तो आज्याक मेळपाक म्हण आमगेर खुबदां येतालो. कितें ना कितें विशय काडून तो एक सारको उलयत पडवेर थपकल मारून बसतालो. पूण तो आयलो रे आयलो, आजो गडबडिल्लेवरी करतालो. पडवेर कितेंय वस्ती आसल्यार, म्हगेल्या भावालीं खेळणीं बुसून आसल्यार व्हर व्हरून भितर वडयतालो आनी ताका एकसारको "बरें बरें! आतां वच तूं घरा... वच तूं घरा!" करीत रावतालो.

आज्यान वच म्हणलें तरी तो तसो सट्ट करून वचनाशिल्लो. मागीर आजो ताका च्या बी दिवंक सांगतालो. च्या बी पियेवन जातकच आनी आजो सामकोच फाटीक लागतकच तो वतालो.

आज्याचे हे करणेचें म्हाका नवल दिसतालें. हरशीं म्हजो आजो दारांत आयिल्ल्याचें आदरतिथ्य करपांत मुखार. भिकान्न बुसून दारांत आयल्यार, 'बाये बस हां' म्हणपी. पूण तो कुश्टबाप्पाचे 'वच' म्हण कित्याक फाटीं लागता हें म्हाका समजनाशिल्लें.

एका दिसा हांवें आज्याक ते विशीं विचारलेंय. हांव सादारण तेन्ना पांचवेक आशिल्लें.

हांवें म्हणलें, "आज्या, तूं त्या बाप्पाक आमगेर आयल्यार कित्याक वच म्हण फाटीक लागता रे?"

तसो आजो पुर्सभर उडलो,

"वच म्हण्टा म्हणचे? तेचे हात उळउळटात! कोणाक कळचे पयलींच वयतात काश्टेंत!"

म्हाका आज्याच्या उलोवण्याचो बरो अर्थ कळ्ळो ना. पूण तो खुबला तें पळोवन हांवें ताका अदीक कांय विचारलें ना. हांव वोगीच रावलें, पूण रोकडोच कांय दिसांनी आज्याच्या उलोवण्याचो अर्थ म्हाका कळ्ळो.

काश्टे कुश्ट

म्हजो धाकलो भाव तेन्ना ल्हान आशिल्लो. चलूंक बी लागलो नाशिल्लो. एका दिसा दनपारा सुमार बारा वरांचेर (हांव तेन्ना शाळेंतल्यान आयिल्लें) आई ताका मांडयेर घेवन दूद पिवयताली. ताणें बोम रोकडोच सोडिल्लो. ताका लागून आई ताका वाटयेंत दूद घेवन, कुलेरान पिवयताली. हांव म्हऱ्यांत बसून तो दूद पिता तें पळयतालें. मातशी पेल्यान बसून म्हजी पणजी वाती वळटाली.

इतल्यांत तो आयलो. येताच ताणें व्हडल्यान, 'आकोऽऽ' म्हण पणजेक उलो केलो. पणजेन ताका 'ओ' म्हणलें खरें, पूण तोंड मात्शें वांकडे करून ती तोंडांतल्यान तोंडांत कितें तरी पुटपुटली तें हांवें पळयलें.

मागीर तो आमच्या म्हऱ्यांतच बसलो. भावाच्या गालाक हात लावन ताची अपुरबाय केली आनी आईक म्हणलें, ''सुनबाय, इल्लें उदक दी पळोवया पिवपाक! ताळो सामको सरांटला... मड्डेर गेल्लो येवलां सोदपाक! पाड पडलेलें एकूय येवल मेळ्ळें ना!''

ताणें उदक मागतांच आईन भावाक काडून म्हजे कडेन दिलो आनी भितर गेली. ती भायर येता म्हणसर तो म्हजे कडेन शाळेच्यो खबरी विचारूंक लागलो.

तो म्हजे कडेन उलयतना आजी एकसारकी ताका 'थंय कित्याक बसला रे, हांगा म्हज्या म्हऱ्यांत यो', अशें म्हणत आशिल्ली, पूण तो म्हज्या आनी भावा म्हऱ्यांतलो हाल्लो ना.

आई उदक घेवन आयली, उदकाचो तांबयो ताच्या हातांत दिवन तिणें म्हज्या खाक्यांतल्या भावाक उबारलो, आपले मांडयेर घातलो आनी ताका दूद घालपा खातीर वाटी दवरिल्ल्या जाग्यार हात फुडें केलो, तर थंय वाटी कुलेर खंय आसा?... म्हज्या खाक्यांतल्या भावाक आपले मांडयेर आईन घेतलो, इतल्या, इल्लेशा वेळांत कुश्टबाप्पान वाटी-कुलेर फारायिल्लें.

आईन वाटी-कुलेर सोदलें आनी मागीर ना म्हण बोवाळ केलो. पणजेन आनी आनी वेळ केला, सरळ ताका सांगलें,

"कुश्टा... काश्टेंत लिपयलां तें वाटी-कुलेर दी रे बरे भशेन काडून!'

ताचेर तो गडबडलो आनी "खंयचे कुलेर?.... खंयची वाटी?... वोगीच म्हाचेर आळ घालनाका हां आका!" अशें म्हुणूंक लागलो.

आतां पणजेचेंय तापलें. ताचे मुखार ती वचून उबी रावली. आनी तिणें ताका धमकायलो, "हें पळय रे कुश्टा.. तूं जर आपूण जावन भुरग्याचें वाटी-कुलेर दिना, तर हांव सरळ तुजे काश्टेंत हात घालून तें भायर काडटलें!"

पणजी ताचे काश्टेक हात घालपाच्या पावित्र्यांत उबी रावली, तशें मुकाट्यांनी ताणें काश्टेंत लिपयलें वाटी-कुलेर काडून तिच्या मुखार दवरलें आनी कांयच घडलें नाशिल्ले भशेन तो चलूंक लागलो.

ताचे फाटल्यान पणजी कितको तरी वेळ बडबडतच आशिल्ली, "पाड पडलेली जित्याची खोड, मेल्या बगर वचचिना! दोळ्यां मुखा वयल्यान गेली रे गेली वस्त, भरलीच हेणें काश्टेंत!.... वोगीच लोक म्हणनात हेका काश्टे कुश्ट!"

त्या दिसा म्हाका समजलें, आजो ताका आमगेर येताच कित्याक रोकडोच वच वच करतां तें! आनी गांवचे लोक ताका 'काश्टे कुश्ट' म्हण्टात हेंवूय त्याच दिसा म्हाका समजलें.

कुश्टबाप्पा लोकांल्यो ज्यो वस्ती चोरून व्हरतालो, त्यो तो व्हरून आपल्या घराकडेन वडयतालो. वीक बी नाशिल्लो. ताणें त्यो घराकडेन व्हरून वडयल्यो म्हण्टकच बायल बोवाळ घालताली,

"कित्याक घेवन येता ह्यो वस्ती?... लोक उलयतात तीं उतरां आयकून म्हाका मरोंक पुरो जाता. हे फुडें कोणाली वस्त घरांत घेवन येयल्यार तुका वोगी रावची ना हांव."

काश्टे कुश्ट

बायलेन कितलोय बोवाळ मारलो तरी उमथ्या कळशार उदक! कुश्टबाप्पाचें काश्टेंत घालून लोकांल्यो वस्ती घरा घेवन येवप चालूच आसतालें. मागीर बायलच त्यो वस्ती व्हरून जाचे ताका दिताली वा लोकच आपली वस्त ना म्हण्टकच सगळ्यान पयलीं कुश्टबाप्पाल्या घरा धांव घेताले.

कुश्टबाप्पा ह्यो वस्ती कित्याक चोरून व्हरता, हो लोकांखातीर खरें तर एक प्रस्नूच आशिल्लो. त्यो तो विकना, ना म्हण आपले खातीर वापरनाय बी! निकट्यो व्हरून घरांत दवरता! बायलेन त्यो, जाच्यो ताका काडून दितकच तिका एका उतरान विचारना! मागीर व्हरता तर कित्याक?

गांवचे लोक आपल्यो वस्ती ताणें फारायल्यो म्हणटकच ताका तिडकीन कितेंय म्हणटाले, पूण गाळी मात ताका केन्ना मारनाशिल्ले. चड वायट उतरांय ताका म्हणनाशिल्ले. ते फाटलें कारणय तशेंच आशिल्लें. झाडां-पेडांनी भरिल्ल्या, शेतां-भातांनी वावुरतल्या, तणाक-लाकडांक वतल्या गांवच्यांक कुश्टबाप्पाची केन्ना गरज लागत, केन्ना ताका उलो मारचो पडत हें कळनाशिल्लें. कारण कुश्टबाप्पाकडेन एक गूण आशिल्लो. तो केदेंय व्हडलें जिवाणें खंयच्याय खांचीं-घोलींत आशिल्लें, कांय न्ही करून, जणू एकाद्रो राजवाचो कुडको उबारचो ते तरेन हातांनीच उबारतालो. आनी जिवाणींय ताका वश जातालीं. ताणें पोशिल्लें सारकीं ताच्या जणू हातांत येतालीं.

तो सहसा जिवाण्यांक मारनाशिल्लो. गांवांत कोणाल्याय घरांत तीं आयल्यार, धरून व्हरून पयस वडयतालो खंय! 'व्हडल्या'*कय खंय तो घोलींतल्यान हात घालूनच भायर काडटालो. चुकून केन्नाय एकाद्र्या जिवाण्याक मारचें पडल्यार ताका खूब पिकासांव जातालें. दोन-तीन दीस तो त्या पिकासावांतच भोंवतालो.

तो म्हणटालो, हें जग सगळ्यांचें. मोनजातीचें, जिवाण्यांचेंय! तांकांय

* व्हडलो = नाग

हे जमनीर रावपाचो अधिकार आसा. तीं मनशाच्या वाठारांत येनात, मनीस तांच्या जाग्यार येवन तांकां सतायता!

तो सगळ्या जिवाण्यांक वळखतालो. तांचो रंग, प्रकार-जाती, सभाव, जागे सगळें ताका जणू पाठ. कोणागेर बसलो आनी खबऱ्याचो प्रसंग आयलो म्हणटकच ताच्यो खबऱ्यो जिवाण्यांचोच आसताल्यो. जिवाण्यांक धरपाच्या आपल्या गुणाचो ताका खूब अभिमान. तो सांगतालो, "म्हाका म्हादेवाचो वर आसा. तेकाच लागोन कसलेंच जिवाणें आपूण जावन म्हाज्या चपक्यांत येता!"

भुरगेपणांत हावें स्वताच्या दोळ्यांनी ताका, शेजारच्या घरांत आयिल्ल्या 'व्हडल्याक' गोमटेक धरून घेवन वतना पळयला.

एखाद्या इश्टा कडेन उलोवचें ते तरेन तो जिवाण्यां कडेनय, 'यो रे! ...खंय वयता रे? ...या आमी हांगाच्यान! ...दाखय-लिपय करनाका रे! ...भुरगीं-बाळां भोंवपाचो वाठार म्हरे हो! ...तेंकां भेश्टायनाका! ...वच तूं तुजे वाटेन!' अशी भास उलयतालो.

गांवांत कोणाकय जिवाणें दिसलें म्हणटकच तो कुश्टबाप्पाक आपोवणें धाडटालो, तोवय हातचें काम सोडून धांवन येतालो. सांगपाचें म्हणल्यार, हेर कामां परस तो आपलें हेंच काम मुखेल मानतालो.

जिवाणें जर व्हडलें वा त्रास दिवपाचें आसत तर तो ताका धरून व्हरून पयस रानांत सोडटालो, ना तर 'तें सादें, कांय करचें ना' अशें सांगतालो.

तशें गांवच्या चडश्या जाणट्यांक जिवाण्यांची पारख आशिल्लीच, पूण कुश्टबाप्पान सांगलें म्हणटकच सगळ्यांक खात्री जाताली. जिवाण्यान घांस काडल्यारूय तो वखद-उपाय करतालो.

एकंदर, कुश्टबाप्पाक 'फारावपाची' संवय आसली, तरी तो गांवचे खातीर व्हडलो धीर आशिल्लो, देखून गांवचे लोक ताणें आपली कितलीय

म्हारगेली वस्त चोरली तरी ताचे कडेन नमळायेन वेव्हार करताले.

कुश्टबाप्पाचें मरण मात गांवचे खातीर खूब आघात करपी थारलें. जिवाण्यांक धरपाच्या आपल्या ज्या गुणाचो कुश्टबाप्पाक भोव अभिमान आशिल्लो, त्या गुणानच ताचो घात केलो.

एका 'व्हडल्याक' धरपा खातीर ताणें घोलींत हात घालो, तेन्ना ताणें ताका दंश केलो. तशे जायते फावट ताका जिवाण्यान दंश केल्ले खंय पूण ताचे कुडींत संवयेन त्या विशाचो व्हडलो परिणाम जाल्लो नाशिल्लो. हे फावटीं मात तो 'काळो नाग' आशिल्लो (अतिशय विशारी). तीन वडींचो. ताणें दंसतात, कुश्टबाप्पान वडी काडून प्राण सोडलो. मात मरचे पयलीं ताणें त्या काळनागाक सोंपयलो. 'आपल्या फाटल्यान ताणें गांवच्या कोणाकय त्रास दिवपाक नाका म्हुणून, आपल्या हातानच ताका सोंपयतां' अशें सांगून खंय ताणें ताचेर दांडो मारलो.

काळो भिल्ल. आंगाक निकटी काश्टी. माथ्याक वाल्याचो मुंडासो, कमराचे मुंजीक कोयतूल. हातांत दांडो. केन्ना केन्ना हो दांडो खांदार घेतिल्लो आनी ताचेर जिवाणें हुमकळटलें...

...इतकीं वर्सां जालीं तरी आजुनय म्हज्या दोळ्यांमुखार कुश्टबाप्पा जिवो तट्टटीत जावन उबो रावता.

□

23.

दत्तू वळार



तो आजून ह्या संवसारांत आसा काय ना हाची म्हाका खबर ना. घडये तो आसत, घडये तो नासतय. तसो तो निमाणच्या वर्सांनी गांवांत येतालो तेन्ना व्हडलो जाण्टो नाशिल्लो. म्हज्या अदमासान ताका साठ थंय पासश्ट वर्सां आसतली, आनी तो येवपाचो बंद जाला ह्या पंदरा वर्सांत!

म्हणजे तो वांचून उरल्यार ऐंशामदीं आसतलो. ऐंशी म्हणल्यार सगळे वतात अशें ना. कांय जाण बरे धड-धाकटपणान भोंवतातय बी.

पूण म्हाका ताचो दुबाव आशिल्लो. कारण निमाणच्या एक-दोन वर्सांत ताचो हात परत परत पोटा कडेन वतालो. आपल्या पोटांत बरेंऽऽ ना, आपल्याक 'पोटखणें' (अल्सर) जालां अशें तो सांगतालो. ताचेर म्हजे आवयन ताका म्हणिल्लें,

"दिसभर भोंवतेर आसता न्ही तूं! तुजें जेवण-खाण सारकें जायना! घरा म्हुणूनय कितेंय शिजोवन खाता दिसता! पोटाची सारकी कुयदाद जायना, म्हण दुखता आसतलें पोटांत!.... बऱ्या दोतोराक दाखय!"

तो कांय उलयलो ना. वोगीच रावलो. ताणें कोणा दोतोराक दाखयलें तेंवय हांव नकळ. कारण हांव ताचे कडेन चड उलोवंक बी वचनाशिल्ले. तो म्हाका थोडो 'बायलट' (स्त्रीलपंट) कसो दिसतालो. एका दिसा हांवें म्हजे आवयक तशें म्हणलें लेगीत.

तशी ती म्हजेर उसळ्ळी, "तोंड चड सुबेज जालां गो तुजें! कोणाक कितें म्हणचें ताचें इल्लेंय भान ना तुका! स्वताक चड शाणें समजता?... सादो-भोळो मनीस म्हगो तो! आतां दिसभर बायलां कडेन वेव्हार करून ताका बायलां कडेन 'बारीक खबऱ्यो' उलोवपाची संवय जाल्या! पूण 'बायजण' न्हय तो! तशें आशिल्लें जाल्यार तो बायल पळून वतकच कोणाय दुसरे बायलेक घेवन रावतलो आशिल्लो!... तुका नाका जाल्यार, नाका घेवंक ताचे कडल्यान कांकणां! हरशीं म्हुणून तुमकां आत्तांच्या चेडवांक जाय खंय कांकणां-बिकणां!"

आई म्हजेर धेंगशेल्ली खरी, पूण मनांतल्यान तिवय ताचीं स्त्रीलंपटणा जाणा, हें म्हाका खबर आशिल्लें. दुदावेली तान तो ताकाचेर भागयतालो. तिच्या उलोवण्यांतल्यानच तें आपसूक स्पश्ट जातालें. तिणें फकत हांव ताका तोंडार कितेंय म्हणत बी, म्हुणून म्हजेर धेंगशेवपाचें नाटक केल्लें.

तशें आई सांगताली तें फट न्ही, तो सभावान तसो सादोच आशिल्लो. सगळ्यां कडेन नमळायेन वागतालो. केन्ना कोणाचेर बेजारनाशिल्लो. कांय बायलो ताका चवथीचे दिवाळेक आनी दिवाळेचे शिगम्याक, अशे तरेन पयशे दिताल्यो तरी तो तांकां कांय म्हणनाशिल्लो. सगळ्यां कडेन आपुलकेन म्हणटा तसो तो उलयतालो. ताच्या सभावाची एक विशिशटताय आशिल्ली. केदीय व्हडली जाण्टी बायल जावं, सावकान्न जावं वा भाटकान्न जावं, तो तिका 'गो' म्हुणूनच पाचारतालो. वीस-पंचवीस वर्सां आदीं जेन्ना गोंयांत आपले परस कितकीय ल्हान आसूं, एखाद्री चवदा-पंदरा वर्सांचीय बायल आसूं, ती जर लग्न जाल्ली आसत, तर तिका 'गे' (आगे) म्हण मान दिवपाची चाल आशिल्ली. अशा वेळार तो जाण्टे बायलेक लेगीत 'गो' म्हण्टा हें आयकून थोडें अशीश्ट दिसतालें. गांवांत नव्यानच लग्न जावन आयिल्ल्यो सुनो तर ताचेर दोळे वठारताल्यो. पूण मागीर तांकांय ल्हव ल्हव ताची संवय जाताली. आनी रागार जावन करतलीं कितें? 'कांकणां' तर जाय आशिल्लीं. आयतीं दारांत आयिल्लीं कांकणां सोडून, सांवड्ड्या-मडगांव कांकणां हाडूंक वचपाचीं पिशेपणां कोण करतलो आशिल्लो? कोणा कडेन इतलो वेळ आनी पयसो आशिल्लो?.... आनी पयशे हातांत नासल्यार सांवड्ड्या-मडगांवच्या कांकणांच्या मांडार तांकां कोण उदार रावतलो आशिल्लो?

किडकिडीत आंगलोट. ताचेर धवें खोमीस आनी धवें कालसांव. खोमीस लांब हातांचें, पूण तेन्नाचे फॅशनी प्रमाण दंडांचेर हात दोडिल्लें. हे दोडीर मात चिकलाचो कांट. कालसांव मोडवें, पूण फकफकीत- चलयांचे साये सारकें. साठींत पाविल्लो पूण केंस मात काळेकिट्ट. एकूय पिकलो नाशिल्लो. तो काळो कलप बी लायतालो काय कोण जाणा. ताळवेर खरड पडिल्लें, पूण उरिल्ले केंस मात तेल लावन, वळोवन चिप्प बसयिल्ले. ना पान खावपाची संवय, ना विडी-शिगाराचें वेंसन. ताका एकूच वेंसन आशिल्लें,

तें म्हणजे 'उलोवपाचें'! तेंवूय बायलां कडेन! बारीक (बायकी) गजाली!

आपले सायकलीचेर बसून दत्तू वळार गांवांत येतालो. ताचे सायकलीक एक व्हडलें, 'आशेन्त' आशिल्लें. त्या आशेन्ताक तो कांकणांची पेट बांदतालो. फुडल्यान गियेकय कांकणांच्यो माळी हुमकळायतालो. चड मोलाचीं आनी नाजूक- नकसूद कांकणां ताचे पेटेंत आसतालीं, जाल्यार घट-सादीं कांकणां गियेक आसतालीं. तो सकाळीं जेन्ना गांवांत भितर सरतालों तेन्ना ताची पेट जड आसताली, उपरांत जसो गांवांत इल्लो इल्लो फुडें वचत रावतालो, तशी ताची ती पेट ल्हव ल्हव जायत वताली. सांजचो तो आपल्या घरा परततना तर एक-दोनच वीड ताचे पेटेंत उरताले. गियेच्यो माळो चडश्यो रिकाम्यो जाल्ल्यो उरताल्यो.

"कांकणांऽऽ! कांकणांऽऽ!" असो व्हडल्यान हेळो घालीत तो आपली सायकल वोड वोडीत वाड्या-वाड्यार वतालो.

तो गांवान कुंकळचो. आमच्या गांवांत ताचे येवपाचे दीस थारिल्ले आसताले. चडसो तो दोन म्हयन्यांनी गांवांत फावट मारतालो. चवथी-दिवाळेक एक चार दीस आसा म्हणल्यार ताची चुकनासतना फेरी आसताली. पौष म्हयन्यांत हळदी-कुकमाच्या दिसांनीय तो येवन वतालो. पावसाच्या दिसांनी मात तो येनाशिल्लो. पावस थोडो कमी जातकच, श्रावणांत गांवांत येतालो. पावसाच्या दिसांनी गिरायकां नासता, लोक शेतां-भाटांत व्यस्त आसतात, शिवाय ह्या दिसांनी कांकणांची पेट घेवन भोंवप म्हणचे 'माल' इबाडूंक शकता. खंयीय सायकल निसरून पडल्यार सगळ्या कांकणांचो चुरो जातलो. हे खातीर तो पावसांत येनाशिल्लो.

ताच्या येवपाच्या दिसांचो बायलांक अंदाज आसतालो, ते खातीर त्यो त्या दिसांनी ताच्या आवाजा कडेन कान दिवन आसताल्यो. ताचो आवाज कानार पडटांच हातांतलीं कामां उडोवन भायर येताल्यो आनी "आमगेर यो रे!", म्हण ताका आपयताल्यो.

ताची गांवांत कांय घरां थारिल्लींच आशिल्लीं. आमगेर, दोनूय भटांगेर, बामणागेर, शेटीगेर, बाप्पाईगेर... हीं ताची फिक्स गिरायकां. तांगेर न आपयतां तो वतालो. केन्ना केन्ना एकट्यागेर तो गेलो म्हणटकच आशी-कुशीच्या दोन-चार घरांतल्यो बायलो थंयच जमताल्यो आनी कांकणां मोलायताल्यो. काच्यो-बुच्यो चलयो तर ताच्या म्हऱ्यांत घिट्ट्यो घालताल्यो. ताच्या ह्या कांकणांक हात लाय, त्या कांकणांक हात लाय अशें करताल्यो. हरशीं बायलां कडेन लाळ्या-गोळ्यान उलोवपी दत्तू कांकणकार चलयांचेर मात दोळे वठारतालो. ताच्या दोळ्यांच्यो मंडोळ्यो मोठ्ठ्यो आशिल्ल्यो. ताणें त्यो वठारून धेंकणो घालतकच, म्हाका जाल्यार सामक्या भुरगेपणांत ताचो खूबच भंय दिसतालो.

तो केन्नाच आपली पेट उगडून जमनीर बसनाशिल्लो. ज्या घरांत भितर सरता, तांकां पडवेर शेंदरी वा साक पातळूंक लायतालो आनी ताचेर बसून आपली पेट उगडटालो. एक एक कांकणाचो वीड, ताचें मोल सांगून सांगून मुखार मांडटालो. कंवचेचीं, कांश्याचीं, फोल्गी, प्लास्टिकाची, बारीक-मोठीं, रस्मी-डायमंड, अशी तरेकवार प्रकाराचीं आनी तांबडीं-निळीं, पांचवीं, हळडुवीं, धवीं, जांबळीं, तरेकवार रंगांचीं कांकणां तो हाडटालो. ताची काकणां सदांच नवे मोदीचीं आनी नवे प्रतीचीं आसतालीं.

पयशांक लागून कोणाय बायलेक दत्तू वळार कांकणां आडोवन दवरनाशिल्लो. ‘‘घाल गो तूं जाय तितलीं कांकणां! पयशांचें तूं येवजिनाका. तुका जाय तेन्ना दी. ना दिल्यारूय जाता!’’ अशें तो म्हणटालो.

पूण गांवांत ताका पयशे दिनासतना कोणूच बायल रावनाशिल्ली. कांकणांचे पयशे केन्नाच कोणाचे दवरूंक जायना, अशें तीं मानतालीं. आज ना फाल्यां, केन्ना तरी तीं दत्तूचें पयशे दितालींच.

दत्तूक सगळ्या बायलांच्या कांकणाचीं सायज खबर आसताली. तो कोणाक खंयचे सायजीचीं कांकणां जाय, तें ज्युस्त काडून दितालो. नवी कोणूय आयल्यार तिचो हात हातांत घेवन हेवाटेन तेवाटेन दांबून सायज

पारखितालो. तेन्ना तो इल्लो आपलो शौक पुराय करून घेतालो. ताच्या ह्या हात दांबपाचेर केन्ना केन्ना बायलो ताचेर धेंगशेताल्यो. पूण दत्तूक ताचें कांयच दिसनाशिल्लें, तो उलट हांसतालो. तो जाणा आशिल्लो, इल्ल्यो रागार जाल्यो तरी त्यो आपलेच कडेन कांकणां घेतल्यो म्हुणून!

लग्नाक व्हंकलेक चुडो घालपाक दत्तूक खाशेल्यापणान गांवांत आपयताले. ते दिसा दत्तूचो झेत आगळोच आसतालो. आपूणच रायबारी जाल्लेवरी तो झेतान नवी मुस्तायकी घालून, टोपी बी घालून येतालो आनी व्हंकलेक चुडो भरतालो. त्या दिसा देवकाऱ्याचें जेवन बिवन तो व्हंकलेक आशिर्वाद दिवन थंयच्यान वतालो.

कितल्याश्याच व्हंकलांक चुडो घालून तांच्या सुखी संवसारा खातीर आशिर्वाद दिवपी दत्तूचो स्वताचो संवसार मात अर्दकुटोच आशिल्लो. लग्न जावन खंय दुसऱ्याच वर्सा ताची बायल कारवारच्या एका सोयऱ्या वांगडा पळून गेल्ली. ती गेल्या उपरांत तो एकलोच रावलो. दुसरें लग्न बी जालो ना. ताका लागून गांवचे तोमसोळ भुरगे केन्ना केन्ना ताका रस्त्यान वतना चाळयताले,

“कांकणकारा, वळारा,
तुजी बायल पळ्ळी कारवारा,
तुजी बायल पळ्ळी कारवारा!”

□

डॉ. जयंती नायक हांचें प्रकाशीत साहित्य

कथासंग्रह

1. **गर्जन** - पयली आवृत्ती - 1989, दुसरी आवृत्ती - 2009
पानां - 121, मोल - रु. 150/-
प्रकाशक - अपुरबाय प्रकाशन, वळवय-फोंडें, गोंय

2. **अथांग** - पयली आवृत्ती - 2002, पानां - 162, मोल - रु. 135/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें - गोंय

नाटक

1. **कुकमादेवीची दिपमाळ** - 2009, पानां - 14+62, मोल - रु. 90/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें - गोंय

2. **काळमाया** - 2014, पानां - 20+67, मोल - रु. 100/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें - गोंय

कवितासंग्रह

1. **मिर्गवेणो** - 2010, पानां - 05+72, मोल - रु. 120/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें - गोंय

बालसाहित्य

1. **वागमामाची फजिती** - 2002, पानां - 19, मोल - रु. 18/-
प्रकाशक - जैत प्रकाशन, खोर्ली, गोंय
(नाटिका)

2. **चड शाण्यांक फातरार्चे शीत** - 2001, पानां - 32, मोल - रु. 30/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें, गोंय
(नाटिका)

3. **नवरंगी फूल** - 2002, पानां - 20, मोल - रु. 15/-
प्रकाशक - युगवेद प्रकाशन, मडगांव, गोंय
(भुरग्यांकातीर सांगिल्ल्यो लोककथा)

4. **भुरग्यांखातीर लोककाणयो** - 2002, पानां - 32, मोल - रु. 20/-
प्रकाशक - युगवेद प्रकाशन, मडगांव, गोंय
(भुरग्यांखातीर वेंचीक लोककाणयांचें संकलन)

5. **सानुल्यांचीं कवनुलां** - 2004, पानां - 24, मोल - रु. 27/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें, गोंय
(बालकविता)

6. **गोंयची लोककला** - 2004, पानां - 24, मोल - रु. 27/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें, गोंय
(भुरग्यांखातीर लोककलेसंबंदी माहिती)

लोकवेद

1. **रथा तुज्यो घुडयो** - 1992, पानां - 29+153, मोल - रु. 40/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(गोंयच्या केपें तालुक्यातल्या, आमोणें गांवच्या बायलांच्या, धालो उत्सवांतल्या गितांचें संकलन.)

2. **कणेर खुंटी नारी** - 1993, पानां - 27+128, मोल - रु. 40/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(आमोणें गांवच्या बायलांच्या भावजीवनाचो आविश्कार घडोवपी गितांचें संकलन. हातूंत होंवयो, फुगडीगितां, पाळणेगितां, वावरगितां बी प्रकारांचो आसपाव आसा.)

3. **मानालीं गीतां** - 1993, पानां - 25+91, मोल - रु. 35/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(आमोणें गांवच्या क्रिस्तांव समाजांतल्या पारंपारीक गितांचें हें संकलन आसा. काजाराचें येर्स, मांडे, दुल्पदां, देखणी, खेळगितां तशेंच हेर प्रकार हातूंत आस्पावल्या.)

4. **तळय उखल्ली खेळयांनी** - 1993, पानां - 23+101, मोल - रु. 35/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(नमनगीत, दुल्पदां, ताळ, चौरंगी अशा शिगम्याच्या उत्सवांत गावपी विवीध गीतप्रकारांचें हें संकलन आसा.)

5. **आमोणे - एक लोकजीण** - 1993, पानां - 332, मोल - रु. 150/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(केपें तालुक्यांतल्या आमोणें गांवच्या लोकजीवनाच्या विविध वैशिश्ट्यांचेर बरयिल्लो हो प्रबंध.)

6. **पेडणेचो दसरो** - 1995, पानां - 53, मोल - रु. 60/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(पेडणें तालुक्यांतल्या दसऱ्याच्या लोकत्सवाचो अभ्यास हातूंत मांडला.)

7. **नागशेराचे सूर** - 1996, पानां - 08+85
प्रकाशक - कला आनी संस्कृती संचालनालय, गोंय सरकार, गोंय
(पोवाडोस्वरूप दोन गीत कथांचें हें संकलन.)

8. **लोकबिंब** - 1998, पानां - 21+182, मोल - रु. 150/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(लोकवेदाच्या विवीध विशयांचो थाव घेवपी निबंदांचें हें संकलन.)

9. **कोंकणी लोककाणयो** - पयली आवृत्ती - 2000, दुसरी आवृत्ती - 2005
पानां - 255, मोल - रु. 120/-
प्रकाशक - साहित्य अकादमी, नवी दिल्ली
(गोंय, केरळ आणि कर्नाटकांतल्या कोंकणी भाशिकांमदीं प्रचलीत आशिल्ल्या लोककथांचें संकलन. हाका अभ्यासपूर्ण अशी दीर्घ प्रस्तावना आसा.)

10. **कर्लेची बनवड** - 2002, पानां - 123, मोल - रु. 65/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(लोकमहाभारताचेर आदारीत काव्य संकलन. गोंयच्या कुळंबी जमातीच्या मरण संस्कारांकडेन संबंदीत 'बनवड' हे गानप्रथेच्या रुपाचो हातूंत थाव घेतला.)

11. **गांवरान** - 2005, पानां - 08+253, मोल - रु. 185/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(जितापत आनी गांव संस्कृती हांचेर आदारीत लोककथांचे संकलन.)

12. **राजरत्न** - 2005, पानां - 236, मोल - रु. 175/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(राजा आनी तांचें जीवन हांचेर आदारीत लोककथांचें संकलन.)

13. **लोकरंग**- 2008, पानां - 105, मोल - रु. 120/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें, गोंय
(लोकवेदा संबंदीच्या लेखांचो संग्रह.)

14. **लोकमंथन**- 2008, पानां - 98, मोल - रु. 120/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें, गोंय
(लोकवेदांच मर्म उगडून दाखोवपी संशोधनात्मक निबंदांचें संकलन.)

15. **वेंचीक लोककाणयो** - 2008, पानां - 140, मोल - रु. 80/-
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय
(संकलीत केल्ल्या वेंचीक लोककाणयांचें फेलिसिओ कार्दोज हांणी रोमी लिपींत केल्ल्या लिपियांतराचो संग्रह.)

16. **देशांतरींच्यो लोककथा** - भाग I - 2013, पानां- IX+105, मोल - रु. 150/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें, गोंय
(देश-विदेशांतल्या वेंचीक लोककथांचें पुनर्कथन.)

अणकार

1. **सोरपाची करामत** - 1998, पानां - 32, मोल - रु. 08/-
प्रकाशक - नॅशनल बूक ट्रस्ट ऑफ इंडिया, दिल्ली.
(रस्कीन बाँड हांच्या, The Snake Trouble ह्या बालकादंबरीचो अणकार.)

2. **विसर्जन** - 2012, पानां - 113, मोल - रु. 150/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें - गोंय.
(रवीन्द्रनाथ टागोर हांच्या मूळ बंगाली 'विसर्जन' नाटकाचो कोंकणी अणकार.)

3. **जिन्दगीनामा** - 2015, पानां - 443, मोल - रु. 200/-
प्रकाशक - साहित्य अकादमी, नवी दिल्ली
(कृष्णा सोबती हांच्या मूळ हिन्दी 'जिन्दगीनामा' कादंबरीचो कोंकणी अणकार.)

अनुवादीत साहित्य

1. **मृदूवेणा** - 2015, पानां - 104, मोल - रु. 170/-
प्रकाशक - राजाई प्रकाशन, केपें - गोंय.
('मिर्गवेणो' ह्या कविता संग्रहाचो डॉ. सिसिल्या कार्व्हालो हांण
केल्लो मराठी अनुवाद.)

संकलन आनी संपादन

1. **गोवा कोंकणी अकादेमीचीं** 25 **वर्सां** (1987 ते 2010), पानां - 92
प्रकाशक - गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय,
(गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पंचवीस वर्सांच्या कार्याचो आढावो

2. **अनन्य** - गोवा कोंकणी अकादेमीच्या स म्हयन्याळे साहित्य पत्रिकेचें संपादन
पयलो अंकः जुलै ते डिसेंबर, 2014

पुरस्कार

1. कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय - साहित्य पुरस्कार (1989)
2. जनवाहिनी मांड सोभाण, मंगळूर-लोकवेद पुरस्कार (1998)
3. डॉ. टी.एम्.ए. पै फाऊंडेशन, मणिपाल-पुरस्कार (2000)
4. कला अकादमी गोंय- साहित्य पुरस्कार (2002)
5. साहित्य अकादेमी, दिल्ली-पुरस्कार (2004)
6. गोंय राज्य सन्मान (2007)
7. यशोदामिनी, गोंय सरकार पुरस्कार (2008)
8. कला आनी साहित्य केंद्र, कुडचडें - नाट्य पुरस्कार (2010)
9. कोंकणी भाशा प्रचार सभा, कोचीन - उत्कृष्ट साहित्य पुरस्कार (2010)

□

KONKANI BHASANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)
World Konkani Centre
Lobo Prabhu Nagar,
Konkani Gaon,
Shaktinagar,
Mangaluru,
575 016

8335
Short Stories
Dev
JAY

डॉ. जयंती नायक

- साहित्य अकादेमी पुरस्कार विजेती लेखिका
- लोकवेद संशोधिका
- 'अनन्य' साहित्य पत्रिकेची संपादक

... म्हजे जिणेच्या अर्द शतकाच्या प्रवासांत कितकीं तरी जाण्टीं-वडील मनशां म्हाका गांवांत मेळ्ळीं (थोडीं गांवाभायरय) जीं आज संवसारांत नात, पूण तांच्या मायेस्त, मोवाळ सभावाक लागून आनी केन्ना तांच्या विक्षिप्तपणाक लागूनय म्हज्या स्मृतीपटलाचेर तीं जिवीं आसात. जेन्ना केन्ना हांव एकांतांत बसता... खास करून घरांत कोण नासता, तेन्ना तिनिसांजेच्या वेळार आंगणांत तुळशीपेडयेर पेट्टली निरांजनाची मंद मंद वात तेळत हांव पडवेर घोलत्या कदेलार बसता, तेन्ना तीं तीस-चाळीस वर्सांची काळाची वाट एका खिणाक माड्डून म्हज्या मुखार दुत्त करून येवन उबीं रावतात. आनी म्हाका विचारतात, "बाये, बरयता म्हुगो तूं आमची काणी? सांगता म्हुगो तूं आमची कथा फुडले पिळगेक? तूं आतां सांगना जाल्यार मागीर कोण सांगतलो ती! तुजेशिवाय कोण जाणा बरें सांगूंक आमचें जीवन... आमी भोगलेले भोगणार!..."

- जयंती नायक

राजाई प्रकाशन